# मृगजळ

माया अनिल खरंगटे

# मृगजळ

(कथा संग्रह)

## माया अनिल खरंगटे

राजाई प्रकाशन

मृगजळ
(कथा संग्रह)

Mragajall
(Short Story Collection)

माया अनिल खरंगटे

Maya Anil Kharangate

प्रकाशन क्र. 11

Publication No. 11

पयली आवृत्ती : 2009

First Edition: 2009

© माया अनिल खरंगटे

© Maya Anil Kharangate

छापपी :
रूतू ऑफसेट,
वळवय, फोंडें, गोंय

Printer :
Rutu Offset
Volvoi, Ponda, Goa.

मुखचित्र :
गौरीश वेर्णेकार

Cover :
Gaurish Vernekar

अक्षर जुळोवणी :
ज्योती गांवकार

Typesetting :
Jyoti Gaonkar

प्रकाशक :
अवधूत आमोणकार,
राजाई प्रकाशन,
आमोणें, केपें, गोंय - 403 705

Publisher :
Avadhut Amonkar,
Rajaee Prakashan,
Amona, Kepem, Goa - 403 705

मोल : रू. 140/-

Price : Rs. 140/-

ज्ञानपीठकार रवीन्द्रबाबांक
म्हजो हो साहित्यतुरो
आदरान......

– माया

# प्रकाशकाचे वतीन

श्रीमती माया अनिल खरंगटे, ही आमच्या इश्ट परिवाराची एक सदस्य, देखून तिचें पुस्तक उजवाडायतना आमकां खूबच खोस भोगता. प्रकाशनाच्या वावरावरवीं आमच्या हातांतल्यान कोंकणी मायेची सेवा जावंची तेचबरोबर आमच्या घरच्या आनी इश्ट-परिवारांतल्या बरोवप्यांची पुस्तक छापपाची अडचण पयस करून तांचे लेखणेक फाटबळ दिवंचें, हो आमचो हावेस. ह्या हावेसांतल्यान 2007 वर्सा आमी आमचे गांवचे काका श्री. चंद्रकांत नायक हांचें 'मनसांज' हें कवितेचें पुस्तक उजवाडाक हाडलें आनी आतां श्रीमती माया खरंगटे हांचो 'मृगजळ' हो कथासंग्रह उजवाडाक हाडटात.

माया अनिल खरंगटे म्हणजे पुर्वाश्रमीच्यो माया पुंडलीक शेळडेकार. फाटलीं तीस वर्सां परस अदीक काळ त्यो साहित्य लेखन करतात, तेच बरोबर कोंकणी भाशा चळवळींत आसात. कोंकणी मायेन जेन्ना जेन्ना उलो मारला, तेन्ना तेन्ना तिचे सेवेखातीर त्यो हातांतलें काम वडोवन उब्यो जाल्यात. कथा, कविता, बालसाहित्य, अनुवाद अशे साहित्य प्रकार तांणी यशस्वीपणान केळयल्यात. बालसाहित्याक तर तांचें खाशेले योगदान आसा. तांचो हो तिसरो कथासंग्रह उजवाडाक हाडटना आमकां खेरीत समाधान भोगता.

ह्या पुस्तकाचे चित्रकार श्री. गौरीश वेर्णेकार, अक्षर जुळोवपी करपी श्रीमती ज्योती गांवकार आनी छापपी रूतू ऑफसेट हांचे आमी तांणी दिल्ल्या उस्फुर्त सहकार्याखातीर उपकारी आसात.

मलपृष्ठाखातीर मायाबायच्या कथाविशीं आपलो खाशेलो अभिप्राय दिवपी डॉ. किरण बुडकुले हांकांय आमी दिनवासतात.

मायाबायची कथा प्रतिश्टेच्या मानपाटाचेर बसून तेवरवीं कोंकणीमायेचीय प्रतिश्टा वाडची असो आमचो आंवडो!

27 जुलय 2009 **प्रकाशक**

# मनांतलें...

हो म्हजो तिसरो कथांझेलो आज तुमच्या हातांत दितना म्होका खूब खोस जाता.

आजमेरेन हांवें साठ-सत्तर कथा बरयल्यात. काल्पनीक कथा रचप म्हाका केन्ना जमली ना. सरभोंवतणचीं पात्रां जेन्ना म्हज्या मनाचो तळ खवदळायतात तेन्नाच म्हजी लेखणी नवी कथा चितारता.

म्हजो पयलो कथा संग्रह येवपाक तसो बरोच वेळ जालो. 2000 वर्सा 'घोंटेर' उजवाडा आयलो. ते उपरांत स वर्सांनी म्हजो 'मळबझेप' हो दुसरो संग्रह उजवाडा आयलो आनी आतां राजाई प्रकाशनाक लागून म्हजो 'मृगजळ' हो तिसरो संग्रह तुमच्या हातांत पावता. 'राजाई प्रकाशनाक' लागून म्हळ्यारच म्हजी इश्टीण डॉ. जयंती नायक हाका लागून हो संग्रह इतले बेगीन आनी सोबीत रूप घेवन तुमचे मुखार आयला. नाशिल्ल्यांतलो वेळ काडून ताणें हो नटयला. राजाई प्रकाशन सुरू करतनाच हांवें जयंतीक म्हणिल्लें, ''म्हजोय एक कथासंग्रह तुवें काडूं जाय हां.'' तेन्ना दिल्लें उतर ताणें रोखडेंच खरें केलें. 'जयंती, तुजो मोग म्हाका सदांच असो मेळत रावूं.'

राजाई प्रकाशनाचे प्रकाशक भौ. अवधूत आमोणकार हांचे उपकार मानपाक म्हजे कडेन उतरां नात. तांचें हें रीण म्हजेर सासणाचेंच.

कथेच्या मळार खरें म्हळ्यार हांवें मातशें उसरांच पावल घालें. कथांची सुरवात तशी मनांतल्या मनांत म्हज्या भुरगेंपणारच जाल्ली. आज्जेची काणी सोंपली, पुस्तकांतली काणी सोंपली काय तीच काणी हांव मनांतल्या मनान मुखार व्हरतालें. पूण म्हज्या साहित्याक सुरवात जाली ती कॉलेजांत शिकतना, म्हळ्यार सादारण 1975 सालांतल्यान. लेख, निबंध, कविता अश्या तरेच्या साहित्यान म्हज्या लेखनाची सुरवात जाली. रेडियोपासत नाटकुलींय बरयतालें. कथेन मनाचें दार धोडावन केन्ना भितर प्रवेश केलो कळ्ळेंच ना. कथेच्या मळार रमता आसतनाच बालसाहित्याचें ल्हार मनातळांतल्यान उसळून वयर आयलें. सगळे तरेच्या साहित्यांत भोंवर मारतना म्हजीं 23-24 पुस्तकां प्रसिध्द जाल्यांत. तरीय म्हज्या मनाचें अजून समाधान जावंक ना. अजून जायते संकल्प मनात आसात. हे संकल्प पुराय करपाक म्हाका तुमची गरज आसा. म्हज्या इश्ट परिवाराची उमेद, उर्बा आनी घरकाराचें पूर्ण सहकार्य म्हणून म्हज्या हातान इतलें साहित्य जालें. तें अशेंच फुलत दवरपाची इत्सा.

म्हजे दोनय संग्रह वाचकांक भावले हाची पावती म्हाका वेळावेळार मेळ्ळ्या. आतां हो तिसरो संग्रह 'मृगजळ' तुमकां आवडटलो अशी म्हाका आस्त आसा.

ता. 1 मे 2009 — माया खरंगटे

# मांडावळ

पान नं.

| | | |
|---|---|---|
| 1. | मोनी बावली | 1 |
| 2. | काळ्या पिड्डुकांचें वजें | 8 |
| 3. | जोगम्मा | 18 |
| 4. | पिसाय | 25 |
| 5. | बायेचें लग्न | 33 |
| 6. | कांट्यांतली वाट | 41 |
| 7. | उध्दाराश्रम | 49 |
| 8. | पन्नाशी | 56 |
| 9. | म्हजी मोगाची धूव ती | 61 |
| 10. | मन वळटा वळना | 69 |
| 11. | दुदावेली साय | 77 |
| 12. | उशणी आवय | 85 |
| 13. | ममता | 94 |
| 14. | सवतीचीं भुरगीं | 100 |
| 15. | दायज | 108 |
| 16. | घोरपुरीस | 117 |

1.

# मोनी बावली

केरळांतल्या अडूर गांवांत पी. अय्यंगारागेर बोवाळ चलतालो. कोण घर निवळ करताले कोण माटवाक रंगीत फोली लावन सजयताले, कोण गांवांत आमंत्रणां दिवूंक फिरताले, जाल्यार घरांत भितरले वटेन थोड्यो बायलो गजाली करत करत खाणां करतालीं. थोड्यो बायलो दळप कांडप करताल्यो, कोण व्हंकलेचें सामान देणें बांदताल्यो, सगळोच बोवाळ चलतालो.

पी. अय्यंगाराचे व्हडले धुवेचें लग्न आसलें. पी. अय्यंगार पांच मुखेल गांवकारा मदलो एक. सगळ्या गांवाचेर ताचे धुवेच्या लग्नाचो बोवाळ पडिल्लो.

अडूर गांव हो निकतोच कूस परतुपी एक गांव आसलो. थंय अजून मेरेन वडा झाडा मुळांत आयताराचो बाजार भरतालो. हेर गरजेच्यो वस्तू, दोतोर, वखत विर्सद जाय जाल्यार पटनटिटा ह्या तालुक्याच्या गांवांत वचचें पडटालें. अडूर गांवांत एकच मल्याळम भाशेची शाळा आसली. तातूंत आठवी मेरेन शिक्षण मेळटालें. मुखावेलें शिक्षण घेवंक पटनटिटा गांवांत वचचें पडटालें. थंय इंग्लीश शाळाय आशिल्ल्यो. मोठ्या मोठ्यालीं भुरगीं तालुक्याच्या गांवांत वचून इंग्लीश शाळांनी शिकतालीं.

पी. अय्यंगार मध्यमवर्गीय दुकानदार. ताका तीन चलयो आनी एक चलो. ताणें चवगांय भुरग्यांक गांवचे मल्याळम शाळेंत घाल्लीं. जयप्रदा ताची व्हडली धूव. आठवी पास जातकच ताणें ताका घरांत बसयलें. आवय आज्जेच्या हाताखाला तें घरांतलें रांदपा-वाडपाचें शिकप घेतालें. जयप्रदा फाटलो इश्वर. ताका मुखार पटनटिटाचे इंग्लीश शाळेंत घालपा पासत पंडीत सरागेर इंग्लीशीची

शिकवणी लायिल्ली.

जात्रा, लग्न, कारण आसले शिवाय गांवचे लोक चडशे गांवां भायर वच नासले. सामकीच गरज आसली जाल्यार दादले तालुक्याच्या गांवांत येता वताले.

अशा गांवांत रावपी जयप्रदाक ताच्या मामान गोंयांत काम करपी शंकरनाची सोयरीक हाडिल्ली. शंकर पदवी मेरेन शिकिल्लो आनी गोंयांत फिनोलॅक्सांत काम करतालो. जयप्रदा दिसूंक सोबीत कांतयल्ली बावली कशी. फोटो पळोवनच शंकरनाच्या आवय बापायक जयप्रदा आवडलें. खासा पळयतकच तर घरच्या संस्कारांत वाडिल्ल्या सोबीत जयप्रदाक तांणी रोखडेंच पसंत केलें.

दोन म्हयन्या भितरच पी. अय्यंगारान लग्नाची तयारी केली आनी जयप्रदा शंकरनाचें लग्न जालें. दोनय घराब्यांतलीं देवदेवस्पणां, हांगेर तांगेर जेवणां अशें करतासर पंदरा वीस दीस सहज गेले.

शंकरन जयप्रदाक घेवन गोंयांत येवंक गाडयेंत बसलो. पयलेच खेप जयप्रदा शार, रेल्वे पळयतालें. अजापान तें शंकरनाक कितें कितें विचारतालें. शंकरनय उमेदीन ताका सगळें सांगतालो.

गोंयांत वेर्णा एके बिल्डीगेंत शंकरन रावतालो. शंकरन पयलीं फातोर्डा गांव भावा वांगडा रावतालो. लग्न थारतकच कंपनीन ताका वेर्णाचो फ्लॅट दिल्लो. ह्या बिल्डींगेंत चडशे गोंयकार लोक रावताले. आशिकुशीकय कोणच केरळीयन रावनासलो.

सुरवेक पंदरा दीस शंकरनाची लीव आशिल्ल्यान तो जयप्रदाक घेवन गोंयभर फिरलो. जयप्रदाक सगळ्याचें अप्रूप. भायर फिरप, हॉटेलांनी जेवप तें खोशी जालें. तांच्या गांवच्या लोकांगेरय ताका व्हरून शंकरनान ताची वळख करून दिली. जयप्रदाक तांचेकडेन उलोवपाक लेगीत लज दिसताली. तें वोग्गी रावन तांच्यो खबरी आयकतालें आनी तोंडार पदर धरून हांसतालें. दादले बायलो एकठांय बसून फकाणां मस्कऱ्यो करतात हाचें ताका अजापच दिसतालें.

हांगा थंय फिरतना शंकरनाच्या लिवेचे पंदरा दीस सोंपले. मागीर खऱ्या अर्थान जयप्रदाचो संवसार सुरू जालो. शंकरन बायले हातची इडली –सांबार, इडिअप्पन, डोसा खावन जो वतालो, तो बद्द तिळसना घरा पावतालो. दिसभर आपले पुरतें जेवण करप, घरचो वावर आनी घोवा खातीर सांजवेळचें खावंक करप हाचेशिवाय ताका आनी कांय काम आसनासलें. पयलीं पयलीं तें गॅलरींत बसून रस्त्यावेली

येरादारी पळयतालें. थोड्या दिसांनी ताचोय ताका वाज आयलो. सकाळचो आदेस तें कसोय कामांत सारतालें. पूण सांजवेळा घोवाची वाट पळोवपा सोडून ताका कांयच काम नासतालें.

सांजवेळचो शंकरन येतकीर चा-खावंक खातकीर तीं बाजारांत ना जाल्यार फिरूंक वतालीं. तेन्ना जयप्रदा तुमाचो गुड्डो सुटिल्लेवरी उलयत रावतालें. अशावेळार शंकरन फकत आयकुपाचें काम करतालो. दुकानाचेर, बाजारांत वतकच मात जयप्रदा मोनें जातालें. ताका मल्याळम सोडून दुसरी खंयचीच भास येनासली.

लग्नाक वर्स जायत आयिल्लें पूण जयप्रदाक रावत्या वाठाराची मात्तूय संवकळ जावंक नासली, ना शेजाऱ्या पाजाऱ्यांची वळख देख. भाशेचे अडचणीक लागून तें तोंडच भायर काडनासलें. तांचे बिल्डीगेंत रावपी चडशे जाण शिर्विस करपी, दिसभर भायर रावपी. कोणाच्या घरांत चेडवां नातर एकाद्री जाण्टी बायल. दारांत भाजी, फळां नुस्तें घेवन येवप्यांक लेगीत तें दार काडनासलें. एक दीस भाजीकान्नीक ताणें दार काडलें. पूण भाजी ताच्या वळखीची नासली. फकत भेंडे ताका वळखूंक आयले. ताणें कुरवांनी पयशे विचारले. ताच्यो कुरवो भाजीकान्नीक कळ्ळ्यो ना. ती वेगळेंच विचारताली आनी जयप्रदा खाणाखुणो करून कितें तरी सांगतालें. तांकां दोगांकय पळोवन शेजारच्या फ्लॅटांतलें चली व्हडाव्हडान हासूं लागलें. जयप्रदाक वायट दिसलें. त्या उपरांत ताणें दारांत कोणय आयल्यार दार उगडलें ना.

घोव घरा येसर घरांत एकटें बसपाचो ताका वाज येतालो. पूण करतलें कितें?

तातूंत शंकरनाची बदली जाली सावंतवाडी. शेनवार दीस तो घरा येतालो आनी आयतारा सांजेचो ना जाल्यार सोमारा सकाळीं परत वतालो. आतां जयप्रदा सामकें एकटें जालें. दीस कसोय सरतालो. रात ताका खावंक येताली. तातूंत व्हड अडचण जाली ती सामान हाडपाची. आयतार दीस शंकरन जाय तें सामान हाडटालो. पूण कांय गजाली ताका जायच पडटाल्यो.

सकयल दुकानां आसलीं. ताका शाबू जाय आसलो. पयलेच खेपे तें दुकानार गेलें आनी कुरवांनी शाब्बाक बोट दाखयलें आनी मागलो. आनी कितें जाय तें घेतलें. हो सगळो कुरवांचो वेवहार त्या दुकानार वेळ पासार करपाक बसपी लोकांनी पळयलो. जयप्रदान फाट वळ्ळे बरोबर सगळे खू, खू करून हांसू लागले. जयप्रदाक कळ्ळें ते आपल्याक हांसल्यात म्हणून. तें मुकाट्यांनी घरा आयलें. आतां तें मदीं

मर्दी सकयल येवन कुरवांनी दाखोवन वस्तू व्हरतालें. ताचो कुरवांचो वेवहार पळोवन थंय बसपी लोकांनी ताका 'मोनी बावली' म्हणून नांव दवरिल्लें. येतना वतना ताच्या फाटल्यान ते मोनी बावली म्हणून चाळयताले.

एक दीस ताणें शंकरनाक ताचो अर्थ विचारलो. ताणें म्हळें, 'मोनी बावली, ऊमा पोवा, उलोवंक येनाशिल्ली बावली. तूं कुरवांनी उलयता न्हय, म्हणून तांकां दिसलां तूं 'ऊमा' म्हणजे मोनें म्हणून. ओह तूं खंयचें ऊमा पोवा, तूं तर बडबडी बावली.'

एक दीस जयप्रदाक दूद जाय आसलें. तें दुकानार गेलें. पूण दूद आशिल्लें फ्रिजांत. भायर दिसनाशिल्लें. आतां दूद कशें मागप? जयप्रदाक मोठो प्रस्न पडलो. तरी ताणें म्हळें, 'पाल वेनम' म्हळ्यार 'दूद जाय.' 'कितें सारकें सांग' दुकानदारान अशें म्हणना फुडें ताणें मोठ्यान म्हळें, 'पाल वेनम'.

थंयचे सगळे लोक पयलीं तें उलयता म्हणून अजापान पळोवंक लागले. मागीर व्हडान हांसून ताणीं म्हळें, 'आरे! बावली मोनी न्हय, तिका उलोवंक येता. तिका पाल जाय. तूं पालीय विकता रे?' दुकानदाराकूय हांसूंक आयलें. जयप्रदा नर्व्हस जालें पूण ताका येवजलें, 'दूद फ्रिजांत आसतलें.' ताणें फ्रिज उगडूंक लावन दुदा पिशवेक हात दाखोवन मागलें. ते बरोबर सगळ्यांनी 'पाल पाल' म्हणून ताका चाळयलें.

आतां तें दुकानार आयलें काय सगळे दुकानकाराक म्हणटाले, 'पाल आयली रे, शेड्डे आसल्यार पळे.'

ते चाळयतात म्हणून जयप्रदाक आतां दुकानार वचूंक लेगीत वाज येतालो. सामको उपाय ना तेन्नाच दुकानार वतालें आनी थंयच्या लोकांनी चाळयतकच बेजार जावन घरा येतालें. घरा येवन तें व्हडाव्हडान तांकां उलयतालें, खेपतालें आनी शांत जातालें.

करतां करतां ताका सवंयच जाली. वाज आयलो काय तें व्हडाव्हडान उलयतालें, आपले भितर हांसतालें, वायट गजाली येवजल्यो जाल्यार रडटालेंय बी.

त्या शेनवाराक शंकरन येतकर तें पांच मिनटां फकत हांसूं लागलें. शंकरनान ताका विचारलें, "बडबडे बावले, आज कितें खूश खबर?"

ताका जाप दिवचे बदला ताणें शंकरनाक वेंग माल्ली आनी व्हडा व्हडान

रडूं लागलें. शंकरन काचाबूल जालो. थोड्या वेळान शांत जातकर ताणें सांगलें, म्हाका वाज येतकर हांव व्हडान उलयतालें, हांसतालें. आतां म्हाका वोगीच हांसत रावन दिसता, रडत रावन दिसता, खूब उलयन दिसता. तुमी आतां कितेंय करात पूण म्हाका हांगा एकटें दवरून वचूं नाकात. म्हाका भंय दिसता.' इतलें सांगून तें परत रडपाक लागलें.

दुसरे दिसा शंकरनान ताका दिसभर भायर फिरोवन हाडलें. जयप्रदा मातशें उमेदी जालें. पूण सांजवेळार घरा येतकच परतय उदास जालें. तें शंकरनाक शिर्विसेकच वचूं नाका म्हणून हट करतालें. दुसऱ्या आठवड्यांत नवरात्रां आसलीं. तेन्ना सुटी घेवन येवपाचें उतर दिवन मनांत हुस्को घेवन शंकरन गेलो.

नवरात्रांत केरळियनांगेर णवय दीस पुजा दवरतात. देवारो बरो सजोवन तातूंत देव - देवतांच्यो मूर्ती मांडटात. सद्दा देवांची पुजा करून सांजवेळा दोन वा चड सवायशिणी आपोवन तिका पिंजर, चंदन लायतात. एका आयदनांत चुंडल म्हळ्यार चड करून चण्याची उसळी, विडो, हळदीकूट, फुलां दवरून आयदनां सकट दितात. आयदनांत वाट्याचो नाल्ल, कपडो अश्योय वस्तू दितात. मागीर सवायशीणीक खावंक पिवंक दिवन धाडटात.

शंकरनान दसरो मेरेन लीव घेतिल्ली. ताची आवय केरळांत घरा नवरात्रांची पुजा करताली. ताका लागून जयप्रदाक पुजा करपाचो वावर नासलो. हेर केरळीयनांगेर साकून जयप्रदाक आमंत्रणां आयिल्लीं. शंकरन ताका सदां सांजवेळां एक एकट्यागेर व्हरतालो. जयप्रदा उमेदीन भायर सरून वेतालें. थंय तें खूब बडबडटालें, खूब हांसतालें, वोगीच कोणाचींय फकाणांशी करतालें. त्या घरांतल्या लोकांक ताची वागणूक विचित्रशी दिसताली. पूण तोंडार कोणच कांय उलयनासले.

शंकरनाकय ताच्या वागपांतलो बदल जाणवल्लो. पूण कितें करप? ताका कांयच सुचनासलें. ताणें आपल्या इश्टांक विचारलें. ताणीं ताका मानसोपचार तज्ञाक दाखोवपाचो सल्लो दिलो. पूण शंकरनाक तांचो हो विचार मातय मानवलो ना.

...मानसोपचारतज्ञाकडे वचपाक म्हजी बायल कितें पिशी.... ती एकटी पडटा देखून अशी वागता.. आपले भाशेंत उलोवपी लोक मेळटकीर मातशें चड उलयता.. मेकळपणान हांसता. तातूंत कितें जालें? .. म्हजेंच चुकलें. हांवें तांचेकडेन विचारपाचेंच न्हय...

अशे जायते विचार करून निमणे ताणें थारायलें. आतां हे धा दीस हांव हांगा आसां. सद्या तरी जया बरें आसा. आनी दोन तीन म्हयन्यांनी पोंगल. लग्न जावन हांगा आयिल्ल्याक आमी घरा वचूंकच ना. तेन्ना सुटी घेवन हांव जयाक पटनटिटा घेवन वतलों. मागीर पळे आपल्या मायेच्या मनशांमदीं जया कितलें खूश जातलें.

अशें थारावन तो वोगी रावलो. जाता तितलें जयप्रदाक खोशी दवरपाचो यत्न करूं लागलो.

धा दीस रोकडेच सोंपले. 'फाल्यां शंकरन वतलो' हाचे वेध जयप्रदाक दसऱ्या दिसाच लागले. तें विचित्र वागूं लागलें. ल्हान भुरग्यावरी 'तूं शिर्विसेक वचूं नाका. म्हाका भंय दिसता. 'ऊर पोनामा' म्हणजे 'गांवांत वचूंया' म्हणून रडूं लागलें.

इतले दीस सुटी घेतले उपरांत शंकरनाक कशेंच रावंक मेळ नासलें. ताचेर लक्ष दवरूंक सांगतलो जाल्यार लागीं वळखिचो कोणच नासलो. आतां आमचे लोकां मदींच फ्लॅट घेवन रावप असो निश्चेव करून तो गेलो.

शंकरन गेलो आनी जयप्रदा परत एकटें जालें. आतां ताका एकटेपणाचोच भंय दिसतालो. घरभर तें भंयानच शें वावुरतालें. दुकानाचेर तर ताणें वचपाचेंच सोडिल्लें. दारांत दुदा पिशवी हाडून पावोवंक लायिल्ली म्हणून तें दूद घेतालें. केन्ना कॉफी केल्यार केली नाजाल्यार तशेंच तापोवन पितालें.

सकाळ जातकर एक एक दीस तें दारांत कदेल घेवन वोग्गी बसतालें. नाजाल्यार गॅलरींत वचून बसतालें. जयप्रदाच्या पिशांतूरपणाची सुलूस बिल्डींगेंतल्या लोकांक लागिल्ली. पूण भाशेचे अडचणीक लागून सगळीं वोग्गी रावतालीं. सकयल्या दुकाना वयल्यांकय ताची स्थिती कळिल्ली. तें गॅलरींत बसतकीच ते ताका चाळयताले.

एक दीस ताणें देवाऱ्यांतले देव काडून सकयल उडयले. लोकांनी वयर हाडून दिले. ताणें मुकाट्यांनी घेतले. दुसरे दीस कपडे भायर उडयले. तेय कोणेतरी वयर हाडून दिले. ताका ताणें कितें कितें म्हणलें. आनी एक दीस ताणें साखर भायर रकयली. सकयले लोक वोगी रावन ताका पळयताले.

शेनवार दीस शंकरन येतलो म्हणून सगळें घर दोन तीन वेळा ताणें धुलें पुसलें. दनपारच्यानच गॅलरींत बसून तें ताची वाट पळोवंक लागलें. शंकरन बशींतल्यान देंवले बराबर तें व्हडाव्हडान हांसू लागलें. हांसता हांसता शंकरनाक उलो मारून ताणें गॅलरींतल्यान उडी माल्ली. 'आरे, आरे' म्हणटां म्हणटां जयप्रदा

सकयल पडलें. ताचो पांय मोडलो.

शंकरनान शेजाऱ्यांच्या आदारान ॲम्ब्युलन्स आपोवन ताका मडगवां हॉस्पीटलांत हाडलें. दुसरे दिसा थंयच मानसोपचारतज्ञाक हाडून ताका दाखयलें.

तें घरांत एकटें उरिल्ल्यान, उलोवंक दुसरो कोणच मेळनाशिल्ल्यान ताची पिशांतुरावरी स्थिती जाल्ली. ताका डिप्रेशन आयिल्लें. दोतोरान ताका गांवांत व्हरून थोडे दीस आपल्या मनशांमदीं दवरूंक सांगिल्लें. दोतोराची सांगणी शंकरनान जयप्रदाक सांगले बरोबर तें व्हडा व्हडान हांसलें, हांसतां हांसता रडूं लागलें आनी ताणें भरिल्ल्या गळ्यान दोतोराक थॅक्स म्हणलें, ''नन्नी... डाक्टर नन्नी !''

♦♦♦

## 2.

# काळ्या पिड्डुकांचें ओजें

शुभलक्ष्मीक सदचेवरी साडेपांचांक जाग आयली. हालीं ताका न्हीद उसरां लागताली आनी जाग मात बेगीनच येताली. तोंड धुवन च्याचें कोप घेवन तें हॉलांत येवन बसलें.

"आज शोमा आनी सोहाचें पांच परतवण... लग्न जावन पयलेच खेप तीं घरच्यांवांगडा येतलीं..." हो विचार मनांत आयलेबरोबर शुभलक्ष्मीक उमेदशी जाली. ".... तीं येवंचे पयलीं सगळें घर वेवस्थीत करूं जाय... तशें हें लग्नाचें घर जाल्ल्यान नवे व्हंकलेवरी आमी नटयलां... तरी चार दीस सोयऱ्या धायऱ्यांच्या येवपा-वचपाक लागून कचकचसो जाला.. नवीं सोयरीं येतलीं म्हणटकच घर निवळ करूंकच जाय.. आई आनी सुचिता रातभर गजाली करतालीं. आतां बरीं सुशेगाद न्हिदल्यांत... म्हजी मात न्हीद खळ्ळी. तशी म्हजी न्हीद खळपाक लागल्यार आज तेवीस वर्सां जालीं...

हालींसराक तेवीस वर्सां फाटलो काळ ताच्या दोळ्यांमुखार परत परत घुंवतालो. त्या तेवीस वर्सांच्यो यादी मात ताका मात्तय नाकाश्यो जाल्ल्यो. पूण दिसा फाटल्यान रात येवंची तश्यो ह्योय यादी आपली हजेरी लायताल्यो.

सुचिता आनी सुदिना फाटल्यान बरेच तेंपान शुभलक्ष्मी जाल्लें. धाकटें जाल्ल्यान तें सगळ्यांच्या अपुरबायेचें जाल्लें. दिसतालेंय सोबीत बावली कशें. दोगांय भावंडां ताका बावलीच म्हणटालीं.

व्हडल्या दोगांय भावंडां परस शुभलक्ष्मी बरेंच हुशार आसलें. वाडट्या रूपा वांगडा ताची बुध्दय वाडटाली. "बावलेक आमी दोतोर इंजिनियर कितेंय पूण

करप...'' अशें सगळ्यांकच दिसतालें.

बारावेक शुभलक्ष्मीक मार्क बरेच कमी पडले. तसो ताचे परीन ताणें यत्न केल्लो. पूण ताचें चीत्त चडशें इश्ट-इश्टिणीमदीं आसतालें. एकामेकांक फोनाफोनी करप. अभ्यास करून वाज येता म्हणून सांजवेळचीं सगळीं फिरूंक, हॉटेलांत वतालीं. हातूंतच तें चड घुस्पलें आनी जावपाचें तेंच जालें. ताका दोतोर वा इंजिनीयर करपाचें घरच्यांचें सपन, सपनच उरलें.

आतां बी. एस्सी. करतना ताचेर कसलेंच बंधन नासलें. इश्ट-इश्टीणी वांगडा मौजमजा करूंक तें मेकळें आसलें.

दुसरें वर्स बी. ए. च्या वर्गांत सुजय मापारी शिकतालो. तशें ताचें हें कितल्यावे खेप दुसरें वर्स तें तोच जाणां आसलो. तो दिसूंक स्मार्ट. हातांत पयसो खुळखुळटालो. गाडयेंत इश्ट - इश्टणींक घेवन फिरपांतच ताचो चडसो वेळ वतालो. मागीर अभ्यास खंयचो? सोबीत चली दिसली काय तिचेकडेन इश्टागत करपाक तो मुखार सरतालो. तो सरतालो म्हणचे परस चलयोच ताचेकडेन चड ओडटाल्यो. ताणें इश्टागतीचो हात मुखार करप म्हळ्यार तीं आपलें भाग्य समजून परिणामाची पर्वा करिनासतना ताचे वांगडा फिरतालीं.

शुभलक्ष्मीन कॉलेजींत पावल दवरत साकून सुजयाचें ताचेर लक्ष आसलें. एन्.एस्.एसाच्या शिबिरा निमतान तीं कांय दीस एकठांय वावुरलीं. थंयच तांच्या इश्टागतीचें रोप वाडूं लागलें.

सुजयाचो सभाव भुरग्यावरी. एकाय चलयेवांगडा तो चड तेंप फिरनासलो. पूण शुभलक्ष्मीन मात ताका कसोच सोडलो ना. आपूण सुजयाकडेन लग्न जातलेंच असो ताचो हट्ट आसलो. मदीं मदीं तें सुजयाक शिटकायतालें, ''सुजय, आतां जाय तितल्या चलयांकडेन इश्टागत कर. पूण लग्न मात तुका म्हजेच कडेन करचें पडटलें. आनी एकदां लग्न जालें काय तुका दुसरे खंयचेच चलयेकडेन पळोवंक लेगीत मेळचें ना हां.''

''छट्ट, लग्न-बिग्न म्हाका सांग नाका. आंगांत रग आसासर लायफ् एन्जॉय करपाचें. तूं म्हाका आडावंकच शकना. तुका जाय जाल्यार म्हजेकडेन इश्टागत दवर. तशें तूंच पयलें चली, जें इतलो तेंप म्हजी इश्टीण जावन आसा.''

सुजयाचीं सगळीं कर्तुपां खबर आसुनय शुभलक्ष्मी झपाटिल्लेवरी ताचे फाटल्यान लागिल्लें. ताच्या गटांतलीं सगळीं ताका आडावपाचो यत्न करतालीं.

पूण ''हांव सुजयाक एक बरो मनीस करून तुमकां दाखयतां'' अशी पैज तें इश्टीणीकडेन मारतालें.

ताचो निश्चेव घरच्यांक कळटकच तांणीं ताका खर विरोध केलो. तींय सुजयाक वळखतालीं. शुभलक्ष्मी आपलो हट सोडूंक कशेंच तयार नासलें. निमणें ताच्या हटा मुखार घरचीं बागवलीं. तांणी तांचें लग्न केलें. पूण तांच्या तोंडार कसलीच उमेद नासली. तांणी आपलें कर्तव्य पूर्ण केल्लें.

लग्नाचें एक वर्स सुजयान शुभलक्ष्मीक मोगान न्हाणयलें. दोन तीन वेळा भायर फिरोवनय हाडलें. नव्या नवतीच्या संवसारांत आनी सुजयाच्या मोगाच्या ल्हारांत शुभलक्ष्मी तृप्त जावन उफेतालें. ते दीस येवजून आतांय ताच्या तोंडार हांसो फुल्लो.

– शुभू, सकाळीं सकाळीं हांसतशें हॉलांत बसलां?

– ना गो, हरशींच. सुचिता रातभर तुवें आनी आईन बऱ्यो गजाली मारल्यो. निमणे हांव न्हिदलें.

– आगो परतून तुमी केन्ना मेळटलीं अश्यो गजाली करूंक देव जाणां, म्हणून कालची रात जागून काडली. आपले पोटचीं पोरां लग्न करून दिलीं काय परकी जातात. मागीर केन्ना पोटभर उलोवंक मेळटलें काय हाची वाट पळयत रावपाचें. आतां कळटलें तुका शुभू.

– हय आई, ह्या चार दिसांतच तांची उणीव जाणवता म्हाका. सुचिता, तूं चल्यां आवय. तुका कळपार ना ही धुवांचे आवयची व्यथा.

– हय बाये, खरें तुमचें. तातूंत तुज्यो दोनूय धुवो एकाच बरोबर घोवागेर गेल्यात.

– सुचिता बेगीन च्या पी. घर निवळ करया. मागीर वेळ असोच सरतलो.

पांच परतवणाक आयिल्लीं सोयरीं वतकच शुभलक्ष्मीची आवय आनी भयणय गेलीं. शोमा आनी सोहाक ताणें मुद्दम दवरून घेतिल्लीं.

शोमान आनी सोहान व्हड जायत साकून आवय-बापाय मदली तेढ पळोवन बऱ्योचश्यो जबाबदाऱ्यो आपल्या आंगार घेतिल्ल्यो. चड करून तांचें वखद विर्सत तींच पळयतालीं. सुजयाक हालींसराक रक्तदाबाचो बरोच त्रास जातालो. गोड्यामुताचो त्रास तर ताका केन्नाच्यान लागिल्लो. दोतोरागेर वचपाचो ताका

कंटाळो. पूण धुवो ताका पातयेनासल्यो. लग्नाचे गडबडेंत ताचें प्रेशर तपासून घेऊं नासलें. देखून आज तीं सुजयाक फोर्सान दोतोरागेर घेवन गेल्लीं.

सुजय वयान तसो चड जाण्टो न्हय. पूण दुयेंसान आनी ताच्या वेंसनान ताका जामसो केल्लो. हॉलांत बशिल्लेकडेन शुभलक्ष्मीचें मन आतांच्या आनी पयलींच्या सुजयाची तुळा करूं लागलें.

"....तेन्नाचो ताचो झेतच वेगळो आसलो. आपली जुवानी हळशिकावण्या वेंसनांत बुडयली आनी आतां म्हजे लागीं लागीं जाता. पूण ... ना.. आतां हांव तें पयलींचें शुभलक्ष्मी उरूंक ना. मोगाचें पिशेंच लागिल्लें म्हाका... मोगान कुड्डें जाल्लें म्हळ्यार जाता. ताचो परिणाम म्हजी जीण इबाडून भोगलो हांवें... कलियुगांत हातार फळ म्हणटात... तेंच मेळ्ळें म्हाका... म्हजेच चुकीची ख्यास्त भोगतां हांव... सगळ्यांनी सगळेतरेन समजायल्लें म्हाका... पूण कान आसून भेरें जाल्लें हांव, दोळे आसून कुड्डें जाल्लें.... म्हूण म्हजे पांयार हांवेंच फातर घालून घेतलो... आतां हांवें निश्चेव केला तशेंच वागप, ना... फाटीं सरचें ना हांव... ह्या काळ्या पिड्डुकांचें वजें आनी आनी सोंसचें ना हांव... सवायशीण आसून विधवेची जीण जियेलें... भुरग्यांक सांवळेंत दवरतलें म्हणून वोताच्या हुलपांत हुलपत रावलें.... आतां म्हजीं बायुलां आपल्या घरा पावलीं.... आतां म्हजेखातीर जगूं जाय म्हाका.

विचारांच्या हुलपा वांगडा दोळ्यांतल्यान केन्ना दुकां गळूंक लागलीं ताका कळ्ळेंच ना. ताणें दोळे पुसले. तेवीस वर्सां फाटल्यो घडणुको ताच्या दोळ्या मुखावयल्यान घुवूंक लागल्यो.

लग्न जावन वर्सभर सुजयान शुभलक्ष्मीक फुलांत दवरिल्लें. ऑफिसांतल्यान सरळ घरा येतालो. ताका वांगडा घेवन खंय खंय फिरोवन हाडटालो.

शुभलक्ष्मी उमेदीन इश्टिणींक सांगतालें,

"पळयलें, हांवें सांगू नासलें तुमकां, लग्न जातकच सुजयाक हांव बदलतलें म्हूण. लग्नापयलीं थोडे दादले कशेय वागतात. पूण तांकां प्रेमाच्या पाशांत बांदून दवरप बायल मनशेकडेन आसता. तांची नदर दुसरे कडेन खंयच वचची ना हाची जतनाय तिणें घेऊं जाय."

हींच उतरां ताणें बापायक आनी ताका विरोध केल्ल्या सगळ्यांक सांगलीं. भावान मात रागानच ताका म्हळें,

"शुभू इतलें बेगीन फुरफूरनाका. निकतोच भट न्हावंक गेला. मागीर उलय."

लग्नाक सात आठ म्हयने जातासर शुभलक्ष्मी गुरवार जालें. सुजय आनी शुभलक्ष्मी खोश्येन फुल्लीं. सुजय ताका फुलावरीं सांबाळटालो. पांचव्या म्हयन्याच्या चेकपा वेळार दोतोरान तांकां सांगलें, "जुवळीं भुरगीं आसात, मातशें सांबाळून राव. चड तकालस घेवूं नाका."

दोतोराची सांगणी आयकून शुभलक्ष्मीचे आवयन ताका आपल्यागेर व्हरपाचें थारायलें. सुजयान खोश्येन ताका व्हरून पावयलें. आतऱ्या-पयऱ्यान तो ताका मेळूंक मावोड्या येतालो. आठव्या म्हयन्याची पंद्रस वतनाच - शुभलक्ष्मीचें ऑपरेसांव करचें पडलें. ताका दोन सोबीत चलयो जाल्यो.

शुभलक्ष्मीच्या बापायन म्हयन्या उपरांत हॉलांत व्हरून व्हडा थाटांत बारसो केलो. सुजयानंच दोगांकय नांवां दवरलीं - शोमा आनी सोहा.

शोमा, सोहाच्या वावरांत शुभलक्ष्मी घुस्पून गेलें. आतां सुजयाचेर ताचें लक्ष नासलें. तो सदचे वरीं चलयांक मेळून येता, फोन करता हाची शुभलक्ष्मीक जाणीव नासली. शुभलक्ष्मीच्या भावाचें सुदीनाचें मात सुजयाचेर बारीक लक्ष आसलें. शुभलक्ष्मीक कुळारा पावयतकच रोखडेंच ताचें पावल पयलींच्या रस्त्यार पडिल्लें. काळ्या हारशांच्या गाडयेंत चलयांक घेवन फिरतालो. ती गाडी वर वर आड रस्त्यार उबी आशिल्ली दिसताली. जायते जाण ती गाडी वळखताले. लोकांचीं उलोवणी सुदिनाच्या कानार येतालीं.

भयण बाळंत जावंची आसा, जुंवळीं भुरगीं आशिल्ल्यान भयणीची स्थिती नाजूक आसा म्हणून सुदीन तोंड धांपून राविल्लो. व्हडले भयणीच्या घोवानय जायत्यो गजाली आयकल्ल्यो. शुभलक्ष्मी बाळंत जाल्या उपरांत तांणी ताका ताच्या फ्लॅटार वचून बरोच तापयलो. सुजय वोगी रावलो ना. ताणें उरफाटे तांचेकडेन झगडीं केलीं आनी सांगलें, "हांव जो आसां तसोच आसा. तुजे भयणीक सगळें खबर आसून तें लग्न जालां. ताका जाय जाल्यार ताणें म्हगेर येवपाचें ना जाल्यार म्हज्या धुवांक म्हजेकडेन दिवन सुशेगाद कुळारा रावपाचें. तुमी अजून आयकूना जाल्यार सांगतां, म्हजो आनीक एक फ्लॅट आसा. थंय कितें कितें करतात तें पळयतले जाल्यार शेनवार आनी आयताराक येयात."

सुजयाचीं निर्लज्जपणां पळोवन सुदीन आनी ताचो भावजी परतले. सुजयान ते दिसाच्यान मावड्यां येवपाचें बंद केलें. हळूहळू शुभलक्ष्मीच्या कानार सगळ्यो

गजाली गेल्यो. तरीय ताचो घोवावेलो मोग मात्तय कमी जालो ना. ताका खात्रेन दिसतालें, "हांव घरांत नाशिल्ल्यान तो असो वागता. हांव येतकीच तो परत पयलींवरी जातलो."

दुसरे दिसा ताणें सुजयाक रडूरडूनच फोन केलो, चलयांचो सोपूत घालो आनी आपल्याक मेळपाक आपयलो. सुजय आयलो. बायलेच्या कुडींत वचून चलयांक खेळयत बसलो. दिस्तच ते दीस सुदीन घरा आशिल्लो. सुदीनान ताका थोमणे मारपाक सुरवात केली. ते बरोबर सुजय चाळवलो. ताणें शुभलक्ष्मीचेर तापय काडली. सुदीन ताचीच वाट पळयतालो. ताणें भितर येवन सुजयाचेर दोन थापटां फुलयलीं. दोगांकय आडायतासर घरांतल्यांक नाका पुरो जालें. परत मावोडेचें सपण हुंपचो ना म्हण सांगून सुजय गेलो.

हेच संदीचो लाव घेवन सगळ्यांनी शुभलक्ष्मीक परत सुजयागेर वचूं नाका म्हणून आडायलें. तरेतरेन समजायलें. पूण शुभलक्ष्मीन सुजयाचेर मनापासून मोग केल्लो. "फाटलें वर्सभर तो म्हजेकडेन प्रामाणीकपणान राविल्लो, म्हज्या मोगान ताका हांव सुदारतलें. ताचे भायले छंद सोडपाक लायतलें." ह्या विश्वासान ताणें कोण्णाचें उलोवणें कानामनार घेनासतना दुसरेच दीस दोगांय धुवांक घेवन सुजयागेर आयलें.

पूण सुजयान मावोडेच्या लोकांवांगडा शुभलक्ष्मीचेंय नांव सोडिल्लें. बायलेकडेन एक उतर उलयनासतना धुवांची अपुरबाय करून उठून गेलो. आठ दीस तो फ्लॅटार आयलो ना. णव्या दिसा ताणें येवन पळयलें शुभलक्ष्मी धुवांसकट फ्लॅटारच आशिल्लें. त्याय दिसा धुवांक खेळोवन मेजार पयशे दवरून तो गेलो.

आतां चार-पांच दिसांनी येतालो धुवांची अर्थ-अपुरबाय करतालो. तांकां खेळणीं कपडे हाडटालो. शुभलक्ष्मीकडेन तो डाव्या दोळ्यान लेगीत पळयनासलो. आपल्या धुवांची वावराडी कशी ताका समजतालो. पूण शुभलक्ष्मी ताचेकडेन उलयतालें. धुवांच्यो अपुरबायो सांगतालें. तांचे डोस, तांकां कितें जाय नाका तें हक्कान सांगून करून घेतालें.

'सुजयाक आपूण निवळायतलें' हो हावेस मात ताचो शेणून गेल्लो. आपली हार ताका दोळ्यांमुखार दिसताली. पूण ताका सोडून कुळारा वचया अशें ताका मात्तय दिसनासलें. तें फोनार आवयक धुवांची अपुरबाय सांगतालें तितलेंच.

धुवेच्या खेदान ताच्या बापायक हार्ट अॅटक आयलो. तातूंतच ताचो प्राण

गेलो. मरचे पयलीं ताणें धुवेक एक फ्लॅट घेवन दवरिल्लो. बँकेंत पयशेय दवरल्ले. पूण शुभलक्ष्मी त्या पयशांक हात लायनासलें. घोवाच्या फ्लॅटांत दोगांय धुवांच्या सांगातान एकसुरी जीण जगतालें.

धुवांचे गोडीन सुजय त्या फ्लॅटांत येता. धुवांक जाय तें सगळें दिता हातूंतच शुभलक्ष्मीन समादान मानून घेतिल्लें. सुरवेक ताका आपल्याक घोव आसून एकसुरी जीण जगची पडटा हाची खंत जाताली. मागीर मागीर घोवाले एक एक किस्से आयकून ताका ताचो सामको वीट आयलो. पूण आपल्या धुवांक तो मनापासून मोग करता म्हणून तें सगळें दूख सोंसून वोग्गी रावतालें. शोमा, सोहाक बापायचे सावळेंतल्यान पयस व्हरचें ना असो निश्चेव ताणें केल्लो खरो, तरी तेच बरोबर बापायचें दुसरें रूप तांकां कळूं नये हाची तें जतनाय घेतालें.

दिशीमाशी वाडपी धुवांचे अर्थ अपुरबाये मुखार ताणें आपलें दूख्ख कडेक सारिल्लें. मनाचो घुस्मट तांच्या हांशांत विसरपाचो यत्न करतालें.

शोमा आनी सोहा व्हड जातकीर तांकां आवय बापायमदीं आशिल्ली तेढ कळिल्ली. पूण दोगांय उलोवन दाखयनासलीं. हट्ट करून बापायक आपल्या फ्लॅटार दवरून घेतालीं. आवय बापायक एकठांय हाडपाचो यत्न करतालीं. पूण शुभलक्ष्मीक आतां कसलीच वान्सा उरूंक नासली. सुजयाविशीं मात्तय ओड नासली.

सुजयाक ताच्या वेंसनान जाम केल्लो. ताचें आरोग्य आतां बरें उरनासलें. धुवांचें निमित्त करून तो तांच्या फ्लॅटार चड रावतालो. शुभलक्ष्मीकडेन उलोवपाचोय यत्न करतालो. पूण शुभलक्ष्मीन आपले भोंवतणी घाल्ली वंय घट्ट आंवळून घेतिल्ली. दोगांय धुवांचें लग्न जायसर हो घुस्मटमार सोसूं जाय अशें म्हणून तें आपल्या मनाक थातारतालें.

‘‘चला, आतां म्हज्या बायुलांचीं लग्नांय जालीं. दोगांयच्याय घरच्यांनी कोर्ट मॅरेज करपाचें मानून घेवन म्हजेर व्हड उपकार केलो. रिसेप्शनूय म्हज्या मनाप्रमाण बरें दबाज्यान जालें. आतां म्हज्या मना प्रमाणे जगूंक हांव मेकळें...’’

‘‘मम्मा, हें कितें काळखांत शी बसल्या? चल उठ.’’ निकतेंच घरांत भितर सरिल्ल्या शोमान ताका हाताक धरून उठयलें तितल्यांत सोहान सगळ्यो लायटी पेटयल्यो आनी हॉलांत येवन म्हळें.

‘‘मम्मा, भूक लागल्या. बेगीन वाड.’’

“मातशीं रावात. जेवण गरम करतां आनी वाडटां तुमकां.”

जेवण जातकच शोमा, सोहा आनी सुजय उगडे गॅलरींत चान्न्यांत कदेलां घेवन बशिल्लीं. शुभलक्ष्मी रांदचे कुडींत झाकपाक करतालें.

– मम्मी, जाले ना पोशेवन. यो आतां.

– आगे चान्न्यांत बसून गजाली करया म्हणून रावल्यांत न्ही आमी. यो आतां.

– आगो कितें बोवाळ तुमचो? व्हंकलो तुमी. पयलीं वरी खळखळ करपाचें सोडात आतां.

– मम्मा, आज आमी आमच्या घरा आयल्यांत.

– बाय शोमा, आतां हें तुमचें कुळार घर न्हय.

– मम्मा कुळार म्हणून आमकां पयस करूं नाका हां. हें आमचें पयलें घर, आनी तें दुसरें घर.

– बरें बाये चुकलें, आतां कितें उलोवं जाय तें सांगात बेगीन. मागीर म्हाकाय कितें सांगपाचें आसा.

– मम्मा पयलीं एक सांग, वदळच्यान तुज्या गळ्यांत मंगळसूत्र दिसूं ना म्हाका.

– काडून दवरलां हांवें.

– कितें? तूं मात लेगीत मंगळसूत्र पातयेनासली मगे? आनी आतां काडून दवरलें?

सोहान अजापान विचारलें. ओंठांतलें सिगार हातांत घेवन सुजय अजापान ताका पळोवंक लागलो. शुभलक्ष्मीन थंडपणान म्हळें.

– आगो काळ्या पिड्डुकांचें ओजें पेलना जालें म्हणून काडून दवरलें.

– कितें मम्मा कोड्यांत शी उलयता?

– ना गो बायूल. हांव सरळ उतरांनी उलयलां.

– मम्मा तुका मंगळसुत्रांतल्या काळ्या पिड्डुकांची कितली आवड.

– हय, आशिल्ली आवड. पूण ताका अर्थ आसल्यार. म्हज्या मंगळसुत्रांतलो अर्थ केन्ना सोंपिल्लो. तुमकां अर्दें अदीक खबर आसा. तुमचे खातीर तुमचें सगळें सुरळीत जावंचें म्हणून काळ्या पिड्डुकांचो भार हांव सोंसत रावलें. आतां तुमचें

लग्न जालें, तुमी बरी शिर्वीस करतात. आपल्या पांयार उबीं आसात, सुखान रावात.

– म्हणजे मम्मा तूं....?

– तुवें कितें थारायलां?

भिवूनच दोगांयनीय विचारलें.

– भिव नाकात. हांवें कांयच वायट येवजूना. आवय–बापायचे मोगाचे सावळेंत भुरग्यांचें जिवीत बरे तरेन वाडटा, फुलता. म्हणून इतलो अपमान सोंसून, इतले त्रास काडून ह्या भरिल्ल्या घरांत एकसुरी जीण जगत रावलें, घुस्मटत रावलें. पूण ह्या घुस्मटाक तुमच्या मोगाचें सूख आसलें. पूण आतां मात हें सगळें सोसूंक जायना.

आज पयलेच खेप सुजय हातांतलें सिगार पालवलें तरी ताची पर्वा करिनासतना शुभलक्ष्मीक पळयतालो. शुभलक्ष्मी खिणभर थांबलें. ते बरोबर दोगांय धुवांनी म्हळें,

– मम्मा, तूं दुसरें लग्न बी...''

– शी, शी, शी. ह्या एका लग्नान म्हजें जिणेंच काबार केलें. आतां आनी कसलींच बंधनां नाकात. तुमकां खबर आसा न्हय म्हज्या बाबान म्हाका फ्लॅट घेवन दिल्लो.

– हय जाणांत आमी. तूं मदीं मदीं वचून निवळ करता तो.

– आनी ह्या दिसांनी दोन बायलांक रावंक दिलां न्हय तुवें थंय मम्मा. तूंय थंय....

– हय हांव आतां थंयच रावतलें. म्हज्या सारख्योच भरिल्ल्या घरांत एकसुरी जीण जगपी एकसुऱ्यो बायलो त्यो. अशाच आनी पांच स बायलांक घेवन हांवें थंय रावपाचें थारायलां. आमी एकामेकांक आदार दीत, आमकां जमता तो उद्योग करून मुखावेली जीण मेकळ्या मतनान सारपाची थारायल्या.

– पूण मम्मा आमी थारायल्लें, तुका आनी पप्पाक हे जाण्टे पिरायेर फाटल्यो गजाली विसरून एकठांय रावपाक लायतलीं म्हणून....

– पप्पा आतां आतरे पयऱ्यान बरो नासता, तुकाय रक्तदाबाचो त्रास आसा. तुंमकां सांबाळपाक आमी कांय नासतलीं. तुमीच एकामेकाक सांबाळपाचें. पूण....

– आमी पप्पाक तयार करून दवरिल्लो मम्मा आनी तुजी मान्यताय घेवपा

पासत...

– तुमचो नवो संवसार सुरू करून दिवन आमच्या संवसारांत वचपाचें थारायल्लें आमी. पूण....

– आवय, आवय म्हजीं धाकटुलीं पिलां येदो विचार करपा इतलीं व्हड जालीं. काय कऱ्यांचें उदक माथ्यार पडटकच तुमी जाण्टुलीं जालीं.

– मम्मा, फकाणां करूं नाका गे, आमी खऱ्यांनीच ...

– पुरो बायुलांनो पुरो हां, म्हजो विचार आतां कोणच बदलूंक शकचीं ना. ज्या वयार म्हाका तुमच्या पप्पाचो आदार जाय आसलो तेन्ना हांवें एकसुरी जीण सारली आनी आतां म्हाका आदार? ना गो बायुलांनो, आतां हांव मनान खूब घट जालां. ह्या जगांत एकट्यान रावप आतां म्हाका कठीण न्हय. पूण सगळींच बायलां म्हजे सारकीं मनान घट नासतात. अशे परिस्थितींत एक तर तीं जीव दितात, पिशांतूर जातात, ना जाल्यार तांकां नेर्वांचें दुयेंस तरी जाता. अशा बायलांक मानसीक घटाय दिवन तांची जगपाची उमेद वाडोवपापासत हांव अस्तुरी निकेतन सुरू करतां.

– मम्मा, मम्मा आमकां माफ कर. तुजे वांगडा रावनय आमी तुका समजूंक शकलीं ना. म्हणून परत बंधनांत बांदूंक सोदतालीं.

दोगांय धुवांनी आवयक वेंग माल्ली आनी घळघळीत रडूंक लागलीं.

पयलेच खेप सुजयाचेय दोळे भरून आयिल्ले. नवें सिगार पेटोवन गॅलरीच्या कठड्याक धरून झाडांतल्यान झिरपुवपी चान्याक तो पळयत रावलो.

♦♦♦

3.

# जोगम्मा

– यक्कय्या, जोगय्या, यल्लमाच्या नांवान जोगवा घाला गे वयनी.

शारदाम्मा, येतां हां येतां. कितें गे बरी नाशिल्ली न्हय तूं? तरी जोगवा मागपाक आयली?

– कितें करूं वयनी, तिच्या नांवान हें मूत (धव्या तांबड्या मणयांची माळ) गळ्यांत बांदून घेतली न्हूं, मागीर जोगवो मागचोच पडटा. आतांच्या भुरग्यांनी धरम सोडलो म्हूण आमच्यांनी सोडूं जाता? म्हाजी धूव चार बुकां शिकलां न्हू. व्हडली मॅडम जाल्या ती. आमचो धरम नाका तिका. आपल्या भुरग्यांकूय साळेंत घातल्यांत तिणें. तांकां यल्लमाक सोडची ना खूंय ती.

– शारदाम्मा तुळजाईचेर बरीच बेजार जाल्या मगे तूं. तिगेर रावन तिचो संवसार सांबाळटा. तरी तिचेर बेजार. कितें केलें तिणें.

– कितें केलें ना तें विचार. आमी जोगम्मा. तिकाय हांवें जोगम्मा केल्या. पूण जोगम्माचो धरम करना. शिकल्या न्हूं ती.

– आज तूं शिक्षणाचेरशी बेजार जाल्या? आज काल शिक्षण कितलें गरजेचें. सगळ्यांनी शिकचें म्हणून सरकार कितलो यत्न करता. आनी एक सांग गे तुवें शांताक्काक, तुळजाईक शाळेंत घाल्लीं. कितें वायट केलें तांणी. सय मारूंक येता तांकां, वाचूंक बरोवंक येता.

– कित उजेड घालो तुळजाईन पळयतां हांव. आतां आपले धुयेक बरी शिकोवन टिचर करतली खंय ती. आनी आमचो जोगम्माचो धरम कोण चलयतलो. हिणें केन्ना चलयलो ना. माथ्यार यल्लमाची टोकरी घेवन जोगवा मागलो ना.

जोगम्मानी यल्लमाचे जात्रेक सौंदत्तीक वचूंकच जायें. ही ना वचना वयनी.

– आयचीं भुरगीं तुमचेवरीं देवा धर्माचें बंधन माननात गे. ना म्हळ्यार तांच्या मनांत आयल्यार तीं हांगा थंय देवळांनी वचून येतलीं. तेंय मनांत भावार्थ घेवन काय एकटें वता म्हणून दुसरें वता देवाकच खबर.

– हय वयनी. आसूं तें. आतां आमची यल्लमाची जात्रा येतली न्हूं. त्या वेळार सौंदत्ती वचूंक जाय म्हाका. पोरूं वर्सा हांव बरी नासली. पयशे जमोवंक मेळ्ळे ना. आनी तुळजाईन पयशे दिवपाक किटकिट केली. वयनी देवी पासत पयशांक किटकीट केन्नाच करूं जायना. देवी सोडना तेका. तुळजाईक ॲक्सीडेंट जावन पंदरा दीस उल्ली घरांत धंदो करिनासतना. देवीच्या दर्शनाक वचूंक जे पयशे जाय आसले ताच्या दोन पटीन पयशे गेले. भोग म्हटलें हांवें तेका.

– शी, शारदाम्मा तुजे धुवेकूच तूं खेपता?

– कितें करूं वयनी. ही धूव वैरीण जावन माज्या पोटांत आयल्या. ह्या वर्सा हांवें पयलींच ठरवलां चार घरांनी कामां करून पयशे जमोवन हांव वयतलें. तिचें कडेन ना मागचें. वयनी तुवें फाटली सामानाची खोली निवळ करपाक आपयल्ली न्हूं. चार घरांनी जोगवा मागून जालो. तुमचें पांचवें घर. मागीर तुजें काम करतां. माज्यान जाता तशी करतां हां वयनी दोन दीस लागूं ना तर तीन दीस.

– कर कर तुज्यान जाता तशें कर. म्हजें काम जातकीर जालें. आनी यल्लमाचे जात्रेक वतना म्हजोय एक नमस्कार सांग विसरनासतना. ना जाल्यार आमचेर आनी रागार जायत ती.

– वयनी, फकाणां कर नाका. आमची देवी जागृत आसा. देवीचो कोप जालो तर रावपाचें ना. गांवचे गांव रोगराईन ना करून टाकता ती.

– आगे मनशांवरीं देवांकय राग रोस येता जाल्यार तांकां देव कित्याक म्हणप? शारदाम्मा, आज संवसार खंय पावला जाणां तूं? असल्या गजालींचेर आतांचीं भुरगीं विश्वास कशीं दवरतलीं? आसूं, तुजी श्रध्दा हांव दुखयना.

– आतांच्या भुरग्यांक श्रध्दा ना म्हणून नाका नाका आशिल्ले, उपाय नाशिल्ले रोगय वाडल्यात. आनी मनीस सुण्यामांजरावरीं मरता. आतां माजी थोरली धूव शांताक्का, ती बग, तिका जोगम्मा करून सोडली. अशी सेवेक सोडली काय तिच्यान कोणाबी दादल्यावांगडा रावूंक जाता.

– म्हळ्यार तिणें वेश्येचो धंदो..

– ना, ना वयनी. आमकां जोगम्माक वेसवा म्हणीनात. आमचो एक नेम आसता. खरें म्हळ्यार पयलींचे लोक गांवांत कोणा एकाच्याच नांवान मंगळसूत्र घालून रावतालीं. दुसऱ्या कोण्णाक लागीं घे नासलीं. कोणय बेवडो, फटींग, असो तसो मनीस आसल्यार लागीं घेवप नासतां. पूण आतांचे कांय लोक पयशांक लागून कसल्याय बी लोकांक लागीं घेतात. दिसाक दोन तीन लोकांक लेगीत लागीं करतात आनी आपल्या जिवाची वाट लावन घेतात.

– शांताक्का कितें करता तुजी?

– वयनी ती पांच – स साल एका वांगडा रावली. दोन लेकी एक लेक जालो तिका. आतां ती कितें करता तें माज्यान सांगू जायना तुका. पूण ती जोगम्माचो धरम निभायता. बरे भाशेन देवीचो जोगवा मागता. जात्रा चुकयना. दोगी लेकीक बी जोगम्मा करतली म्हणटा. इतलेंच पुरो म्हाका. तुळजाई भाशेन देव धरम सोडूना म्हणटकीच जालें. चल वयनी म्हाका रूम उगडून दी. हांव म्हाज्या कामाक लागतां.

शारदाम्माक तिच्या बाराव्या वर्सा न्हाण आयिल्लें. रोखडेंच तिचे आवयन बसव्वान एक बरोसो म्हूर्त पळोवन तिका जोगम्मा करपाचें थारायलें. सौदत्तीचे मुखेल जोगम्माक ती मेळ्ळी. तिणें मूर्त काडून दिलो आनी लग्नाची तयारी करपाक सांगलें. तशे बसव्वाकडेन चड पयशे नासले. तिणें थोडेभितर लग्न करपाचें थारायल्लें. पूण रितीप्रमाण लग्नावेळार लागता तो खर्च करूंकच जाय आसलो. गांवच्या एका सावकाराक शारदाम्मा वांगडा पयलीं रात सारपाक दिवपाचें उतर दिवन बसव्वान लग्नाच्या खर्चाक पयशे घेतले.

रिती प्रमाण बसव्वान पांच मंगळार आनी पांच सुक्रार जोगवा मागून मागीरच लग्नाचे तयारेक सुरवात केली.

लग्नाच्या दोन दीस पयलीं बसव्वान शेजारच्या बायलांक आपोवन धा कील चण्यादाळीचें गोडशें केलें. लग्नादीस सकाळीं फुडें सगळ्यांनी न्हावन स पांटल्यांत गोडशें, तांदूळ, जोंदळे, गंव, भाजी, पाचवी साडी–चोळी, पांचवीं कांकणां घालून सगळें तयार केलें. हे सगळे पांटले एके एके बायलेन घेतले, शारदाम्माक वांगडा घेवन तीं यल्लम्माच्या देवळांत गेलीं.

शारदाम्माक पांचवी साडी न्हेसयल्ली. पांचवो धारवाडी खणाचो ब्लावज, पांचवी कांकणां, अशी शारदाम्मा पांचवीच जाल्ली.

देवळांत एकेवटेन जोगम्मानी कांबळीची घडी करून दवरिल्ली, तिचे

भोंवतणी तांदूळ आनी हळदी पिठ्याची रांगोळी घाल्ली. तिच्या चारय कोनशांनी हळदिपिठो आनी सुकें खोबरें दवरिल्लें. ताचे मुखार व्हड कांबळ सोडून घाल्ली. तिचे भोंवतणीय तशीच रांगोळी घाल्ली. कांबळी मुखार सकल सामानान भरिल्लें स पांटले दवरले.

शारदाम्माक ते घडी केल्ले कांबळीर बसयली. मुखेल जोगम्मा सोडिल्ले कांबळीर मदीं बसली. पांचय जोगम्मा तिचे भोंवतणी एका एका पांटल्या म्हऱ्यांत बसल्यो. तांकां हळद, पिंजर लावन फुलां दिलीं आनी भरिल्ले पांटले दिवन तांचो भोवमान केलो.

जोगम्माचो भोवमान केले उपरांत मुखेल जोगम्मा उठली. तिणें शारदाम्माक हळद-कुकूम लायलो. माथेंभर फुलां माळ्ळीं. तिचे होटींत पान-सुपारी, हळदीकूट, खोबरें, लींबू घालून तिची होंट भरली. मागीर पांचय जोगम्मानी शारदाम्माची अशीच होंट भरली. तितले म्हणसर बाकीच्या बायलांनी गंवापिठाचीं निरंजना करून परातींत दवरून पेटयलीं. ती परात दोग जाणांनी धरून शारदाम्माच्या माथ्यार दवरली. मुखेल जोगम्मान तिच्या गळ्यांत यल्लमाचें मूत (तांबड्या धव्या मणयांची माळ) बांदलें.

अशे तरेन शारदाम्माचें लग्न जालें. शारदाम्मा जोगम्मा जाली. मागीर सगळ्यांक घरा आपोवन बसव्वान जेवण वाडलें.

गांवच्या ज्या सावकारान शारदाम्माच्या लग्नाचो अर्दवयर खर्च उबारिल्लो ताणें चार दिसांनी एका म्हुर्तार शारदाम्मा वांगडा पयली रात सारली. ताणें चांदीन गांठायल्लें मदीं भांगराचो मणी आशिल्लें मंगळसूत्र तिका घालें. दोन चार वर्सां शारदाम्माकडेन तो येतालो. तिका शांताक्का आनी तुळजाई अश्यो दोन चलयो जाल्यो. मागीर हळू हळू सावकाराचें येवप थांबलें.

सावकार येतालो तेन्ना शारदाम्माक कांयच कमी पडूं नासलें. पूण आतां चलयांक वाडोवपाक पयशांची गरज आसली. जोगवा मागून तांचो संवसार चलनासलो. कोणाय एकट्या वांगडा रावप तिका आतां शक्य नासलें. तिचो घराबो चलोवपा इतले गिरेस्त त्या गांवांत व्हडलेशे कोण नासले. शारदाम्मान दार सगळ्यांखातीर उक्तें केलें. तरीय तांचो गांव व्हडलोसो गिरेस्त नाशिल्ल्यान शारदाम्माक संवसार चलोवंक बरेच त्रास पडटाले.

तांचे गांवचे लोक कामा-धंद्या निमतान गोंयांत गेल्ले आनी थंयच स्थायीक

जाल्ले. सणा – परबां निमतान भरपूर सामान, कपडो–लत्तो घेवन गांवांत येताले. घसघशीत पयशे मोडटाले. तांचेकडल्यान गोंयच्यो खबरो आयकून सगळ्यांक दिसतालें, "आमीय गोंयांत वचून, काम धंदो करून पयसो जोडून हाडूं जाय. गांवांत एक बरें घर बांदू जाय. शेत, जमीन घेऊ जाय. गोठ्यांत गाय बैल जाय." मनांतल्या मनांत तांची वळेरी वाडत वताली. पूण एकदां गोंयांत गेल्ले लोक गांवघरा परतू नासले. गांवांत आशिल्ल्या लोकांक तांणी फकत पयसो धाडिल्लो.

जायत्या जाणांनी हाच्या ताच्या हाता–पांयां पडून मडगवां मोतीदोंगरार जागो मेळयल्लो. कांय जाणांनी मंत्र्यांच्या मनशांक धरून हावजींग बोर्डाचीं घरां मेळयल्लीं. थंय तांकां रात–दीस नळा उदक लायट सगळें मेळिल्लें. गांवघरा तांकां उदकापासत वळवळे काडचे पडटाले. हें सूख सोडून कोणच परत गांवघरा वचूंक तयार नासलो. गांवचे लोक तांचो हात धरून दोन पोटल्यो माथ्यार घेवन येवन हांगाचेच जावन रावताले.

शारदाम्मा म्हऱ्यांत असोच एक गोंयांत रावपी मनीस एक दीस आयिल्लो. ताच्या आदारान शारदाम्मा आपल्या धुवांक आनी आवयक घेवन गोंयांत येवन ताचे वांगडा हावजींग बोर्डांत रावूं लागलीं. वर्सभर ताचे वांगडा रावन तिणे आपले हात पांय पातळायले. तिणेंय एक घर मेळयलें.

हावजींग बोर्डांत आंगणवाडी, बालवाडी आनी सरकारी शाळा आसली. बाई येवन दोन अडेज वर्सांच्या भुरग्यांक घेवन वताली. थंय तांकां खाण, वखद सगळें मेळटालें.

शारदाम्मान शांताक्का आनी तुळजाईक बालवाडींत घालीं. थंयच्यानच तीं सरकारी शाळेंत वचूं लागलीं. शांताक्काक अभ्यासाची व्हडलीशी आवड नासली. सगळ्यांकच पास करपाच्या कायद्याक लागून शांताक्का चवथीमेरेन शिकलें. उपरांत ताणें शाळेंत वचपाचें सोडलें. अभ्यासापरस तिका नटपा–थटपाचीच चड आवड आसली, घरचें काम तें चड घोस्तान करतालें.

ताच्या उरफाटें तुळजाई. ताका अभ्यासाचो घोस्त. बाई वर्गांत नासल्यार तें वर्ग बेस बरो सांबाळटालें. तेन्ना बाई ताची तोखणाय करून म्हणटाली, "तुळजाई, तूं शिक्षिकाच जा. भुरग्यांक बरें शिकयतलें." बाईन अशें म्हणटकीच तुळजाई मुरगुट्टालें. आनी आपले इश्टीणींक म्हणटालें, "पळे हांव, हांव बाईचीं उतरां खरीं करतलें. हांव शाळेंत शिकयतलेंच."

पूण शारदाम्मान तिचें सपन तोडलें. ताका सवी मेरेन शाळेंत दवरलां म्हणून पयलींच शारदाम्माचीं सोयरीं धायरीं तिका उलयतालीं. तातूंत आनी आनी शिकप म्हळ्यार सोयरीं तिका समाजा भायर घालत म्हूण हुस्को दिसतालो. ते भायर तुळजाई आतां बायल जावपा आसलें. मागीर ताका जोगम्मा करूं जाय हाचोय तिका हुस्को आसलो. शांताक्काक तिणें दोन वर्सां पयलीं सौदत्तीक व्हरून जोगम्मा केल्ली आनी मडगांवां येवन जोगवा मागूंक लावन सगळ्यांक जेवण घाल्लें.

शाळेंतलें काडलें म्हणून म्हयनोभर तुळजाईन बोवाळ घालो. मागीर आवयच्या हटामुखार ताका वोगी रावंचेंच पडलें. तांचे आशीकुशीक आतां तांच्या गांवांतले जायते जाण रावंक आयिल्ले. तरेकवार धंदो करून पोट भरताले. तांतलीं कांय जाणां नुस्तें विकपाचो धंदो करतालीं. तुळजाईची इश्टीण गौराय नुस्तें विकूंक वताली. ताच्या वांगडा तें नुस्तें विकूंक वचूं लागलें.

थंय तुळजाईची वळख मेंगलोर लागसारच्यान आयिल्ल्या शिवा नुस्तेकाराकडेन जाली. तांची वळख मोगांत बदल्ली. पूण शारदाम्माक ताचो मोग मात्तय मान्य नासलो. तें नुस्तें विकूंक वता म्हणून पयलींच ती फडफडटाली. तिणें ताका पयलीं समजावपाचो यत्न केलो. पूण तुळजाईन थारायलें, ''शाळे वेळार केलां तशें आतां आयकून घेवचें ना... ना म्हणजे ना....'' शारदाम्मानय थारायल्लें, ''हा मोग फोग आमी लोकांनी ना करूचा. आमी यल्लम्माचे सेवेकरी, आमचें लगीन यल्लम्मा पाशींच जाऊं जाय. आमी जोगम्माच जाऊचीं.''

शारदाम्मान आपलो हट खरो केलो, तुळजाईक मारून, धपटून, भेश्टोवन पळयलें तरी तें आयकना म्हणटकीर जीव दिवपाची धमकी दिली. तेन्ना उपाय नासून तुळजाई सौंदत्ती गेलें. ताणें तांच्या धर्माप्रमाण लग्न करून जोगम्मा जालें. गोंयांत येतकीर चार दीस जोगवा मागलो. आवयन शेजाऱ्यांक जेवण घालून ताका जोगम्मा केल्ल्याचें कळयलें.

मागीर मात आवयक कांयच सांगनासतना ताणें शिवावांगडा पळून वचून तांचे रितीप्रमाण लग्न केलें. यल्लम्माचें मूत गळ्यांतलें काडून दवरलें.

शारदाम्माक खूब्ब राग आयलो. शिवाक ताका ती खेपत रावताली. स सात म्हयने तुळजाई शिवावांगडा मोतीदोंगरार तांचे खोपींत वचून रावलें. पूण तुळजाई गुरवार म्हणून कळटकीर शारदाम्मान राग विसरून आपल्यागेर हाडलें. ताचे तिनय बाळंटेर तिणे काडले. नातरांक ती मायेन वाडयता पूण संद मेळटा तेन्ना तुळजाईचेर

राग काडटा. तुळजाई जोगम्माचीं कितेंच कामां करनासली. ना जोगवा मागताली ना तिचे जात्रेक वताली.

फाल्गून म्हयन्यांत रेणुका देवी म्हळ्यार यल्लम्मा विधवा जाता. त्या म्हयन्यांत सगळ्या जोगम्मांनी कपलाक कुकूप लावप नासता, फुलां माळप ना, कांकणां घालप ना, मूत आनी मंगळसूत्र आसल्यार तेंय काडून दवरप, दादल्यांकडेन संबंध दवरप ना. अशें म्हयनोभर ताणी विधवेचें जिणें जगप आसता. मागीर तिचे जात्रे वेळार सवायशिणीचो भेस करप आसता. हांतलें कितेंच तुळजाई करनासलें. म्हणून शारदाम्मा तिचेर चड बेजार जाताली.

तुळजाईन तिनय भुरग्यांक शाळेंत घालीं तेन्ना शारदाम्मान व्हड झगडीं केलीं. ‘‘हे साळेन तुजी वाट लायली तुवें आमचो धरम बुडयलो. यल्लम्मा सोडचीना तुका. पाडा घालतली तुजें.’’

शारदाम्मा आतां जाण्टी जाल्या. धुवेच्या संवसारांत आपलें कांयच चलना हें ती बरेभशेन जाणां. चार घरांनी वावर करून चार पयशे जोडटा. दर सुक्रार आनी मंगळार पांटल्यांत देवीची मूर्त दवरून जोगवा मागता, आनी यल्लम्माचें रीण पावयता. मनापासून तिका हात जोडून मागता, ‘‘देवी यल्लम्मा आमचो धरम तुळजाईन बुडयलो. माफ कर गे आई तिका माफ कर.’’

आतांय दोनय हात जोडून तिणें यल्लम्माक नमस्कार केलो. तेन्नाच वयनीन म्हळें,

‘‘शारदाम्मा काळोख जायत आयलो, थांबय आतां काम. यो इल्लो चा घे.’’

♦♦♦

# 4.

# पिसाय

– विभा, हो मेकप कीट फॉरेन काय कितें गो?

– रिम्मी, हें कितें उलोवप तुजें? मस्कत साकून तो आयलां. ताच्यो सगळ्यो वस्तू फॉरेनच आसतल्यो.

– विभा कितेंय सांग तूं. आमचे भितर तुवेंच पयलीं चान्स मारलो.

– हय आं विभा, तूं बरें झेत मारतालें मगो, आपल्या पांयार उबे जाल्याशिवाय लग्न जावंचें ना म्हण.

– कितें प्रतिक्षा, तूं आनी कितें उलयता? पयलीं तशेंच म्हणप आसता. एकदां ताचेर नदर पडली काय सगळें विसरप.

– ये विभा, तूं मोठें चॅप्टर हां इतले दीस तुवें आमकां हनिमुनाक खंय वतलें तें सांगूना. आज मात म्हाका खबर ना म्हळ्यार वोगी रावंची ना आमी.

– आज कित्याक खबर ना म्हणटलें तर तें. पयर बरीं फिरपाक गेल्लीं तीं. सांगलांच आसतलें ताका नितीनान.

आंगभर खोश्येचो शिरशिरो घेवन मुमुरख्या तोंडान विभा इश्टिणींचीं फकाणां आयकतालें. हांसत हांसत ताणें म्हळें, "बायांनो, तुमी खरे समजात ना जाल्यार फट समजात, पयर हांवें ताका विचारिल्लें. पूण ताणें सांगलां तें सरप्राजय खंय."

– आवयस्, बरो आसा मगो नितीन. सांबाळून गो विभा, तुका दोन पानां करत.

– आमचें विभा कितें कम्यांचें तर. तें वोगी रावपा ना.

– विभा, मांय बरी कडक म्हणून आयकल्या. घोवाक पयलीं मुठींत घे.

मागीर मांयचो भंय ना तुका.

– विभा, हनीमुनाक वचून येतकच थंय कितें कितें केलें तें सांगू जाय हां आमकां. ना जाल्यार वोगी रावपार ना आमी.

कानामेरेन तांबडें तांबडें जावन विभान म्हळें, "वोगी राव गो."

– आगो चलयांनो मेथी घालून जालीना. चलात सकयल येयात आतां चा घेवपाक.

लग्नाचो दीस उदेलो तो गडबडेंतच. विभाक कितेंच येवजूंक कोणेंच वेळ दिलोना. भटाच्या तालार नाचत सगळो दीस सोंपलो. घरभरवणी जावन घरा येतकर शालू सोडून सू करून बसतलें म्हणून विभा चिंततालें पूण तागेरय गडबडच आसली.

रातची विभाची नितीनाकडल्यान दाव्या हातान व्होंट भरून घेतली आनी तांकां सजयल्ल्या कुडींत दवरून सगळीं भायर गेलीं. तेन्ना विभान सुस्कारो सोडलो. पूण रोखडेंच मुखावेलें चित्र दोळ्यांमुखार येवन ताचें तोंड मुमुरखें जालें. ताच्या आंगभर खोशयेचीं ल्हारां फुल्लीं. बाथरूमांत वचून तें मॅक्सी घालून आयलें. पळे जाल्यार नितीन खाटीर आड पडिल्लो. थंयच्यानच नितीनान म्हळें,

"विभा, लायट बंद कर, खूब पुरो जालां आनी रातचें जागरणय आसा. न्हिदूंक दिलें ना तांणी काल. चल न्हिदया आतां.

अजापान विभान लायट बंद केली. म्हऱ्यांत बसप ना, उलोवप ना. तशी आमची अजून सारकी वळखय जावूं ना. पयर एक दीस फिरपाक गेल्लीं तितलीं. थंय हांवच उलयतालें. फोट्यार पळोवन लग्न थारायलां. पळोवपाच्या निमतान लेगीत मेळप जावूंना. ताच्या मनाक हुरहुरशी लागली. खिणांत फुलांच्या तुऱ्यांतलो गुलाबाच्या फुलांचो कांटो कच्च करून तोंपिल्लेवरी ताका दिसलें. दुसऱ्याच खिणाक ताणें आपल्याक सावरून घेतलें. हे कसले नाका आशिल्ले विचार म्हज्या मनांत येतात... तशें म्हाकाय खूब पुरो जालां. तरीय कितेंय तरी उलोवंक जाय आसलो. आसूं, लग्नांत लोकांकडेन बरेभशेन उलयला. म्हजेकडेन मात उलोवं ना. आतां खऱ्यांनीच पुरो जालां आसतलें.

मनांतले विचार फाफडून तें खाटेचे कडेक न्हिदलें.

फुडले दोन दीस तांचे सामकेच गडबडेंत गेले. देवाक वचप, पांच परतवण, तातूंत सोयरीं. सगळीच गडबड. नितीनाकडेन तशी ताची लागच्यान वळख जालीच ना.

हनिमुनाक बेंगलोराक वचूंक तीं विमानांत बसलीं आनी विभान व्हड सुस्कारो

सोडलो. विमानांतल्यान दिसपी चित्रांतलें कशे दिसपी इल्ले इल्ले दोंगर घरां पळोवन विभाचें मन ल्हव जालें. तें पयलेच खेप विमानांत बशिल्लें. ताका सगळ्याचेंच अजाप. तें नितीनाकडेन कितें कितें उलयतालें. तो मात जितल्याक तितलेंच उलयतालो. विभा मात आपले खोशेंत गूंग आसलें. केन्ना बेंगलोरच्या विमानतळार पावलें तें ताका कळ्ळेंच ना.

रातचीं भायर जेवन तीं हॉटेलांतल्या आपल्या कुडींत आयलीं. नितीन सिगार ओडूंक गॅलरींत वचून उबो रावलो. विभान कपडे बदल्ले आनी सपनांचे कळे फुलपाची वाट पळयत धडधडट्या काळजान खाटीर बसलें. पूण ताच्या सपनांचो कळो फुलचे पयलींच नितीनान किचमिलो. एका वादळाभशेन तो आयलो आनी विभाक असंख्य यातना दिवन खर्शेत खर्शेत पेल्यान न्हिदलो. विभाचो भंयाचो कडकडो अजूनय थांबूं नासलो. दुकां दोळ्यांतच सुकिल्लीं. मनांतलो हुंडको ओंठाआड घट्ट चिड्डून तें भंयान नितीनाक पळयतालें. इतलो शांतपणान उलोवपी, थंडसो दिसपी नितीन वदोळ असो सांवार आयिल्लेवरी कसो वागलो?

ज्या सुखाचे कल्पनेन ताणें चिंत्रां रंगयल्लीं, ताच्या आंगार खोश्येचो शिरशिरो फुलतालो, तें सूख, दुख्ख जावन ताच्या वांट्याक आयिल्लें. पयलेच रातीं हळुवार पणान ताका फुलोवप, मोगाच्यो खबरी उलोवप, कांयच ना, फकत सांवार आयिल्ले वरी तीन खेप ताणें ताका भोगिल्लें. विभाक दिसलें, ''घडये पुरो जाल्ल्यान हो पेल्यान सरला जातलो.... ना जाल्यार आनी कितले खेप असो बलात्कार करतलो आसलो कोण जाणां....'' हय, बलात्कारच... म्हज्या मनाची, कुडीची पर्वा करनासतना....'' भंयान परतून एकदां ताचें आंग थरथरलें. नितीनाची ताका किळस कशी आयली.

विभाची न्हीद खंयचे खंय पळून गेल्ली. आंगाचो कुडको कुडको दुखतालो. दांता पोंदा चिड्डून धरिल्ल्यान ओंठांतल्यान रगत येतालें. आतां ताका आपलोच वीट सो आयलो. तें लकत - पडत बाथरूमांत गेलें. ताचो सकयलो भाग भगभगतालो. ताणें थंय थंड उदक माल्लें, ते बरोबर ताका मिचमीच पडले. तशेंच तें कशेंबशें न्हालें. गरम उदकान न्हातकर ताका मातशें बरें दिसलें. परत ते खाटीर ताका न्हिदन दिसलें ना. तें सोफार आड पडलें.

हनीमुनाचे सयी दीस विभाक नाका शेवट जालो. नितीन लागीं आयल्यारच ताचें आंग आंवळून शें येतालें. मागीर नितीन फडफडटालो आनी म्हणटालो,

– तूं बायलमनीस न्ही. ह्या वेळार बायलो कश्यो फुलून घोवाक साथ दितात. तूं थंड लाकडा कुडको.

अशें कितें कितें उलयत जबरदस्तीन आपलें काम सादतालो. विभाक एकेवटेन कुडीचे वळवळे आनी दुसरेवटेन मानसीक त्रास जाताले. ह्या त्रासांनी ताका जोर आयलो. पूण नितीनान ताका सोडलें ना.

ताच्या इश्टीणींनी ताका खंय खंय वचात, कितें कितें पळयात ताची वळेरी दिल्ली. पूण खंय वतलें म्हळ्यार ताचो कमर धरून सकयल्लो भाग उसळटालो. जेवपाक खावपाक वतना खंयी लागींच फिरतालीं. जेवंक वतना खोश्येन फुलिल्लीं जोडपीं ताका दिसतालीं आनी अजाप जातालें.

... हांकां म्हजेवरी त्रास बी जायनात काय? ... काय नितीन म्हणटा तसो म्हाकाच कितेंय दोशी बी आसा? ... हीं जोडपीं पळे कशीं हांसतात खिदळटात, फिरपाक वतात... म्हाकाच अशे त्रास कित्याक काय... तांचेय घोव नितीना भशेनूच वागतात, काय होच असो विकृतसो ... कांयच आयकून घेना म्हजें....

देड म्हयनो घरा रावन नितीन परत मस्कत गेलो. विभान मेकळो श्वास घेतलो. पूण ताका रोखडेच दीस गेले.

मांयन ताका तांच्या कुटुंबीक दोतोरागेर व्हेलें. पूण विभाक दोतोर म्हऱ्यांत येतनाच कडकडो भरलो. दादल्यांविशीं ताच्या मनांत एके तरेचो भंय रिगिल्लो. ताची स्थिती पळोवन दोतोरान ताका बायल दोतोराकडल्यान तपासपाक लायलें. ताचे मांयक ताचे हे नखरे कशे दिसले. तिणें वाटेर ताका खूब कचकचायलें. "दादलो दोतोरान तपासल्यार असो थरथरो येता? काय आमकां दाखोवपाक हे नखरे. आंकवारपणांत कितें थेर केल्यात म्हणून कोण जाणां, म्हणून भंय दिसता आसतलो दादल्यांचो. घोवाक बरो सहन केलो मूं?"

विभान मनांतल्यान म्हळें, "तुज्या पुतानच म्हजी ही स्थिती केल्या. वाट लायल्या म्हजी म्हणून दादले म्हळे काय भंय दिसता."

आपूण गुरवार म्हणून कळटकच विभाक तशी व्हडली खोस जालीना. ताणें घोव आसतना देड म्हयनो सोंशिल्ले त्रास ताची कूड आनी मन आजुनूय विसरूंक तयार नासले. एके तरेचो वीट, एकेतरेचो भंय हाणें ताचें मन आक्रसून गेल्लें. म्हणून गुरवारपणाची ताका मात्तूय उमेद जावूं नासली. कोणेंय फकाणां केल्यार तें

वयलेवयर हांशिल्लेवरीं करतालें ना जाल्यार लजपाचें नाटक करून तकली सकयल घालून रावतालें.

आतां मांयन ताका आपलें रूप दाखोवंक सुरू केल्लें. तातूंत गुरवारपणाचो त्रास. ताका खंयचेच वटेन सूख नासलें. तातूंत ताका एकच सुशेग दिसतालो, आनी दोन वर्सां तरी नितीन गोंयांत येवंचो नासलो.

तें गुरवार म्हणून तिणें ताची कसलीच अर्थ अपुरबाय केलीना. 'आपूण बरीना, घरांतलीं कसलींच कामां आपल्याच्यान जायना' अशें निमित्त करून ताका कुळाराय धाडलें ना. नज हें नीब धरून ती कदेलार चडशी बसून रावताली. गुरवारपणाच्या त्रासाक लागून ताचेकडेन कामां सडसडीत जाय नासलीं. मागीर मांय ताका अबरगत, म्हस म्हणून नांवां दवरून आयिल्ल्या दिसा कचकचायताली.

हे परिस्थितींत विभा पिशांतूर कशें जालें. मनाचो तोल गेल्लेवरी वागूं लागलें. मांयन ताका पिसाय म्हणून नांव दवरलें. वाडोभर लोकांकय तिणें आपली सून पिसाय म्हणून सांगिल्लें. हेंच निमित्त घेवन आयिल्ले वेळार विभाचे आवयक उणीं दुणीं उतरां दितालीं. ताची आवय मुकाट्यांनी दुकां गळयत घरा वतालीं.

अशे स्थितींत् विभा बाळंत जावन चलो जालो. आतां ताची मांय खोशी जाली. पूण विभाविशीं तिचें वांकडे मत मात्तय कमी जावूं नासलें. पयलेंच भुरगें जाल्ल्यान विभाक ताचें सगळें करूंक जम नासलें. तेंच निमित्त धरून मांय नातवाक सुनेकडेन पातये नासली. फकत दुदापुरतो दिताली. कोणेंय कितेंय म्हळ्यार म्हणटाली, "तें पिसाय, म्हज्या अपुरबायेच्या नातवाक मारून सुध्दा उडयत."

विभाच्या आवयन विभाक आनी नातवाक हॉस्पीटलांतल्यान भायलेभायर आपल्यागेर व्हरतां म्हणून सांगिल्लें. पूण विभाचे मांयन हॉस्पीटलाचें बील तिका भरपाक लायलें, आनी म्हळें, "तुजे धुवेक जाय जाल्यार व्हर, म्हज्या वंशाच्या दिव्याक हांव तुमगेर पातयेवचिना. तुजी धूव पयलीं पिसाय. कितेंय केल्यार म्हज्या नातवाक!"

दुदावेल्या चल्याक सोडून विभा कशें आवयगेर वतलें? मन मारून तें घरा रावलें. नातवाचो बारसो जायसर विभाची आवय तांगेर तोंड धापून रावली. त्या उपरांत मात तिणें केन्नाच विभागेर पांय दवरलो ना. विभाक कुळार तुटलें. मनाचे उतळताप सांगपाक ताका जागो उल्लो ना.

बाळंटेरान अशक्त जाल्ल्या विभाच्यान कांयच सोसूंक जाय नासलें. तें

बुळ्बुळू करून रडत रावतालें. तांच्या शेजारच्या फ्लॅटांत एक गुजराती कुटूंब रावतालें. तांच्यो रांदचेकुडीच्यो गॅलरी लागीं लागीं आशिल्ल्यो. विभा गॅलरींत बसून जायते फावटी रडटालें. ताची मांय लागीं नासल्यार मणीबेन ताका फुसलायताली, धीर दिताली. थंयच तांची इश्टागत जुळ्ळी. सांजचें विभा चल्याक घेवन तेर्रसार बसतालें. थंय मणीबेन आपल्या भुरग्यांक घेवन येताली. विभा मेकळेपणान आपलें दुख्ख तिका सांगतालें. ताच्या मनाक तितलीच थाकाय मेळटाली.

तिच्या आदारान विभा मातशें मनान घट जालें. मांय मात ताका तशीच छळटाली. पिसाय म्हणूनच उलो करताली. नातवाक लेगीत तिणें विभाक 'पिसाय' म्हणपाक शिकयल्लें. ताणें 'पिशाय' म्हणटकीर मात ताका खूब वायट दिसतालें. अशा वेळार तें मणीबेनीचे खांदार तकली दवरून रडटालें. ती ताका थातारताली. तिच्या धिरार तें दीस काडटालें.

तेन्नाच एक दीस नितीनाचो फोन आयलो. तो मस्तकच्यान शिर्वीस सोडून गोंयांत येतालो. पूत गोंयांतच रावंक येता म्हणून कळटकीर आवय बापायचीं तोंडां खोश्येन फुल्लीं. विभाचें मात तोंड पडलें.

लग्न जावन देड म्हयनो ताणें भोगिल्ले त्रास ताचें मन, कूड कशीच विसरूंक तयार नासली. दिसाक तीन चार वेळा लेगीत सांवार आयिल्लेवरीं नितीनान ताका पिसडून म्हणटात तशें भोगिल्लें. ती याद जाल्यार लेगीत ताचे कुडीचो कणान कण थरथरतालो. भंयाचो कांटो ताच्या आंगभर फुलतालो. टी.व्हीर लेगीत दादलो-बायल एकठांय येवपी दृश्य पळयल्यार भंयाचो कांटो आंगार फुलतालो आनी ताका किळस येताली.

आतां नितीन घरा येता म्हणटनाच तें सगळें येवजून पिशांतूर कशें जालें. कामां करूंक गेल्यार ताच्या हातांतलीं आयदनांच पडटालीं. मीठ घालचे जाग्यार साकर घालतालें, च्यांत मिरसांगेपिठो घालतालें. ते बरोबर मांयन ताका येतिश्ठ तापोवंचें. पूण खरी गजाल तें मांयक सांगूंक शकनासलें. मणीबेनीक मात ताणें सगळी गजाल सांगली आनी म्हळें, "जीव दिल्यारच हांव सुटटलें ह्या त्रासांतल्यान. हीं दोगांय राक्षसां म्हाका जगूंक दिवंचीं नांत."

मणीबेनीन ताका फुसलायलें. चल्याचो सपूत घालून जीव दिवपाची भास परत उलोवंचें ना म्हणून उतर घेतलें. आनी घरा धाडलें. पूण तिच्या मनात मात दुसरोच विचार घोळूं लागलो. भयणीकडेन सारकें उलोवनच तिणें विभाक सांगपाचें

थारायलें.

त्या दिसा विभाचे मांयन विभाक, ताच्या कुळारच्यांक गरजेभायर गाळी घाल्ल्यो. "असली पिशी चली आमच्या गळ्याक बांदल्या, ते परस तिका बांयत कित्याक धुकलून उडयली ना." अशें लेगीत म्हळें. विभाक तें कशेंच सोंसना जालें आनी तें बुळूबुळू करून रडूंक लागलें. ह्या बोवाळांत ताचे मांडयेवेलो चलो जमनीर पडलो. ताचे मांयन दिस्तच पळयलें. मागीर घे, ती वोगी रावता. तिणें सोमत्योच ताच्यो केश्ट्यो धरल्यो आनी ताची तकली दोन तीन खेप वण्टीक आपटीली. रगताची धार व्हावंक लागतकच तिणें केंस सोडले.

विभा रडरडत धांवत मणीबेनीगेर गेलें. तिणें ताका वखद लायलें म्हणून मांयन तिका लेगीत उणीं दुणीं उतरां दिलीं. मणीबेनीन परत जाप काडली ना. पूण मनांतल्या मनांत तिणें एक निश्चेव केलो.

मणीबेनीची आदोगाद भयण एका महिला आश्रमाची संचालिका आशिल्ली. विभा असल्या बायलांच्या प्रस्नापासत ती वावुरताली. मणीबेनीन जायते वेळा विभाक ही खबर सांगिल्ली. पूण चल्याक सोडून वचूंक विभाचें मन तयार जाय नासलें.

पूण आयचो प्रसंग पळोवन विभान मांयचोय धसको घेतलो. वेळाप्रसंगार ती आपल्याक मारून उडयत असो भंय ताच्या मनान घेतलो. ताणें मणीबेनचे पांय धरले आनी 'आपल्याक तुजे भयणी म्हऱ्यांत मुंबय कशेंय करून धाड' म्हणून काकुळटेक आयलें.

मणीबेन पयलीं भयणीकडेन सगळें उलयली. तांणी सगळो बेत जुळोवन हाडलो. चार साडयो घेवन विभा मुंबय गेलें. मणी काडून दवरूंक तें विसरलें ना.

तें गेलें म्हणून कळटकीर मांयन ताका सोदपाचो यत्न केलोच ना. वयल्यान तिणें ताच्या चारित्र्याचो दुबाव घेतलो आनी तें कोणाचो तरी हात धरून पळून गेलें अशी फाम घाली. पूण तेन्नाच ताणें आवयक पत्र धाडून 'आपूण बरें आसा, आपल्याक सोदपाचो यत्न करूं नाकात' म्हणून कळयलें.

आश्रमांत येवन विभाक आतां विशेक वर्सां जायत आयिल्लीं. ताची मुळची हुशारकाय ताका आश्रमांत उपकारा आयिल्ली. तें सगळ्यांचें दिदी जाल्लें. वासंतीबेनीचो उजवो हात जावन तें काम करतालें. तें बरें उलोवपी म्हणून ताका

नामना मेळिल्ली. दुखी कश्टी बायलांक तें काळजाथावन आदार करतालें. तांचीं दुकां पुसून तांकां आपल्या पांयार उबीं रावंक बळगें दितालें.

मुंबयभर ताका वेगवेगळ्यो बायलांच्यो संस्था उलोवंक आपयताल्यो. पयलीं पयलीं ताका धीर दिवपाक वासंतीबेन वताली. पूण तिच्या कामाच्या व्यापामुखार तिका विभाबरोबर सदांच वचूंक मेळनासलें. पूण तिणें विभाक नवो जल्म दिल्लो. ताच्या पांयांक थीर उबें रावपाचें बळगें दिल्लें. आनी विभा फाटल्यान वळून पळयनासतना फुडें वचत आसलें.

मुंबयच्या भायर लेगीत तें वतालें. फकत गोंयच्यान आमंत्रण आयल्यार मात घेयनासलें. ह्या वीस वर्सांत ताणें गोंयांत पांय दवरूं नासलो. दवरपाची ताची इत्साय नासली. पूण आज तें गोंयांत वचूंक गाडयेंत बशिल्लें. ताका कारणय तशेंच जाल्लें.

त्या दिसा वासंतीबेनच्या खास इश्टीणीन तिका, तांचे संस्थेच्या पन्नासाव्या वर्धापन दिसा निमतान दवरिल्ल्या कार्यावळींत उलोवंक आपयल्लें. त्याच वेळार वासंतीबेनाक दुसरेकडेन काम आशिल्ल्यान तिणें मुद्दाम विभाक धाडिल्लें. मणीबेनय ते संस्थेची वांगडी आसली. तिणेंय ताका गोंयां येवपाचो आग्रो केल्लो आनी म्हणिल्लें, ‘‘विभा, गोंयची पिसाय मुंबय वचून कशी शाणी जाल्या तें गोंयकारांक कळूंदी तरी.’’

तेच पासत आज विभा गोंयांत आयिल्लें. एके वटेन मायेचीं मनशां मेळटलीं म्हणून ताका खोस जाल्ली, दुसरे वटेन पुताचे यादीन ताचो जीव आकूळ पिकूळ जाल्लो. इतल्यांत गाडी करमळे स्टेशनांत भितर सरली. विचारांचीं जळमटां फाफडून विभा बॅग हातांत घेवन उबें रावलें.

♦♦♦

5.

# बायेचें लग्न

– हें पळे, बाय जालां.

– बाया जालां. दी हांगा दी. बाबा देख मुन्नी तुम्हारी बहन.

– मुबारक हो शौकत बेटा, चाँद जैसी बेटी हुयी तुम्हें ।

– शौकत भाय, अब निकालो हजार रूपया, बेटी हुयी तो हजार रूपयेकी मिठायी बाँटनेकी शर्त लगायी थी ।

– हाँ भाई, बाँटंगे मिठायी । पहले मुन्नी को तो देखूं ।

शौकत भाईन चलयेक घेवन ताच्या माथ्यार हळूच ओंठ तेंकोवन पापी घेतली. इल्लेशे दोळे उगडून तें बिटी बिटी करून पळयतालें. शौकतभाईन चलयेक नर्सीकडेन दिली.

शौकतभाईक पयले चार चले. ताका चलयांची ख़ूब आवड. तो स भयणींचो भाव. तागेर फाटोफाट चले जातकर सगळ्यांचीं तोंडां खोयेन फुलतालीं. पूण शौकतभाईचें तोंड मात पडटालें. तो बेजार जातालो. पूण आज ताची इत्सा पुराय जाल्ली. ताची उमेद पळोवन ताचे एके भयणीन बोंचो मुडिल्लो.

– शौकत इत्ता खूश हुआ हयी, उसे मालूम नहीं, बेटीके लिए कितनी तकलिफें उठानी पडती । मेरी तो चार बेटियाँ, मुझे तो अबसे उनके शादीकी पडी है ।

– हाँ गे, बेटे हुए तभी उसे इत्ती खुशी नहीं हुयी । एक पेढा भी नहीं बाँटा था। उसे मालूम नहीं, बेटे कमाकर घर भरते हैं, बेटी घर धोके ले जायेगी।

– चूप गे, क्या बोलती तुम्ही, ये आस्पीतल हयी । यहीं शुरू हो गयीं ।

शौकताचे व्हडले भयणीन तांकां तापयलीं.

– अगे मैं तो ...

– चूप, और कुछ नहीं। शौकत को खुशी हुयी, उसे चाहे वो करने दो । तुम्हारे पेट में क्यू दुखता हयी, तुम घर चलो, फातीमा और खुर्शीद अकेली खाना पकाती हयी, तुम्ही जाके उनका हाय बँटाओ।

व्हडल्या आपान दोगय भयणींक घरा धाडलीं.

शौकतभाईन बारशाचो दबाजो बरोच व्हड केल्लो. ताचें कुटूंब पयलींच व्हड. तातूंत सोयरीं – धायरीं, इश्ट परिवार. देडशें – दोनशीं लोक पार्टेक आयिल्ले. बारशा दिसाय कांय बायलो हळूच कुचकुचताल्यो.

– शौकतभाय बेटीको इत्ता चाहेते हैं। उन्हें मालूम नहीं, बेटी माँ – बापकी जान निकालती हैं निकाके समय।

एके बायलेन तर शौकतभाईकच विचारलें,

– अरे शौकतबेटा, अब तुझे बेटी हुयी हयी। शादीके वास्ते अबसेच पैसा जुटाना शुरू करो । ऐसी दावतां देके पयसा बरबाद मत कर।

– अरे चाचीजान, खुदाका दिया बहूत है। और भी देगा, इत्ते जल्दी बायके शादीकी क्यूं सोचूं? आज खावो पिओ मजा करो।

शौकतभाईन हांसून म्हळें आनी तो भायर गेलो.

चलयेचें नांव सिमरन दवरिल्लें, पूण सगळीं म्हणटालीं मुन्नी. मुन्नी सगळ्यांच्या अर्थ अपुरबायेंत न्हायत वाडटालें. चारय भावांक एक खेळणें मेळिल्लेवरीं जाल्लें. गोरी धवी सोबीत बावली कश्या सिमरनाची ते बरीच अपुरबाय करताले.

सिमरन जाल्लें तेन्ना शौकतभाईन इश्टाच्या भागीदारींत हॉटेल घाल्लें. तें बरेंच फायद्यांत चलतालें. सिमरन जायत पसून तांच्या घरांत पयसो घोळटालो. शौकतभाईक आनी ताचे बायलेक दिसतालें सिमरनाच्या पांयगुणाक लागून पयसो येता. ताचो पयलो वाडदीस तांणी मोठ्या थाटान साजरो केलो. चारय पुतांचे वाडदीस अशे केन्नाच करूं नासले.

मुन्नीक शाळेंत घालें. तें शिकूंक हुशार आसलें. ताचे भाव कशेबशे पास जाताले. तें मात सदांच पयलें येतालें. मागीर शौकतभाईचें हड्डें फुलून येतालें. तो अभिमानान सगळ्यांक सांगतालो – "देखा मेरी मुन्नी कितनी होशियार है। मैं उसे बहूत पढाऊंगा । डाक्टर बननारी मेरी बेटी।"

घोवान अशें म्हणटकच फातूच्यांय आंगार मूठ भर मांस चडटालें. तिणें

म्हणचें, "हाँ जी, हम उसे बहूत पढायेंगे ।"

तांचें उलोवप घरांतल्या जाण्टेल्यांक मात्तय आवड नासलें. मांयंन तर सुनेक म्हणचें,

– क्या गे, बेटीको पढातेच रखोगी, शादी नहीं करोगी. दसवी तक पढी तो बस । तब तक वो पंद्रह सोलह सालकी होगी । सोलहवेमें शादी बनानरी मैं उसकी, क्या? मेरी पोती हयी वो ।

आवयचें उलोवप आयकून शौकतभाई म्हणटालो,

– अरे बुढ्ढी, सोलहवे में शादी बनानेका तुम्हारा टेम गया । आज जल्दी शादी बनायी तो कानून पिछे पडेगा । मैं पढानारा मुन्नीको। डाक्टर बनाऊँगा मैं उसे।

सिमरनाचो व्हडलो भाव खालीद दोन वर्सां झरझरून कशे तरेन धावी पास जालो आनी प्लंबीगाचो कॉर्स करून तो त्याच कामाक लागलो. दुसको शकील. ताका अभ्यासा परस जेवण खाण करपाची चड आवड आसली. तो बापायवांगडा हॉटेलांत काम करूंक खोश्येन वतालो. पूण शाळेंत वतना ताची रड पडटाली. तिसरो इनूस. ताकाय अभ्यासापरस पदां म्हणप, नाचप असलीच आवड आसली. णवी मेरेन शिकून तो सिनेमांत काम करूंक मुंबय वतां म्हणून सांगून इश्टांवांगडा मुंबय गेल्लो. वर्सांतल्यान दोन तीन फावट गोंयांत येवन, झेत मारतालो. सिनेमांत कशीं कामां करतां, खंय ऑर्केस्ट्रांत कामां करतां अशें सगळ्यांक सांगतालो. वतना मात आवयकडच्यान हळूच पयशे घेवन वतालो. धाकलो शब्बीर आनी सिमरन शिकतालीं.

हालींसराक हॉटेलाच्या धंद्यांत सर्त वाडिल्ली. शौकतभाईच्या हॉटेलाच्या आशिकुशीक आनीकय हॉटेलां जाल्लीं. धंदो वाडोवपाक आनी तातूंत तग धरपाक उदकाभशेन पयशे घालचे पडटाले. तातूंत भागीदार जायत्यो किटकिटी करतालो. ह्या टॅन्शनांत हालीं शौकतभाईचें प्रेशर वाडटालें. ताका सारकें हॉटेलांत वचूंक मेळ नासलें. शकील वतालो. पूण ताका हिशेबांतल्यो गजाली कळनासल्यो. हाचो फायदो भागीदारान घेतलो. शौकतभाईक अळंग पेल्यान काडून हॉटेल आपल्या हातांत घेतलें.

हें कळनाफुडें शौकतभाईक अ‍ॅटॅक येवन तो गेलो.

अचकीतच फातुचेर मळब कोसळिल्लेवरी जालें. घोवाले कसलेच वेव्हार

ताका खबर नासले. बायलेक केन्नाच ताणें वेव्हाराची खबर सांगूं नासली. शौकतभाईन हाडून दिल्लें सामान रांदप, आयिल्ल्या गेल्ल्या सोयऱ्यां - धायऱ्यांची उठ बस करप हातूंतच फातू मग्न आशिल्लें. आतां मात तिचेर आकांत आयलो. शौकतभाईन व्हडल्या पुताचें लग्न करून सावडर्या बिराड करून दिल्लें. ताणें आपली वाट वेगळी केल्ली. बापूय वतकीर येवन धा-पंदरा दीस रावन तीं गेलीं.

लावन पुसून संवसार करपाची फातूक केन्नाच संवय नासली. आतां संवसार चलोवंक ताका त्रास जातालो. तातूंत इनुसाचें पयशे मागप चालूच आसलें. फातू बेजारून गेलें. सिमरन ताका थातारतालें. मानसीक बळगें दितालें. ह्याच बोवाळांत तें धावेक डिस्टींग्शनांत पास जालें. ताका विज्ञान शाखेंत प्रवेश मेळ्ळो. आतां खर्चाचें प्रमाण आनीकय वाडलें.

शब्बीर कॉलेज करूनय एका कपड्या दुकानांत अर्द वेळ काम करतालो. शब्बीराचे थोडे पयशे आनी शकीलाचे पयशे मेळून फातूक म्हयन्याचो खर्च ओडून ताणून पावयतासर नाका पुरो जातालें.

दीस कशे तरी वताले. सिमरन बारावेकय बऱ्या मार्कांनी पास जालें. तेन्ना मात आवयन ताका स्पश्ट सांगलें, "देख बेटा, तुम्हे डाक्टर बनानेकी हमारी बहूत इच्छा थी पर अब..."

आवयचें वाक्य सोंपचे पयलींच सिमरनान म्हळें,

- अम्मी, तुम डरो नही । मैं जानती, डाक्टरी पढने का खर्चा आपसे नहीं होनार । पर मैं नर्स बननारी, नर्स माने आधी डाक्टरच । तूं बुरा मत मान, हां अम्मी । आवयच्या निमतान सिमरनान आपल्याय मनाक समजायलें.

सिमरनाचो प्रस्न सुटतकर फातूक मातशें सूं जालें. आतां सिमरनाक मागूंक न्हवरेकार येताले. सिमरन दिसतालें सुंदर आनी सभावानय समजीकायेचें आसलें. हें जाणां आसलीं सोयरींच चड येतालीं. पूण फातू भायलेभायर तांकां नकार दितालें. मागीर सोयरीं फातूचेर बेजार जातालीं. पूण फातू जाणां आसलें. शिकप पुराय जावंचेपयलीं आपलें चली लग्नाक तयार जावंचें ना. ताचीय तशीच इत्सा आसली.

हालींसराक मात फातूक चलयेच्या लग्नाचो हुस्को जातालो. बायेच्या लग्नाक जाय म्हणून शौकतभाईन थोड्यो एफ.डी. करून दवरिल्ल्यो. थोडें भांगरय करून दवरिल्लें. ताच्या शिक्षणावेळारय ताणें तें काडूं नासलें. ताच्या लग्नाचीं सपनां तें केन्नाच्यान पळयतालें. पूण हालीं हालीं खालीद आनी इनूस ताका खूब बेजार

करताले. खालीदागेर फाटोफाट तीन भुरगीं जाल्लीं. ताची जोड तांच्या संवसाराक पावनासली. तो आवयकडेन झगडून झगडून पयशे मागतालो. इनूसाच्योय मागण्यो वाडिल्ल्यो. तो फोनावयल्यान लेगीत आवयक बुरश्यो बुरश्यो गाळी घालतालो.

एक दीस तर खालीद आवयक मारूंक लेगीत आयलो. शौकतभाईन फातूच्या नांवार एक दोन एफ.डी. करून दवरिल्ल्यो. जायत्यो अडचणी आयल्यार लेगीत ताणें त्या पयशांक हाल लावूं नासलो. सिमरनाच्या लग्नाक जाय म्हणून ताणें त्यो दवरल्यात हें खालीदाक खबर आसलें. त्या दिसा ताणें आवयक धमकावन सांगलें,

– हमी यहाँ मरते हयी, और तुम्हें बायकी शादीकी पडी । वो पयसा देती की नहीं बोल, नहीं तो हम जहर खाके मरना रे ।

त्या दिसा दिस्तच सिमरन घरा आशिल्लें. ताच्यान भावांचीं किजीलां कशींच सोंसपाक जायनासलीं. शिवाय हालींसराक ताच्या मनांत लग्नासंबंधी वेगळेच विचार घोळटाले, तांची एक टिचर तांकां जायत्या वेळार सांगताली,

– नर्सींग म्हळ्यार फकत पयशे मेळोवपाचें साधन म्हणून पळयनासतना लोकांची सेवा बरे तरेन करपा विशीं पयलीं चिंतात. दुयेंत म्हळ्यार तुमचो सोयरो समजून ताची मायेन सेवा करात. आनी कितल्योय अडचणी आयल्यो तरी हें शिकप पोंदा घालनाकात. ही शिर्वीस करत रावात.

टिचरीची ही सांगणी आयकत पसून सिमरनाच्या मनांत येतालें.. आमच्या लोकांक पयलीं चलयांनी इतलें शिकप मानना... तातूंत म्हजी ही शिफ्टीची नोकरी जातली. लग्न जातकच म्हाका करूंक दितले नोकरी... तांणी घरा बसयलें जाल्यार... इतलें शिकप म्हजें... ते परस लग्नच जालें ना जाल्यार... पूण अम्मी... तिका कोण समजायतलो... ती तर म्हज्या शादीचें केन्नाच्यान सपन पळयता... पूण म्हजें शिकप....

अशाच विचारांनी हालीं तें घुस्पतालें. तातूंत भावान आवयक दिल्ले धमकेन ताका खूब वायट दिसलें. ताणें आवयक ताका पयशे दिवंक लायलें. फातूच्या भांगराकय अशेच पांय फुटले. गळ्यांत एक सरपळी सोडून बाकीचें भांगर विकून ताणें खालीदाच्यो आनी इनुसाच्यो गरजो भागयल्यो. दर वेळार तांणी आवयक भयणीच्या लग्नाक आदार करतले म्हणून उतर दिल्लें. हें सगळें पळोवपी शाकीलाकय दिसूंक लागलें. आवय जर तांकां अशे पयशे दिता जाल्यार आपणेय शिर्वीस सोडून धंदो करचो.

ताणें झगडीं करचे परस आवयक चार पानां लायलीं. ''आपलो धंदो बरो कसो चलतलो. मागीर बायेचें लग्न व्हड्ल्या थाटान करून दिवया. ताच्या लग्नापासत तूं काय भिवनाका. फायदो जालो काय बायच्या नांवान बँकेंत पयशे भरता, बायची एफ.डी मोडून आतां म्हजी गरज भागय.'' त्या दोगांय पुतांपरस फातू शकीलाच्या उतरांक बेगीन फसलें. ताणें ताका पयशे दिले. पूण एकय पयसो ताणें केन्ना फातूकय दिलो ना आनी सिमरनाच्या नांवान बँकेंतय घालोना. शकीलाचो धंदो बरो चलपाक लागतकर रोखडेंच ताणें आपले आपणेच लग्न थारायलें. तो आतां बायलेक घालपाक चार दिसांपुरतें भयणीचें भांगर मागूं लागलो. पूण हे खेपे फातू वोगी रावलें ना. ताणेंय बरींच झगडीं केलीं. शकीलान आवयचेर हात उबाल्लो. तेन्ना मात सिमरनाच्यान रावंक जालें ना. ताणें आवयक ताका भांगर दिवंक लायलें आनी मनांतच थारायलें, ''शिकप पुराय जातकर आवयक घेवन वेगळेंच रावतलें. मारकुट्या भावां म्हऱ्यांत आवयक कशीच दवरचें ना.... लग्नाचो विचार तर ... आसूंच तें आतां... पयलीं अम्मीक हांच्या तोंडांतल्यान सोडोवंक जाय...'' लग्न ना करपाच्या ताच्या विचाराक आनी एक गांठ बसली.

सिमरनाचें शिकप पुराय जावन तें कामाक लागिल्लें. तेन्नाच फातूच्या बापोलभावान सिमरनाक आपल्या चल्यापासत मागणी घाली. तो सिमरनाचें शिकप पुराय जावपाची वाटच पळयतालो. आतां फातू खूश जालें. कशेयतरेन ताका जाता तितलें बेगीन बायेचें लग्न करूंक जाय आसलें. ताचीं वर्सां वाडत गेल्यार मागीर लग्न जुळपाक कुस्तार जातलें, हाचोच ताका हुस्को जाल्लो.

नात्यांतलोच चलो जाल्ल्यान पळोवपाचो, उलोवपाचो प्रस्न नासलो. मुंबय साकून चलो आयलो काय सोमतीच मुदी करप अशें फातून आनी ताच्या भावान थारायलें. फातून खालीदाक आपोवन हाडलो. तिगय चले एक जातकच ताणें सिमरनाच्या लग्नाची खबर सांगली.

खालीदान पयल्यान पयलीं हात वयर काडले. ''अम्मी इस वखत मुझे कुछ नहीं बोल। तूं जानतीच है मेरे बच्चोंकी बिमारी, पढाई, हमारे खानेके भी वांद्ये होते हयी।''

– अरे, पर उसके पयसे लेते समय तूं क्या बोला था? सब भूल गया?

– नहीं नहीं कुछ भुला नहीं । पर अब मेरे हाथ में कुछ पयसा नहीं तो मै क्या करूं? बादमें कभी लौटाऊंगा तुम्हारे पयसे।

– पर अब अँगुठीको पयसा कहाँसे लाऊँ?

तिणें शकीलाकडेन पळयलें. शकीलान तर सिमरनाचें सगळें भांगर व्हेल्लें. आवयन कितेंय विचारचे पयलींच शकीलान आनी ताचे बायलेन व्हडा व्हडान गाळी फस्ती घालपाक सुरवात केली. फातूक आपल्या चल्यांचो संताप आयलो.

इनूसान तर दोन म्हयने पयलींच फातून इल्ले लेगीत पयशे ना म्हणिल्लें म्हणून तिका फोनार गाळी घालून सांगिल्लें. ''तुजो एक चलो मेलो समज. आयच्यान तुजें म्हजें नातें सोंपलें.'' आनी खऱ्यांनीच फाटले दोन म्हयने ताणें फोन करूंक नासलो.

फातूचेर आकांत आयलो. जांच्या भरवंशाचेर आपणे इतलो तेंप बायेच्या लग्नाक सांबाळून दवरिल्लो पयसो व्हगडायलो त्या नालायकांनी हात वयर काडिल्ले. शब्बीराकडेन तोंड फाफुडपाचो मार्गच नासलो. तो कितें थोडें जोडटालो तें घरांतल्या नित्याच्या खर्चाक पावयतासर मारामार जाताली. तिडकी भरशीं फातून सांगलें,

''अच्छा तो अब मैं ये घरपर लोन लेती हूँ और बायकी शादी बनाती। बादमे फारीक करो तुम्ही। नहीं तो जाने दो घर। तुम्ही देखो दुसरा बिराड कहीं। आवयचें उलोवप आयकून शकीलान हांसून म्हळें,

– घरपे तो मैने पयलेच लोन निकाला हय । तूं और क्या लेनारी।

– क्या, घर मेरे नाम हयी, तुझे कौन देनारा इसपे।

– उस दिन तुमनेच सायन करी, भूल गयी।

– क्या क्या? क्या बोला तूं कमिने, उस दिन इनके हॉटेलके पेपर बोला तूं, थोडा पयसा मिलेंगा करके सायन लिया मुझसे?

– घर पे लोन लेता बोला तो क्या तूं सायन देती?

शकीलाचें वाक्य पुराय जावंचें पयलींच खालीद आनी शब्बीर ताचेर झुडून गेले. तेवटेन तांचीं झगडीं पेटलीं आनी हेवटेन फातूच्या मनाचो तोल गेलो. दोळे घुंवडायत, व्हडान तें आड्डलें,

– मेरा घर कौन बेचता देखती मैं । उसकी जान लेनारी । ये घर मेरा हयी । ये बेचके मैं बायकी शादी बनानारी, आं, देखती हू कौन रोकता मुझे । मेरे बायकी शादी बनानी हयी, समझे हरामखोरों, बायकी शादी बनानी हयी।

बडबडटां बडबडटां फातू कोसळ्ळें. भितरल्यान धांवून आयिल्ल्या सिमरनान

आवयक वेंगेंत घेतलें आनी रडरडतच म्हळें,

– अम्मी, आँखे खोल, आँखे खोल अम्मी, मुझे शादी नहीं करनी, खाने दो भाईयोंको पैसा, सोना, घर । तूं मेरे साथ मेरे बिराडमें रहेगी, आँखे खोल अम्मी, आँखे खोल।

♦♦♦

6.

# कांट्यांतली वाट

**आई** ऽऽ शाळेन या, आ ऽऽ ई शाळेन या.

– हां हां या शाळेंत. चल तुजें बॅग खांदाक लाय. उदकाची बाटली घे. म्हजें, बाबाचें जोतें भायर काड.

– बाबा, गाडी ऽ का ऽऽ ड, बाबा गा ऽ ऽ डी का ऽ ड, का ऽड, जोतें घा ऽ ल, घा ऽ ल.

– चल बायू, घालें जोतें हांवें. हात दी. चल या.

– आ ऽ ई, आ ऽई, दुरवा बाबा वऽता.

– चलात आं, चलात, येता हांव. डिपांतलें नुस्तें सकयल काडून दवरतां. ना जाल्यार मागीर घट्ट जाल्लें नुस्तें तळूंक येना.

उषान हुमणा तोपा पोंदचो गॅस बंद केलो. दावल भितर दवरून ताचेर वेळणी धांपली. वाळणेवेलो शिता तोप उदारो केलो, ताचें भाणशिरें सोडयलें आनी बॅसिनाचेर दवरलें, दाय भितर घालून आनी एक वेळणी काडून शिताचो तोप धांपलो. बेगिबेगीन टिफीनाचें बॅग घेवन तें भायर आयलें. दार ओडून घेतलें. ग्रील्स धांपले आनी कुलप लायलें. तितलेस्सर दुर्वा गाडयेचो हॉर्न वाजयत आसलें आनी तोंडान 'आ ऽई बेगी ऽ न, शाळा वे ऽ ळ जाता.' म्हणत आसलें.

संतोशान उषाक आनी दुर्वाक शाळेंत सोडलीं आनी तो ऑफिसांत वचूंक गेलो.

दुर्वाच्या हाताक धरून उषान ताका हळू हळू वर्गांत हाडून बसयलें. आपले बॅग, उदकाची बाटली जाग्यार दवरून दुर्वा उठलें, "आ ऽ ई पारथना या ऽ या."

– या, या अजून बॅल जावूं ना.

इतले म्हणसर जया आनी उम्मी धांवून आयलीं.

– दुर्वा प्रार्थनेक या मगो, दुर्वाचे आई आमी धरतात ताच्या हाताक, तूं चल.

दोगांयनीय दोनय वटेन ताच्या हाताक धरून ताका प्रार्थना घरांत व्हरूं लागलीं. दुर्वा झेलत, कुटत कशें तांच्या वांगडा चलपाक लागलें. उषा तांकां पळयत थोडो वेळ थंयच उबें रावलें.

भुरगीं हेवटेन तेवटेन धांवतालीं. कोण पडटालीं. कोण दुसऱ्याक धुकलून मुखार वतालीं. प्रार्थनेच्या वळींत मुखार रावपाक सगळींच धांवत वतालीं. ते गर्देंत दुर्वाक इश्टीणी वांगडा सोडपाक उषाचें मन तयार नासलें. पयलें तें ताका प्रार्थनेच्या वळींत व्हरून उबें करतालें ना जाल्यार आयाच्या हातांत दितालें. पूण आतां दुर्वाक आवयन भितर आयिल्लें आवडनासलें, ताका लज दिसताली. ताणें आपल्या इश्टिणींक, आपल्याक प्रार्थनेक व्हरात हाडात म्हणून सांगिल्लें. तींय उमेदीन ताका हाताक धरून हाडटालीं परत वर्गांत व्हरतालीं. संडासांत व्हरपा वेळार मात उषाकच येवंचें पडटालें.

उषाचो वावर ताच्या इश्टिणींनी कमी केल्लो. मनांतल्यान तांची तोखणाय करीत भायले गॅलरींत घाल्ल्या बांकार तें येवन बसलें. थंय आनीकय पालक आशिल्ले. उषान थोडो वेळ तांचेकडेन गजाली केल्यो. तितलेसर प्रार्थना सोंपून भुरगीं वळीन वर्गांत वचूं लागलीं. दुसरेची वळ येतना उषा उबें रावलें. दुर्वाक दोनय वटेच्यान दोन इश्टिणी धरून घेवन येतालीं.

तीं वर्गांत पावतकच उषा बांकार बसलें. वदोळचे सगळे पालक गेल्ले. दिसाळें भायर काडून उषा वाचूंक लागलें. उषाचो तो सदचोच नेम. मदली सुटी जायसर तें दिसाळीं वाचून काडटा. वेळ मेळ्ळोच जाल्यार गोश्टींचीं पुस्तकां, मासिकां वाचता.

मदले सुटयेची घांट वाजली तशीं वर्गा – वर्गांतल्यान बोवाळ घालीत भुरगीं भायर भितर करूं लागलीं. कोण मळार खेळूंक गेलो. कोण कोण गजाली करीत टिफीनां खावंक लागले. उषान दुर्वाच्या वर्गांत वचून ताचें टिफीन ताका उगडून दिलें. मदीं मदीं तें ताका खावयतालें. ना जाल्यार खाल्लें खाण तोंडांतल्यान भायर येतालें. खावयतकर ताका मुतोवन भायर धांवपी, नाचपी, खेळपी भुरग्यांक तें

आशेल्ले नदरेन पळयत बसलें. भुरग्यांक अशीं उमेदीन हांसतना खेळटना पळोवंक ताच्या एका मनाक खोस जाताली जाल्यार एक मन दुकांच्या तळ्यांत उफेतालें.

कोणय धांवतना, खेळटना पडल्यार, झडल्यार उषा धांवून तांच्या आदाराक वतालें. दुर्वाखातीर म्हणून शाळेंत येवपी उषा फाविल्ल्या वेळार भुरग्यांल्यो कागाळीय सोडयतालें. तांकां जाय तो आदारय करतालें.

मदली सुटी सोंपतकच दुर्वाच्या वर्गाक पी.टी. चो तास आसलो. सरान सगळ्या भुरग्यांक भायर हाडलीं. दुर्वाच्या इश्टिणींनी ताका हाडून सपणाचेर सावळेक बसयलें. एकेवटेन चले बॉलांनी खेळटाले, कांय जाणां धांवून खेळटाले, कांय चलयो लंगडी खेळटालीं, कांय जाणां रिंगांनी खेळटालीं. तीं दुर्वाक रेफ्री करतालीं. दुर्वा तांकां ताळयो मारून हांसून उमेद दितालें. तांच्या खेळांत तें रंगून गेल्लें.

उषाचें लक्ष पेपरांत लागना जालें. तें उठून उबें रावन भुरग्यांक पळोवंक लागलें. सपणार बसून इश्टिणींचो खेळ पळोवंक रंगून गेल्ल्या दुर्वाक पळोवन सदचेवरी उषाचें काळीज भरून आयलें.

मळार खेळपी भुरग्यांक पळयतना उषा इकरा वर्सां फाटीं पावलें.

उषाक लग्न जावन तीन वर्सां उपरांत वखद-विर्सद करून गुरवाचार आयिल्लो. दोतोरान ताका न्हिदून रावंक सांगिल्लें. नवसा-सायासान आयिल्ल्या गुरवाचाराक लागून सगळींच उषाक सांबाळटालीं. उषाक पांच म्हयने जाले आनी तेन्नाच आताक येवन ताची आवय पेड्ड्रेर जाली. उषाक आवय म्हळ्यार जीव. खिणभर आपली गुरवारपणाची उमेद तें विसरून गेलें. आपल्या भुरग्याक पळोवंक आवय कशी तळमळटाली तें येवजून येवजून ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकांच्यो झरी व्हांवताल्यो.

आठवो म्हयनो लागतनाच तें बाळंत जालें. भुरग्याचे भितरले अवयव सगळे सारके घट जावूं नासले. तातूंत चली जातना रडलें ना. ताका लागून मेंदवाकय मातसो दोश उरिल्लो. पंदरा दीस चलयेक भुरग्यांच्या खास हॉस्पिटलांत इन्क्युबॅटरांत घालून दवरचें पडलें.

चलयेची मुखार कशी स्थिती जातली हाचो अदमास दोतोरान संतोशाक तेदेच वेळार दिल्लो. संतोशाक चलयेची खूब आवड आसली. चली जाल्या म्हणून कळटनाच तो खोश्येन फुलिल्लो. पूण दोतोराच्या सांगणेन ताच्या खोश्येच्या बोमाड्यांतलें वारेंच काडिल्लेवरी ताची गत जाली. पूण पयलींच अशक्त जाल्ल्या

उषाक आनीक धक्को बसूनये म्हणून संतोशान कोणाकच कांय सांगलें ना.

तो मात दुर्वाचे वाडीचेर बारीक नदर दवरून आसलो. दुर्वाच्यो हालचाली बरेच उसरां जाताल्यो. दोन वर्सांचें जायत आयलें तरी दुर्वा चलना, उलयना तें पळोवन उषाक मातशी चिंता जाली. कोणाकोणाक विचारून कसलीं कसलीं तेलां ताच्या पांयांक लावन मसाज करतालें, उलोवपाक शिकयतालें. पूण धरून उबें रावपाचें लेगीत बळ ताच्या हाता-पांयांक नासलें. ताणें दुर्वाक वॉकरांत घालून चलोवपाचोय यत्न केलो. तेन्ना दुर्वा मोठमोठ्यान रडटालें. निमणें संतोशाच्यान उषाचे वटवटे पळोवंक जालेना. ताणें उषाक आनी दुर्वाक दोतोरागेर व्हेलीं.

संतोशान दोतोराक पयलींच फोन करून दुर्वाची गजाल सांगिल्ली. ते प्रमाण दोतोरान दुर्वाक तपाशिल्लेवरी करून उषाक सत्य परिस्थिती सांगली - "उषा, आतां तुवें घट्ट रावूं जाय. तुजें दुर्वा मातशें ॲबनॉर्मल. तें हेर भुरग्यांवरीं आसचें ना. ताची वाड, हालचाल सामकी हळू जातली. घडये कांय गजाली ताका कळच्योय ना. एकाद्री गजाल वाजेनासतना ताका परत परत सांगल्यार ताका समजतय घडये. पूण ताचेर कसलोच पेज दिवूं जायना. ताची तांक पळोवन ताका शिकय."

दोतोराचें उलोवप आयकून उषा भेरेल्लेवरीं जालें.

म्हयनोभर उषा दुर्वाक वेंगेंत घेवन रडटालें. दुर्वा निकतेंच एक एक अक्षर उलयतालें. ताका आवय रडटा तें कळ्ळें. ताणें, ... आ ऽ य ऽ भू ऽ, ना ऽ ना, आ ऽ य ना ऽ.'अशें म्हणून उषाच्या दोळ्यांक हात लायलो.

संतोशान उषाक म्हळें, "उषा, आतां रडत बसून कांयच जावंचें ना. आमी बायेक कशें वयर काडूं जाय तें चिंतया. सद्या ताका सांबाळपाची गरज आसा. आमी पयलीं मनान घट जावया."

"आमी ताका दुसऱ्या दोतोरांक दाखोवंया. हाचेर कितेंय पूण उपाय आसतलोच."

"तुका जाय त्या दोतोरागेर या. पूण तूं अशें रडत बसूं नाका. उठ."

उषान आपलें मन घट केलें. गोंयांत जायत्या दोतोरांचो सल्लो तांणी घेतलो. सगळ्यांचो न्हयकार आयकतकर तांणी ताका मुंबय आनी चेन्नय लेगीत व्हरून हाडलें. सगळ्या दोतोरांची जाप एकच आसली. "दुर्वा नॉर्मल भुरग्यांवरीं केन्नाच जावंचें ना."

निमणें उषान आनी संतोशान दोतोरांगेर धांवचें परस दुर्वाचेरच सारकें लक्ष दिवपाचें थारायलें.

उषा बरें गायतालें. टि.व्हीचेर, हांगा थंय ल्हान ल्हान कार्यावळीय करतालें. पूण गुरवार जातकर ताका तंबोरो पिशवेंत घालून दवरचो पडलो. भुरगें मात व्हड जातकच ताणें आपलो गायनाचो सराव सुरू करपाचें थारायलें. पूण दुर्वाची स्थिती पळयतकच ताणें आपली आवड, छंद सगळें गुठलावन दवरलें, 'आतां फकत बायेक सांबाळप.' आपल्या मनाक ताणें शिटकावणी दिली.

दोतोरान दुर्वाक वेगवेगळे व्यायाम सांगिल्ले. ते उषान पयलीं शिकून घेतले. आनी तें दुर्वाक शिकयतालें. ताचो आख्खो दीस दुर्वाचें खाण-जेवण, व्यायाम हातूंत वतालो. ताका मात्तय उसरपत मेळ नासली. वाज उबगण हे दोन शब्द मनांत लेगीत हाडप ना हें ताणें थारावनय केन्ना केन्नाय ताका हें सगळें सोडून धांव मारीनशी दिसताली. 'म्हजे बरोबरचीं खंय पावलीं आनी हांव ह्याच खातोणांत' अशेय विचार ताच्या मनांत येताले. ह्या वेळार संतोश ताका आदार करतालो. ताचें मन सांबाळटालो. तांकां घेवन फिरूंक वतालो. दुर्वाक खंयी बशीनबी व्हरप म्हळ्यार तांकां तसो खूब त्रास जातालो. हें चिंतून संतोशान गाडी घेतली. गाडयेचे हप्ते तांच्या गळ्याक तेकिल्ले. पूण दुर्वाखातीर कितेंय करपाची तांची तयार आसली.

सोयऱ्या धायऱ्यांगेर लग्नाकारणाक वचपाचें मात तें सामकें ताळटालें. सुरवेक ताका घेवन वतकच लोकांनी वोगीच चुरचुरप, कसलेय सल्ले दिवप, उषाक ते आयकूंकच जाय नासलें. एके बायलेन तर ताका सांगलें, "पळे उषा, वायट धरनाका. हें काय आतां बरें जावचेंना. हो गुळो असोच सांबाळचे परस आतां हळू हळू ताचें अन्न कमी कर, ताकाय मुक्ती मेळटली आनी तुमीय सुट्टलीं."

आनी एकटेन म्हळें, "हाच्या फाटल्यान वेळ आनी पयसो घालचे परस दुसरो चान्स घे. एक अशें जालें म्हणून दुसरें बरें जातलें. असलीं भुरगीं चड तेप उरना, दुसरो चान्स घे तूं."

अशे विचीत्र सल्ले लोक, बरे मागपी उषाक दितालीं. मागीर घरा येवन उषा रातभर रडटालें. दुर्वाक तांच्या उलोवण्याचो सगळो अर्थ कळनासलो. पूण भाव कळटाले. तेंय मागीर कुसकुसतालें. म्हणून उषान खंयी कारणांक ताका घेवन वचपाचेंच बंद केलें. लागींच्या लोकांगेर एक तर संतोश वतालो ना जाल्यार उषा वतालें.

व्यायामाचो परिणाम दुर्वाचेर हळूहळू जातालो. तें आतां धरून उबें रावतालें. कित्याकय धरून एक एक पावल घालून मुखार वतालें. तुटक तुटक उतरां उलयतालें.

पांच वर्सां जातासर जोडाक्षर विरयत वाक्यां करून उलोवंक येवंक लागलें. उषा ताका सोपीं सोपीं बडबडगितां शिकोवंक लागलें. दुर्वाक तोच एक खेळ कसो मेळिल्लो. तें पुस्तकां घेवन चित्रां पळोवन तें तें गीत बरोबर म्हणटालें. तांच्या शेजारचीं भुरगीं शाळेंत वतालीं तें पळोवन दुर्वाय शाळेंत वचपाचो हट करतालें. उषाकय दिसतालें ताका शाळेंत घालचें. ताचे परस ल्हान भुरगीं गणवेस बूट घालून, बॅग फाटीक लावन शाळेंत वतात तें पळोवन ताचें मन कळवळटालें. 'म्हजें दुर्वाय अशेंच शाळेंत वतलें आसलें. ताका हांव टिफीन भरून दितलें आसलें.. ताचो अभ्यास घेतलें आसलें...' अशे विचार मनांत येतकच तें खंती जातालें.

ताची शाळेची उमेद पळोवन दोतोरानय ताका शाळेंत घाल म्हणून सांगिल्लें. 'ताका अभ्यास व्हडलोसो जमचोना, बरोवंक तर बरेंच कुस्तार वतलो' हेंय दोतोरान तांकां सांगिल्लें. तांकां लागसार आशिल्ले एके शाळेंत वचून संतोश हेडमास्तराक ताची सगळी खबर सांगली. ताचे बरोबर ताची आवय येवन बसतली हेंय सांगलें.

पिरायेच्या मानान दुर्वाक पयलेक बसोवपाचें पूण ताका अपरेक बसयलें. तें चणीनय ल्हान आसलें, आनी बुध्दीनय. ताका लागून अपरेच्या भुरग्यांमदीं सोबतालें.

सुरवेक उषा ताका हाण्डीर बसोवन हाडून वर्गांत बसयतालें. बशिल्लेकडेन खेळ घेवन खेळटालें. तोंडान पदां म्हणटालें. सगळीं भुरगीं नाचाक उबीं रावतकच ताचें तोंड बावतालें. तें रडून बाईक म्हणटालें, 'बाई ऽऽ दुव्वा ऽ नाच.. ना...'

बाईचे मान्यतायेन उषा ताका धरून उबें करतालें आनी नाच करपाक लायतालें. मागीर दुर्वा उमेदीन फुलतालें. तीं अपरेचीं भुरगीं जाल्ल्यान बाई साद्या सोप्या कृतीन नाच शिकयतालीं. तेंय दुर्वाक कठीण जातालें. ताचे बरोबर ओणवें रावन उषाक ताचे कडल्यान नाच करून घेवंचो पडटालो. अशें करतना उषाक खूब त्रास जाताले. पूण दुर्वाच्या तोंडावेली खोशी पळोवन तें आपले त्रास विसरतालें.

शाळेंत घाल्ल्यान दुर्वा बरेंच सुदारलें. आतां तें हाताक धरल्यार उबें रावंक शकतालें. अडखळत अडखळत थोडें थोडें उलयतालें. तें सभावान मायेस्त आशिल्लें. कोणायकडेन झगडप, तांच्यो वस्तू झोपून घेवप अशें किटकीट केन्ना करनासलें. ताका लागून वर्गांतलीं भुरगींय ताचेकडेन बरे भशेन वागतालीं. उषान

ताच्या एका हाताक धरल्यार ताच्या दुसऱ्या हाताक ताच्यो इल्ल्योश्यो इश्टीणी धरताल्यो.

सगळीं भुरगीं जेन्ना धांवून खेळटालीं, उडयो मारतालीं तेन्ना दुर्वाक वायट दिसतालें. तें उषाक विचारतालें, ... आई, दुव्वा धांवपा येना... दुव्वा उडी मारता... आई धर ... दुव्वा ... उडी... धर...

भरिल्ल्या दोळ्यांनी उषा मागीर ताका घट धरून उबें करतालें आनी दुर्वा उडयो मारिल्ले भशेन करतालें. रोखडेंच पुरो जावन बसतालें आनी विचारतालें, ... आई... दुव्वा भू... बरो जायना, फाल्यां, फाल्यां, फाल्यां दुव्वा बरें... जायना... दुव्वा खेळप ना... धांवप ना... दुव्वा बसून... बसून पळयता....

ताच्या असल्या प्रस्नांक उषाकडेन जाप नासताली. तें घळघळीत रडटालें. अशा वेळार शिक्षीकेचे, आयाचेय दोळे ओले जातालें. आवयचीं दुकां पळोवन दुर्वा काचाबूल जातालें आनी म्हणटालें, .. आई... दुव्वा खेयना हां... धांवना हां.. तूं लडूं नाका हां... हां....

मागीर उषा ताका फुसलायतालें, "बाय तुज्या पायांक भू भू जाला म्हणून तुका धावंक येना. तूं व्हडलें जातकच तुका धावंक उडयो मारूंक येतलें हां..." धुवेक फुसलायताना उषाच्या काळजाक हुलप पडटाले.

हालीं हालीं दुर्वाक आपली स्थिती कळिल्ली. आपूण बाकीच्या भुरग्यांवरीं न्हय हें सत्य ताणें पचयल्लें. आतां तें बाकीचीं भुरगीं धांवल्यार खेळ्ळ्यार आपूण खेळपाचो हट धरनासलें. अशा वेळार उषाचें तोंड बावतालें. तें पळोवन दुर्वा ताका समजायतालें, ...आऽई दुरवा धावूंक जायना नय... दुरवा बसूऽन खेयटा हां... घरा नाका.. शाळा वचया हां.. हांव बसून खेयटां... तरास करना हां.. ताची समजिकाय पळोवन उषाक मात चडच दूख जातालें.

दुर्वाक शाळेची, थंयच्या भुरग्यांची ओड लागिल्ली. तें एक दीस घरा रावूंक सोद नासलें. आतां ताच्या पायांक मातशी शक्त आयिल्ली. दोनय हातांक आदार मेळ्ळ्यार तें चलतालें. अडखळत अडखळत मातशें उलोवंक शकतालें. तें जरी दुसरेच्या वर्गांत शिकतालें तरी आतां आंगा-पांगान वाडिल्लें. वया मानान लांबाय आयिल्ली. ताका भायर भितर व्हरप एकट्या उषाक पेल नासलें. ताच्या इश्टीणींचो आदार घेवंचो पडटालो. अशा वेळार तें मनांतल्या मनांत म्हणटालें, "म्हाका कितलेय त्रास पडल्यार जाता पूण म्हज्या बायेचें काम म्हज्यान जायना, नज म्हणूंकच

शकना. बायेच्या जिवीतांत मातशी खोशी भरतलें जाल्यार ह्या कांट्यांतले वाटेवयल्यान म्हाका चलचें पडल्यार लेगीत हांव चलतलें...''

टण् टण् ऽ टण् ऽ टण् वर्ग सोंपिल्ल्याची घांट जाली. सगळीं भुरगीं वळीन वर्गांत येवूं लागलीं. इश्टिणी वांगडा येवपी दुर्वान आवय उबी आशिल्ली पळयली. ताणें हांसून म्हळें '... आई ऽ हांव वगांत वतां... तूं बस...'

उषा वक्ल काडून दोळे पुसत बांकार बसलें. दिसाळें उगडून दोळ्यांमुखार धरलें.

♦♦♦

# 7.

# उध्दाराश्रम

– सुमन ऽ सुमन, आगो दार उगड. म्हजो नातू पेडे घेवन आयला. पयलो आयला तो बोर्डाक.

– आं ऽ आयलें, आयलें.

– माई आज्जे, पांयां पडटां. हो घे पेडो.

– बरें ऽ जावं तुजें. असोच पयलो यो सदां. व्हड जा. सुलक्षा, बरें दिसलें हां. कश्टांक फळ आयलें तुज्या. ताचेबरोबर तुवेंय त्रास काडल्यात. आमकां पार्टी केन्ना रे बाब?

– सुमन, फुडल्या आठवड्यांत हांच्या तिथी निमतान जेवण दवरलांच न्ही हांवें. ते दिसा दोन तरेचीं गोडशीं करतां. जालीना बाबुची पार्टी.

– हय, हय. बरें पुरो. आज्याकय नातवाचें गोडशें पावलें.

– बरें गे माई, वयल्या घरांनीय पेडे दिवपा आसात. येतात आमी.

– येता आं माई आज्ये.

– येयात आं येयात. तूं बरो शीक बाबा, सुलक्षाचें बापायचें नांव वयर काड.

इंदू धुवेक आनी नातवाक घेवन गेली.

माईन वुलाची पिशवी हातांत घेतली. बोटाक वूल गुठलायलें आनी दाबण घेवन स्वेटर विणूंक बसली. दाबणार वूल घेवन खांबे साखळी घालतां घालतां माई चिंतनांच्या सुतांत घुस्पली.

...सगळें सोडून हांगा आयल्यार आज म्हाका पांच वर्सां जायत आयलीं. वर्सां म्हणून सहज धांवतात. हांगा येतना दिशिल्लें कशे दीस वतले? .. नातीं गोतीं

तोंडान तोडप सोंपी, पूण तांचे शिवाय रावूं येता? .. पूण ना.. हांगा सगळीं नातीं नव्या रूपान मेळ्ळीं.... सन्याशिणीची जीण जगतलें म्हणून आयिल्लें. पूण हांगा हांव परत भुरगेबाळकान्न जाली.. आमकां बायलांक म्हणून वचत थंय नातीं जुळोवपाची, आपलेपण सोदपाची वायट संवय.. आनी आशिल्लीं नातीं तुट्टकच तो घाय सोंसप ताच्याकय कठीण... शितू आका सदां रडटालें.. म्हगेर भुरगेंबाळ जालें ना... म्हजें नातें वाडलें ना... ताका बाबड्याक खंय खबर, हांगा भुरगींबाळां आशिल्ल्यांकय वेळ येतकच नातीं गोतीं कांय नासतात. दोन पूत एक धूव, तांचीं भुरगींबाळां, केदो प्रंपच जावपाचो म्हजो.. पूण.. आज म्हाका म्हजो रक्तानात्याचो संवसारच ना.. म्हज्या हातान म्हजो संवसार मोडून हांव हांगा वृध्दाश्रमांत पावलें.. कोणाक पडलां म्हजें.. हांवें, कोणेंच म्हाका येवन मेळूं नाकात म्हळें आनी हांणी तेंच सा केलें. तांकां म्हजी कितली आडखळ जाताली तें तांणी दाखोवन दिलें. ह्या पांच वर्सांत धाकट्यालो दोन वेळा फोन आयलो, धुवेन एक फावट फोन केलो... जालें... आई आसा ना, तांकां कांयच पडून वचूं ना... पयलीं पयलीं खूब मनाक लागलें म्हज्या.. खूब खूब वायट दिसलें पोटच्या पोरांची वागणूक पळोवन.. जीव दिवंक लेगीत उठिल्लें हांव... असल्या भुरग्यांखातीर... पूण विलास ऐन वेळार आयलें आनी ताणें म्हाका थातारलें. त्या वेळार हांव सावरलें म्हणूच आज म्हजे भोंवतणी सगळीं नातीं गोतीं नव्यान तयार जालीं. म्हज्या आंगच्या कलेचें चीज जालें... येदें व्हड आयुश्य म्हजें रांदप, वाडप, भुरगेबाळांचो, येत्या वत्यांचो घश्टो काडप हातूंतच घुस्पून उरिल्लें... हो 'वृध्दाश्रम', हें वृध्दाश्रम कसो म्हणूं ? म्हजो तरी हो उध्दाराश्रम. हांगाच म्हजो खरो उध्दार जालो...

– माई, माई गे आज भायर शी येवूंना. आमी सगळीं आयलीं हां, आज नवो टांको शिकयतली मगे?

– आयलें गो बायांनो कपड्याक आटी घालून दवरात. तोंडार इल्लें उदक मारून येतां.

माई सडसडीत उठली. विचारांचीं जळमटां फाफडून उडयलीं.

शिवण शिकपाक येवपी भुरगीं वतकच माई वांगडच्या बरोबर पासयेक वचून आयली. हातपांय धुवन देवाक दिवो लावन पुस्तक वाचूंक बसली. थंयच इंदुच्या नातवान दिल्लो पेडो आसलो. तो पळयतकच ती परत फाटल्या यादींत घुस्पली.

माई एक सामान्य गृहिणी. भुरगीं संवसार आनी घोवाची सेवा ह्याच चक्रांत

घुंवपी बायल. तिणें भायलो संवसार पळयलो तो घोवा सांगातान, ताच्या फाटल्यान रावन, उपरांत भुरग्यांच्या सांगातान. एकटी मुखार सरून तिणें केन्नाच कांय केलें ना. तिका भरतकाम विणकाम कळटालें. फाविल्ल्या वेळांत ती तें घेवन बसताली. केन्नाय पुस्तकां मासिकां वाचताली. तशी तिका लग्नापयलीं वाचनाची आवड आसली. पूण संवसारांत पडटकच तिचें वाचन उणें जालें. अशी ही सादी भोळी माई.

भुरगे शिकून नोकरेक लागले. एक पूत अमेरिकेक गेलो. थंयचोच जालो. एक पूत मुंबय आसता. धुवेक लग्न करून गोंयांतच दिल्ली. पूण घोवा वांगडा तीय बहरीनाक वचून रावल्या. माई आनी घोव दोगांय वास्को रावतालीं. दोगांकय एकामेकाचो आदार आसलो. भुरग्यांचे मदीं मदीं फोन येताले. पूण तांकां गोंयची ओड तशी कमीच आसली.

माईच्या घोवाक जयंताक कॅन्सर जाल्लो. निमणे स्टेजीर कळ्ळो. माईन रोखडेंच तिगांय भुरग्यांक कळयल्लें. तिगांयनीय माईक सांगलें, "पयशांचें तोंड पळयनाका. दादाक जाय जाय तीं वखदां कर. पयशे आमी धाडटात." पूण एकट्यानय 'हांव येता, दादाक बऱ्याशा दोतोराक दाखोवंया' अशें म्हळ्ळें ना. मुंबय रावपी पुतान लेगीत. माईक दिशिल्लें, बापायची खबर कळ्ळे बरोबर तिगांय धांवून येतलीं, तांच्या खांदार तकली दवरून आपूण पोटभर रडून घेतलीं आनी मागीर दुकां मना पेटयेंत बंद करून दवरतलीं. पूण तशें जालें ना. मुंबयच्या पुताचो तर तिका चडच राग आयिल्लो. लोक सोयरीं - धायरीं मुंबय नासल्यार लेगीत असल्या दुयेंतींक मुंबय व्हरून वखद-विर्सद करतात, पूण खासा पुतान बापायक मुंबय घेवन यो म्हळें ना.

माईक आनी जयंताक खूब वायट दिसलें. चड करून जयंताक. आपल्या दुयेंसां परस आपल्या फाटल्यान माईचें कितें हो प्रस्न ताका चड सतायतालो.

एकेवटेन दुयेसांचे त्रास आनी एकेवटेन माईची चिंता अशा दोट्टी त्रासांत वळवळत जयंत गेलो. मुंबयचो पूत मरणाक आयलो. बारावो करून गेलो. वतना विसरनासतना 'कितेंय गरज आसल्यार कळय हां' म्हणून सांगून गेलो. माईक खूब वायट दिसलें, म्हाका दिशिल्लें, तो वतना म्हणटलो, 'माई, तूं आतां एकटी रावनाका. मुंबय यो. आमचे बरोबर राव.' पूण ना... ताणें आपयल्लें जाल्यार हांव थोडेंच वतलें आसलें. ताच्या त्या इल्लेश्या बेणकूल कश्या घरांत म्हजो जीव

घुस्मट्टा. पूण ताचें कर्तव्य न्ही म्हाका यो म्हणपाचें... हाडाचीं काडां करून आमी ह्या भुरग्यांक वाडयलीं.. पाखांत बळ येतकच पयस उडून गेलीं, इतले पयस जल्म दितल्यांकच विसरलीं.

भायर आशिल्ल्या धुवे, पुतान माईचें फोनारच सांत्वन केलें आनी म्हळें, ‘‘माई, तूं आतां एकटी जाली. पूण भिव नाका. आमी पयस आसल्यार कितें जालें, उले सादाक धांवन येतलीं. आमी दोन दोन दिसांनी तुका फोन करतात.’’

घोवाच्या दुयेंसान सादेभोळे माईक जायतें शाणेपण शिकयल्लें. भुरग्यांच्या उलोवण्याचो तिका सारको बरो अर्थ कळ्ळो. ‘आपल्या भुरग्यांक आपली गरज ना, तेन्ना तांच्या मार्गांतली आपणें आडखळ जावप ना’ अशें तिणें थारायलें आनी वृध्दाश्रमांत वचून रावपाचो निर्णय घेतलो. आपल्याक भुरगीं–बाळां, सोयरीं धायरीं आसात हें विसरूनच तिणें स्नेहमंदिराचें सपण चडपाचें थारायलें.

वेळा प्रसंगार आपल्याक पावपी शेजाऱ्यांचो तिणें आदार घेतलो. भुरग्यांक आपल्या बेताची तिणें मात्तय सुलूस लायली ना. घर संवसार सगळें विकून सन्याशीण कशी स्नेहमंदिरांत वचपाचो बेत केलो. शेजारचें श्रध्दा तिका आपली आवय म्हणटालें, तें ह्या वेळार खरी धूव कशें उबें रावलें. घराक गिरायक पळे, माईचो सगळो संवसार वीक ह्या कामाक ताणें माईक खूब आदार केलो.

मोठ्या यत्नान जमयल्लो संवसार आपल्या दोळ्यांमुखार फुकेसवाय फुकून उडयतना पळोवन माईक आकांताचें दुख्ख जालें.

...हांवें आनी हांणी खंयचे परिस्थितींत हो संवसार उबो केलो? कोणाक सांगू? हांकां धड पगार नासलो... कितें मेळटा तें भुरग्यांच्या वखदाक आनी गरजेच्या वस्तूंक काबार जाताले. तातूंत पोटाक चिमटो काडून एक एक वस्त घेतिल्ली. भुरग्यांक तर ह्यो काणयो दिसताल्यो. हो सोफा, फ्रीज, आरमार सगळें हप्त्या हप्त्यांनी पयशे चड फारीक करून घेतिल्लें. बाबूच्या पयल्या वाडदिसाक थोडे पयशे आयिल्ले, तातूंत बॉनसाचे पयशे घालून हें वॉशींग मशीन घेतिल्लें... प्रत्येक वस्त अशे तरेन त्रास काडून घेतली आमी. मागीर ते हप्ते पावयतासर नाका शेवट... आनी आज तोंडां येता त्या दरान म्हज्या संवसाराची मोलावणी करतात. आमकांय ताकीत... हें सगळें म्हज्या दोळ्यांमुखार विकून म्हाका स्नेहमंदिरांत वचूं जाय... एक तारके पयलीं घर रिकामें करून दिवूंक जाय... तरीय हांवें वतां वतां सगळ्यो नव्यो साडयो, नवीं आयदनां बरें मागत्यांक अडिअडचणेक पाविल्ल्यांक वांटून

दिल्ल्यो. पराती, नंदादीप, दिवल्यो, असल्यो वस्तू देवळांत दिल्यो.

सारके आठ दीस लागले माईचो संवसार विकूंक. हाच्या ताच्या तोंडांतल्यान आयकून कॅश पयशे घेवन गिरायकां आयलीं. ते आठ दीस माईक कितलींशींच मरणां मरोवन गेलें.

निमणें सामानाचो विलो लावन जातकच नात्यागोत्याचोय मोह तोडून सन्याशिणी वरीं उरिल्लें जिवीत जगतली असो निश्चेव करून माई वृध्दाश्रमांत आयली.

.. पूण, ह्या स्नेहमंदिरांत म्हाका सन्याशीण जावंक दिलें ना... म्हाका खंयचें खंय व्हरून पावयलें... चार वण्टी मदीं रावन संवसार करपी म्हाका आख्ख्या गोंयांतच न्हय तर गोंयांभायरय नामना मेळोवन दिली. म्हजे काळखी जिणेचें भांगर केलें.

माई स्नेहमंदिरांत आयली तेन्ना कोणाच कडेन चडशी उलयनासली. सगळे पाश तोडून ती हांगां आयिल्ली खरी पूण घाय भितरल्यान भळभळटाले. ते पेखूंक बरोच वेळ गेलो. हळू हळू स्नेहमंदिराचे संचालिकेन, ताईन नकळत तिका सावरूंक आदार केलो. धार्मीक पुस्तकां तिका वाचपाक दिलीं. तातूंत माई रमली. त्या पुस्तकांनीच तिका परत उबें रावपाचें बळगें दिलें. हळू हळू माईची सांगातीण आनी हेर बायलो तिच्या कुडींत येवन बसूं लागल्यो. तांणी म्हणचें, ''माई, मोठ्यान वाच आमीय आयकतात. संस्कृतान बरयल्लीं उतरां येतकच कांय जाणां अर्थ विचारतालीं. माईक मातशें मातशें संस्कृत कळटालें. माई तांकां बरो करून अर्थ सांगताली. मागीर मागीर माई थोड्यो वोवयो वाचताली आनी बरीं उदाहरणां घालून तांचो अर्थ सांगताली.

आतां सदां सांजवेळा माईक हो एक उद्देग मेळ्ळो. मागीर सगळीं बायलां ताचेर भासाभास करतालीं. आपलीं दुख्खां, अणभव मेकळेपणान उलयतालीं. सगळ्यांचें आयकून घेवन निमणे माई उलयताली. ताई हें सदां पळयताली. पयस रावन आयकतालीय बी. माईमदीं लिपिल्लें तेज ताई वळखली. तिणें माईक तांच्या सभाघरांत बसून वाचन, उलोवप करपाक सांगलें. स्नेहमंदिरांतल्या बाकीच्या लोकांकय ताईन माईचे कार्यावळींविशीं सांगलें. जायते जाण तरेकवार उलोवप आयकूंक येवं लागले. ताई तिका तरेकवार धार्मीक पुस्तकां हाडून दिताली. सकाळच्या आदेसाक माई तीं वाचून अर्थ समजून घेताली आनी सांजवेळां

उलोवापची तयारी करताली.

माईक आतां आत्मविश्वास आयिल्लो. ती बरेभशेन प्रवचनां दिवंक लागली. प्रवचन जातकच आपली काळजाची व्यथा कांय जाणां माईक सांगतालीं. माई तांचे प्रस्न, गांठी अळारपणान सोडयताली. माई आतां सगळ्यांची सल्लागारय जाली. ताई लेगीत मदीं मदीं आपले प्रस्न घेवन तिच्या म्हऱ्यांत येताली. स्नेहमंदिरांत रावप्यांचीं सोयरीं धायरीं लेगीत माईक मानतालीं.

माईचीं प्रवचनां दिवपाची उमेद पळोवन ताईन तिका भायरय व्हेली. पयलींच माईन सरळ ना म्हळें. लोकांमुखार आपल्याक उलोवंक जमचें ना म्हूण सांगलें. ताईन तिका कितली समजायली, फुसलायली आनी महिला मंडिळाच्या एका कार्यावळीक व्हेली. थंय थोडीशींच बायलां आसलीं. तें पळोवन माईन प्रवचन दिलें. मागीर ताईन तिका थांबपाक दिलें ना. खंयचीं खंयचीं आपोवणी ताई घेताली. पयलीं पांच स कडेन ताईच माईक घेवन गेली. मागीर आयोजकय माईक व्हरूंक येताले आनी हाडूनय पावयताले. ताई तशीच अट घालताली. गोंयां भायल्यान लेगीत माईक आतां आपोवणें येतालें.

माईक आतां वेगळीच वळख मेळिल्ली. पयलींची वळख तिणें पुसून उडयल्ली. आपल्या भुरग्यांक तिणें कांयच कळोवं नासलें. तरीय तांणी खंयच्यान तरी माईचो फोन नंबर घेवन तिका कितले फोन केले. पूण माईन कोणाचोच फोन घेतलो ना. एक दीस मुंबयचो पूत आपल्या भुरग्यांक घेवन तिका मेळूंक आयलो. नातरांक पळयतकच माईचो जीव कळवळ्ळो तांणी वेंग मारून म्हळें, ‘‘आजी, आमी तुका हांगा एकटी दवरचींना... मुंबर व्हरूंक आयल्यांत... ’’ तांची वेंग अळंग सोडोवन माईन म्हळें, ‘‘म्हज्या अपुरबायेच्यांनो हांगा म्हजीं खूब नातरां, पूत, धुवो आसात. तांकां म्हजी खरीच गरज आसा. तुमी चलात. परतून हांगा केन्नाच येवं नाकात. हांगा म्हाका खऱ्या मायेचीं नातीं मेळ्ळ्यांत. रगताच्या नात्याची म्हाका आतां गरज ना. चलात, व्हडलीं जायात, पूण जलमदात्या आवय-बापायक मात विसरूं नाकात..’’

निमणें वाक्य तिणें पुताक पळोवन म्हळें, आनी फाट करून उबी रावली. पूत नातरां वतकच ती खूब रडली. ताचे उपरांत भुरग्यांचे यादीन तिणें केन्नाच दोळ्यांत दूक काडलें ना.

...तशी तांची याद आतरे पयऱ्यान येत आसता, पूण हांवच ती बळयां

पेल्यान दवरतां... तीं म्हाका विसरल्यार कितें जालें... णव म्हयने पोटांत आनी मागीर वेगेंत घेवन वाडयल्यांत तांकां हांवें... तांणी म्हजेकडेन फाट केली खरी पूण कितलींच नातीं मेळ्ळीं म्हाका... कुसुमाल्यो चलयो आवयक मेळूंक आयिल्ले वेळार म्हाका मेळूंक येतात. वर्साक एक पातळ हाडटात. नाका म्हळ्यार दोळ्यांत दूक काडटात. इंदुचीं नातरां, शारदेची नात आपल्या आज्यांक मेळचे पयलीं म्हज्या म्हऱ्यांत येतलीं... मातशें जिवाक बरें ना जालें काय सगळीं धांवून येतात. पुराय निवळसर म्हऱ्यांतल्यान हालचीं नांत... नातें मेळ्ळें, नांव मेळ्ळें, आनी कितें जाय म्हाका? ... जांचे खातीर केन्नाच कांय केलें ना, केन्नाच कितें हात उखलून दिलें ना तींच म्हाका आज उलेसादाक पावतात.... तांकां हांवें दिलें तें प्रेम... फकत प्रेम.. ह्या वृध्दाश्रमान म्हजो उध्दार केलो...

...माई, ये माई, जेवपाक येता मगे?

...हय, हय, आयलें हां, चावी करतां आनी येतां.

♦♦♦

# ८.

# पन्नाशी

..**आ**वयस्, आज जुनाची एक तारीक. कॅलेंडर बदल्लेंच ना पळे हाणें. कितले बेगीन दीस सोंपतात, कितले बेगीन म्हयने सोंपतात. नवें वर्स सुरू जाता म्हणसर जून उजवाडलो...

... धा जुनाक म्हजो वाडदीस... आरे व्वा! पन्नास वर्सां सोंपतलीं म्हाका. कितले बेगीन अर्द शेंकडो हुपलो पळे हांवें... पयर राजनाचो चलो म्हणी, ''आतू, तुजो पन्नासावो वाडदीस बरो गडगडावया.'' आमगेलो गुंडू आनी ताका त दिता.. ''हय, हय, आईचो पन्नासावो वाडदीस व्हडलो करूंया.''

.. व्हडलो म्हळ्यार कितें, चार चौगांक आपोवप, पार्टी करप, फोल्गां करप... हातूंतच हे भुरगे.. हांणी केन्ना म्हज्या वाडदिसाक म्हाका व्हीश पूण केलां? वाडदीस जावन वतकच एक दीस तांकां याद जाता... 'आं! आतुचो वाडदीस जालो आमची पार्टी उल्ली म्हणजे हांकां चिंता पार्टेची. मुखार रोखडेच म्हणटात कितें, ''कांय हरकत ना, आतू तुवें एकदीस आमकां मटण, फ्रायडरायस, चिकन लॉलीपॉप, मन्चुरीयन इतलेंच करून दिल्यार पुरो. भावजी आयस्क्रीम हाडटलोच. हांवें दिसभर रांदचे कुडींत झरून तांच्यो आवडी पुरयल्यो काय जालो आतुचो वाडदीस साजरो.

... पापयांनो वाडदिसा निमतान एक दीस तरी म्हाका रांदचेकुडींतल्यान सुटी दियात... आयतें खाण-जेवण दिवपाचें सोडाच. निदान व्हीश तरी करात. म्हाका तितलीच खोस. म्हाका तुमचेकडल्यान भेटवस्तू नाकात, खावंक नाका, खंयी व्हर म्हणना... फकत यादीन व्हीश केल्यार पुरो.

राजन आनी विजय हांकां तर आपल्याक ल्हान भयण आसा म्हणपाचीय

याद तांच्या कामा वेळार जाता. हरशीं ना. त्या वेळार लाडांत येवन म्हणटलें, 'मायटूल, बाय बरें, मातशें हें काम कर गो पापया, म्हाका मात लेगीत भायर सरूंक मेळना.' भावांच्या तोंडांतल्यान उतर येता काय पळयता. मायटूल चल्लें काम करूंक..

माँ आनी बाबा, तांकां तर पडूनच वचूं ना आपल्या भुरग्यांचें. वाडदीस आनी खंयचीं याद दवरतलीं तीं.. आमी बरीं पास जालीं, भावांक बऱ्यो नोकऱ्यो मेळ्ळ्यो तरी बाबान फकत म्हणप, 'शाब्बास, अशींच मुखार सरात..' जालें, माँ तर लॅक्चर पयलीं दिताली.

आमची अर्थ अपुरबाय केली ती आज्जेन. म्हजो वाडदीस तर ती अपुरबायेन साजरो करताली. बाबान केन्नाच आज्येक पयशे दिले ना.. ती कपयाळीं, गोजड्यो शिवन दिवन पयशे मेळयटाली आनी आमचे पासत खर्च करताली. व्हडल्या दोनय नातवांपरस तिका म्हज्या वाडदिसाचो चड बोवाळ... ते दीस म्हज्या आवडिचें जेवण करताली, तोतापुरी आंबे हाडटाली, इतलेंच न्हय सांजवेळा बाजारांत व्हरून जोतें घेवन दिताली. मागीर दर खेपे तिणें म्हणप, "मावा, (ती म्हाका अपुरबायेन मावा म्हणटाली) तुजें लग्न जायसर तुजे पांय हांव घट करतलीं. मागीर तुजो घोव तुजो वाडदीस थाटांत करतलो. तेन्ना म्हजी याद काड हां."

.. आज्जे तुजीच याद काडीत म्हजो वाडदीस येवन वता. हाका खंय पडलां म्हज्या वाडदिसाचें. थाटांत साजरो करप सोड गे.. पूण व्हीश सुध्दा करपाक ताका याद उरना. पयलीं पयलीं हांव रागार जातालें ताजेर.. झगडप.. मागीर ताणें कितेंय हाडून दिवप.. शी.. सोडलें हांवें रोखडेंच ताका शिणपाचें. त्या दिसा विनय, संध्या, शुभा येवन गेल्यांत म्हणून कळ्ळ्यार मागीर ताका याद जाता आज कितें पूण आसतलें म्हणून. पूण हांव ताका त्या दिसा तीं आयल्यांत म्हणून कळोवनच दिना.. तरीय खंयच्यान सुलूस लागतकीर म्हणटलो 'आं, आज तिनय इश्टीणी बरोबर आयिल्ल्यो. तुजो वाडदीस काय कितें? सकाळीं म्हणपा न्ही कितेंय बरेंशें हाडटलों आसलों' जालें, खऱ्यांनी एक लेंस लेगीत वाडदिसाची भेट म्हणून दिवंचो ना. हरशीं खंयी फिरपाक बी गेल्यार जाय तितल्यो म्हारग साडयो, ड्रेस घेवन दितलो. कोणालेंय भांगर बरें दिसता म्हळ्यार पुरो. म्हाका करपाक तयार. पूण वाडदिसाक म्हणून सार्दी फुलां लेगीत हाडल्यार हांव खूश. पूण... आसूं!

म्हजे मांयक मात कोणाच्याय वाडदिसाचो बोवाळ. सक्काळीं उठताली,

हात दिताली. ते दीस गोडशें करताली.. पूण ती म्हजें लग्न जावन दोन वर्सांनी गेली. तिच्या उपरांत आमच्या घरांत म्हजो वाडदीस कोणेंच केलो ना... हरशीं सोड, आतां म्हजी पन्नाशी म्हणून तरी हाणें.. आसूं...

आमच्या बायलांच्या सभावाचो एक एक खेप म्हाका राग येता. आमी सगळ्यांचो घस्टो काडटात. तांकां जाय जाय तें करून दितात. पूण आमचे पासत कितेंच करूंक घरच्यांक याद उरना. तातूंत तांणी येदें कूस लेगीत दिल्यार, मातशीं तोखणाय केल्यार आमी खूश. तांचेवेलो राग लेगीत विसरून वतलीं... स्वाभिमान नाशिल्लेवरी. 'घरच्या मनशांचो आनी कितें राग धरप'.. अशें म्हणून तांची सेवा करपाक आमी सज्ज.

भोगूं, कितलें म्हणून घरच्यांक शिणूं? म्हजो पन्नासावो वाडदीस तांणी साजरो करचो अशी अपेक्षा हांवें धरचीच कित्याक? म्हणतात न्हय, अपेक्षा धरली काय अपेक्षा भंग आयलोच. सोड... आरे देवा, कितलो वेळ जालो पळे, हांव हांगा रावन खंयचे खंय व्हांवत गेलें. अजून हांव न्हावपाचें आसा, खावपाक जाय, अकरा वरां जायत आयलीं, ब्रेकफास्ट आनी खंयचो, भोगूं तो. आतां न्हावन जेवणाक लागतां.. म्हणटासर बाब आमचे जेवपाक येतले.

... आरे आज आठ तारीक. म्हज्या वाडदिसाक दोनच दीस उल्ल्यात. आनी हांच्या कोणाच्याच राज्याक पत्तो लेगीत ना.. म्हजीं भाचरां.. म्हजो गुंडू सगळीं मागीर केन्ना तरी जागीं जातलीं आनी वयल्यान म्हणटलीं, 'वाडदीस कितें तेच तारकेक करूं जाय म्हणून आसा? आतां पार्टी दिल्यार जाली. वाडदीस म्हळ्यार तांचे नजरेन खावप-पिवप, मजा करप. ही मजा ल्हान भुरग्यांच्या वाडदिसाक, जेन्ना आमी जाण्टीं तांचो वाडदीस मनयतात तेन्ना. पूण आतां म्हज्या सारक्याच्या वाडदिसाक पार्ट्यो दवरप? पार्टी म्हळ्यार दिसभर कामांत बुडून वचप, पयले दोन दीस तयारी मागीर सगळें जाग्यार घालप.. शी.. शी.. वाडदीस आशिल्ल्या मनशाचेर अन्याय कसो. घरा आयिल्ल्या मनशांकडेन बसून दोन मिनटां उलोवपाक लेगीत तांकां वेळ नासता.

वाडदीस म्हणटात तो दर एकल्याच्या जिवीतांतलो खास दीस. त्या दिसा तांच्या आवडिच्या मनशांनी तांचे वांगडा थोडो वेळ सारल्यारच पुरो जाता.

तेच पसत आमी चवगांय इश्टिणींनी बरें थारायलां. अजून मेरेन वाडदिसा

एकामेकागेर न विसरता आमी वतात. सांजवेळ भर गजाली करतात. पूण हे खेपे तांणी आमगेर येता म्हळें ना. वयल्यान विनयान फोनार सांगलां.. संध्यालें कितें आसा.. व्हरपाक येता म्हळ्ळां. कितें आसा काय? फाल्यां वचून परां येवप खंय.. हींय म्हजो वाडदीस विसरलीं तर... पोरूंच आमी थारायल्लें.. फुडल्या वर्सा आमची चोवगांयचीय पन्नाशी वेगळेच तरेन करया म्हणून... आसूं... सोयऱ्यां वांगडा अंदू म्हज्यो इश्टीणीय म्हजो वाडदीस विसरलीं.

म्हाका मात सगळ्यांचे वाडदीस याद उरतात. हांगा म्हजी याद घट... तांच्या वाडदिसाक तांच्या आवडिचे पदार्थ करून हांव मुद्दाम घेवन वतां. भावजो, भाव, देर मागीर म्हाका तोखेतात. पापयांनो म्हाका बेश्टें तोखेवंचे परस तुमी म्हज्या वाडदिसाक सादें व्हीशच करात मूं... म्हज्या जाण्ट्या माँ बाबाच्या वाडदिसाक लेगीत हांव तांचे आवडिचें खावंक करून व्हरतां. माँ दर वर्सा दोळ्यांत दुकां हाडून म्हणटा, 'आमचो आनी वाडदीस कितें करता गो, वाडदीस करप भुरग्यांचे.' अशें म्हणटा खरी माँ पूण खूश जाता. इतल्या जाण्ट्यांक लेगीत तांची अपुरबाय करतकच खोस भोगता... मागीर म्हज्या वाडदिसाक याद दवरून हीं कित्याक म्हाका खूश करनात.

भोगूं त्यो गजाली... फाल्यां म्हज्या इश्टिणींनी आपयलां तें बरेंच जालें. वाडदिसा दीस घरांत बसून मनांतल्यान सगळ्यांक शिणचेपरस इश्टिणीवांगडा तरी वेळ बरो पासार जातलो. हय हांव वतना केक व्हरतां.. पयलीं भायर काडचें ना... सांजवेळां भायर सरचे वेळार कापून दितलें. मागीर म्हणूंनी तांकां, आरे, आमी तुजो वाडदीस कशीं विसरलीं?.. चल अशेंच करतां.

...छे!.. कितलो गोड शॉक दिलो म्हाका इश्टिणींनी... हांव आनी एक, सगळ्यांक शिणटां शिणटां तांकांय शिणलें. म्हाका दिसलें हींय विसरल्यांत जातलीं म्हणून. पूण ना...

काल विनय गाडी घेवन म्हाका व्हरूंक आयलें तरी म्हाका कांयच पत्तो नासलो. हॉटेलांत वतकीर संध्यान म्हळें, "आगो कितें आसा तें फाल्यां. आज आमी रातभर गजाली करया."

काल रातभर आमी गजाली केल्यो. दोना उपरांत म्हजी आनी शुभाची विकेट पडली. विनय, संध्या केन्ना न्हिदलीं तांकांच खबर. म्हाका दिसता न्हिदुंकच नासतलीं

तीं... ना जाल्यार सगळी कूड केन्ना शिरंगारली तर तांणी?

बरोबर पांच वरांचेर 'हॅपी बर्थ डे टू यू' ची कॅसेट वाजूं लागली. म्हाका जाग आयली आनी अजाप जालें. हांव जागें आसा काय सपनांत. सट्ट करून दोळे उगडचेशे दिसले. पूण हांवें दोळे उगडले ना. हांवें दोळे उगडले आनी ही खोस फट थारली जाल्यार?.. आज हाका म्हज्या वाडदिसाची याद कशी जाली? ...काय गुंडून ही मजा केल्या. गुंडूच तो .. हाका भोव याद... 'गुंडू.. तुका याद आसा म्हजो वाडदीस?' हांवें खोश्येन दोळे उगडून विचारलें.. तेन्नाच तिगांय इश्टिणींनी एका सुरांत म्हाका व्हीश केलें. खिणभर म्हजें मन निरास जालें. पूण दुसऱ्या खिणाकच म्हाका सगळी याद जाली आनी हांव हांसून तांचे खोश्येंत वांटेकार जालें.

ल्हान भुरग्याचो वाडदीस जाल्लेवरी हॉटेलाची कूड तांणी शिरंगारिल्ली. सगळे कडेन बोमाडे लायिल्ले. बोमाड्यांनी पन्नास आंकडो केल्लो. शिवाय व्हेलवेटचे फोलीक काळजाचो आकार दिवन, एका रूपयाचीं नाणीं भांगरा कोराच्या फोलींत गुठलावन ताचेर पन्नास आंकडो करून चिकटायल्लीं.

हें सगळें पळोवन म्हाका दोळ्यांतल्यान खोश्येचीं दुकां व्हावंक लागलीं. ते बरोबर विनयान म्हळें, 'मायाटली, आटली, पिटली आज नो दुकां... आज तुवें फकत हांस. आयचो दीस मजेंत सारपाक आमी हांगां आयल्यांत. आतां घरच्यो यादी खबरी कांयच काडप ना.'

खरेंच, आमी परत एकदां शाळेंत गेलीं. कॉलेजींत गेलीं. सरांक आमी दवरिल्लीं नांवां येवजून तर हांसून हांसून पोटांत दुकलें.. काकोडकार सराक आमी जितें प्रेत म्हणटालीं, बोरकार सराक स्थितप्रज्ञ, बुडकुले सराक एक फातर मारल्यार पुरो. ठो... म्हणून आमीच न्हय सगळींच चाळयतालीं. कवडीचुंबकाक फाटल्यान केन्ना सर म्हणिल्लें यादच जायना. अशे कितले सर, कितल्यो टिचरी. प्रत्येकाक आमचीं वेगवेगळीं नांवां... कितले मजेचे दीस ते.. सगळ्यो सगळ्यो यादी आमी काडल्यो. खूब खूब हांसलीं. खऱ्यांनीच म्हजो पन्नासावो वाडदीस म्हजे इश्टिणींनी सदांखातीर याद उरपासारकोच केलो.

♦♦♦

9.

# म्हजी मोगाची धूव ती

– **जॅ**की, ही घे चावी, म्हजें सामान हाडून म्हजे कुडींत दवर आनी गाडी गॅरेजींत दवर.

– ओ. के. बेबी.

– मम्मा, मम्मा.

– आगो आयलें, आयलें. तुजे गाडयेचो आवाज आयकून सकल येतालें हांव. म्हजी मोगाची धूव रावंक आयल्या आमगेर काय रोखडेंच धांवतलें मिथूची याद येता म्हणून.

– ना, ना, नांव सुध्दा घेवं नाका ताचें.

– आं, परत फायटींग केली काय कितें गो?

– फायटींग? ती कशी जातली, हांवें एकट्यान बडबडपाचें. मिथू एकच उतर उलयता मागीर ताच्या तोंडांतल्यान एक उतर येना. खरेंच मम्मा, वाज आयलो म्हाका.

– जालें पूण कितें?

– जातलें आनी कितें, आज म्हजो ब्युटी पार्लरांत वचपाचो दीस. धा मेरेन थंय पावल्यार थंय बेगीन नंबर लागता, ना जाल्यार मागीर गर्दी.

– मागीर बेगीन उठयलें ना तुका.

– आवय! बेगीन उठयलें ना. चड बेगीन उठयलें. राग येता म्हाका. ताका एक सक्काळीं बेगीन उठपाची संवय.

– कितें? इतले बेगीन सो उठ्ठा तो?

– कितें आनी, जॉगींगाक वता. नसते थेर.

– तुका उठयलें काय कितें इतले सक्काळीं?

– हें , इतले सकाळीं म्हाका उठयल्यार हांव वोगी रावता काय कितें? तो बरें जाणां.

– मागीर कितें जालें तर तुजें?

– आगे हो जॉगींगाक वचून साडेसातांक सुमार आयला आनी म्हाका उठयता. इतले बेगीन उठल्यार म्हजे दोळे ओडिल्लेभशेन जातात. जाणां तो. म्हणून हांव आठा पयलीं उठना.

– इतले सकाळीं कित्याक म्हणून उठयतालो तर तो?

– म्हाका बेगीन ब्युटी पार्लरांत वचूं जाय म्हणिल्लें न्हय, म्हणून जेवण करपाक उठयतालो.

– जेवण करपाक? शितू ना तर?

– शितू दोन दीस सुटी घेवन गेलां. तेन्नाच हांवें सांगिल्लें, जेवण बिवण करपाक म्हज्यान जावंचें ना, आमी हॉटेलांत जेवपाचें म्हणून. काल डबो हाडून जेवलीं. जाल्यार ताका खंय जिरलें ना. आज म्हाका बेगीन उठयता, घरांतच शीत–कडी करून जेवया म्हणून. असो संताप आयलो म्हाका. हांव बरेंच तापलें. परतून जाप ना ताची.

– तूंच कर म्हणपाचें जेवण. घरचेंच जेवण जाय जाल्यार.

– आंवय, करपी तो. तातूंत लज बी दिसना ताका. म्हाकाय आपयतलो आदाराक, खंयचो कांदो शिनून दी, भाजी शिनून दी. हें वांटून दी तें धुवन दी. तूं जाणां, म्हाका कंटाळो येता असल्या कामाचो. तातूंत मागीर हाताक कितेंय लागता, नेलपॉलीश वता. तें सारकें पुसप, परत लावप, नसतो वावर वाडटा.

– हय गो बाये, तुका आमी हांगा रांदचे कुडींत केन्ना येवंक दिलेंना. आनी हो तुका रांदतली करून उडोवंक सोदता. म्हजी मोगाची धूव ती. दोन दीस भायर जेवलो जाल्यार कितें जाता खंय हाका.

– सामको अनाड्या भशेन करता गे तो एकेकदां.

– आतां काळार आनी भायर जेवल्यार पचना म्हणपा आसा. आत्या–पयऱ्यान आमकां पाट्यांनी वचचें पडटा. तेन्ना कितें करता तर?

– गेल्यार मूं पाट्यांक बी. सामकीच चुकना तांगेरच वता. पाट्यो ॲटेंड

करपाक सुध्दा आवडना ताका.

– शी, आयकुपाचेंच न्ही बाये. आजकाल पार्ट्यो बी म्हळ्यार आमच्या जिवीताचोच एक वांटो जाला. आनी हो खंयच्या जमान्यांतलो? सामकीच पोन्न्या विचारांचीं मनशां हीं. आतां एक एक गजाली कळटात.

– खरेंच मम्मा, ताचे विचार पळयल्यार म्हजें ताचे कडेन पटत शें दिसना. लग्नाक स म्हयने जाले आमच्या. कितल्या पार्ट्यांक आमी गेल्यांत काय विचार, कितले वेळा भायर जेवल्यांत काय विचार. वीकएंडाक खंय वचप ना, खंयीं चुकून गेलींच जाल्यार घरा येवन जेवप. हॉटेलाचें नांवच काडलें काय ताची तकली उसळटा. घरांत आनी तेंय बी हांवें जेवण केल्यार ताची रूचच वेगळी आसता खंय.

– शी, असो कसो मेळ्ळो तुका घोव. मोगाची धूव ती म्हजी. आमी फुलांवरीं वाडयली. आनी हो वावराडे पास्ट करूंक सोदता. दादले प्रधान संस्कृतीचो प्रतिनिधी तो. बायलांक झरोवन खावप. बायलांनी फकत रांदचीकूड सांबाळप. आमच्या क्लबांत जर सांगलें, हांसतलीं म्हाका. अशा दादल्या बरोबर दीस कशें काडटलें म्हजें बेबी.

– आनी जाणां मम्मा, लग्ना पयलीं आमी फिरूंक गेल्लीं तेन्नाच उलयल्लीं, इतले बेगीन भुरगीं जावंक दिवप ना म्हणून. आतां म्हाका फकत एकवीस वर्सां. भुरगें जावप म्हळ्यार सगळ्यो कटकटी सुरू. पयलीं म्हजी फिगर इबाडटली.

– हय गो बाये, इतले बेगीन भुरग्यांच्या जवंजाळांत पडूं नाका. मातशें लायफ एन्जोय कर.

– कर म्हळें म्हणून, त्या विसाव्या शेंकड्यांतल्या मनशांक कळूं नाका. ताची मामेभयण गायनेक. तिणें फोन केल्लो भावाक. प्लॅनींग बी कितें करपा आसल्यार मागीर करात, पयलीं एक भुरगें जावंनी. ल्हान वयार भुरगें जाल्यार बरें खंय. मागीर भुरगें जावपाक त्रास जातात. भयणीचें आयकून आतां होय तेंच म्हणटा.

– पुरो बाये. हांचीं एक एक अजापांच. लोक हांगा तीशी, पस्तीशी हुंपून लेगीत लग्न जातात. तांगेर कितें भुरगीं जायनात. हेंच, हेंच तें, हांचे हे विचार म्हाका आवडनात. तुज्या पप्पाक जाय म्हणून केलां तांणी हें लग्न. बरें घराणें खंय, बेबीक आमच्या बरें करून सांबाळटले खंय. शी...

– मम्मा, म्हाका सामकें पुरो जालां. हांव वयर वचून आड पडटा. म्हाका मातसो लारांजाचो ज्यूस धाडून दी.

– हां बेबी, चल, आड पंड. टेन्शन जालां तुका. तोंड पळयल्यार कळटा. ब्युटी पार्लरांत गेलें ना मगो निमणें.

– वतलें कशें? झगडुपाक पडलें हांव बडबडप हांवेंच. तो एक उलोवन तोंड धांपता न्ही.

– पाड पडूं ती खबर. हांव फाल्यां ब्युटिशियनाक घरा आपयतां. म्हाकाय जाय. चल तूं. ज्यूस धाडून दितां तुका आनी हांव मिटींगेक वतां.

– मम्मा, तूं वता आनी....

– अर्जंट मिटींग आसा बेबी. आमच्या क्लबान घरगुती पौश्टीक खाणाचेर एक शिबीर घेवंचें थारायलां. फकत आठ दीस उरल्यात. म्हणून ही अर्जंट मिटींग.

– ओ, हो, म्हणटकीर हांगा हांव जेवपाक एकटेंच तर.

– ना, ना. तुका एकटें दवरना हांव. आमची मिटींग सोंपले बरोबर रींग दितां तुका. तूं यो थंय. हॉटेलांत मस्त जेवण घेवया. ओ. के. बाय.

क्रींग ऽऽ क्रींग ऽऽ क्रींग ऽऽ क्रींग ऽऽ क्रींग ऽऽ क्रींग

– हॅलो ऽ, कितें जालें जग बुडलें. एक सारको फोनार फोनशें करता. मीस कॉल धाडटा.

– आं, म्हणटकीर खबर आसां तुका हांवें कितले फोन केले ते. मुद्दाम घेतले ना तर तुवें.

– हय, हय. मुद्दामच घेतले ना. आनी आतांय म्हाका उलोवपाचें ना

– बंद केलो फोन. आं, आतां सोडना तुका हांव. आज तुका उलोवंचेंच पडटलें.

क्रींग ऽऽ क्रींग ऽऽ क्रींग ऽऽ क्रींग ऽऽ

– परत कित्याक फोन केलो, म्हाका उलोवपाचें ना तुजेकडेन.

– ये आयकून घे पयलीं. आनी मदीं बंद करशी पळे,

– धमकी दिता धमकी. राव हें सगळें हांव कोर्टांत सांगतलें. तुवें म्हजो कसो कसो मानसीक छळ केला तो.

– आगो पूण कोर्ट खंय आयलें मदीं?

– घटस्फोट घेवपाचें थारायलां हांवें. म्हाका तुज्या असल्या अनाड्याबरोबर मात्तय संवसार करपाचो ना. कळ्ळें.

– कितें? घटस्फोट घेवपा इतलें घडलां कितें? सादीं सादीं किजीलां खूब जाणांगेर जातात. ते कामाक कितें घटस्फोट घेतात.

– तुजे नदरेन सादीं किजिलां आसत तीं. पूण म्हजे नदरेन न्हय. म्हजे मम्माचो तुवें अपमान केला. म्हाका तुवें कितले त्रास दिले. म्हजी फ्री, मॉडर्न वागणूक तुका पसंत ना, तेंय एक वेळ हांव आयकन आसलें पूण तुवें म्हजे मम्माचो अपमान केला तो हांव केन्नाच सहन करचें ना.

– आनी तुवें म्हजे माँक कित्याय कितें जापो सांगल्यात त्यो.

– ती तेच लायकीची बायल. तिका लाग नासलें आमच्या झगड्यांमदीं पडपाक.

– ती आमचो संवसार सांबाळपाक आयिल्ली. तुजे मम्मान वायट – वायट उलयल्यार लेगीत तिणें तोंडांतल्यान एक उतर काडलें ना. वेल्यान नमळायेन तुका आमगेर धाड म्हणून रिक्वेस्ट करताली ती तुजे मम्माक. पूण तुजी मम्मा आमकां, आमच्या घराण्याक कित्याय कितें उलयत रावली. म्हणून हांवें तिका शटाप् केली.

– येदी व्हडली मम्मा म्हजी. समाजांत कितले लोक तिका मान दितात. एका क्लबाची ती अध्यक्ष, कितल्याच संस्थांची वांगडी, अशे म्हजे मम्माचो तुवें अपमान केलो. पप्पान लेगीत एक दीस तिका कांय म्हणूं ना. तुका मम्माक सॉरी म्हणचेंच पडटलें.

– ना, अजिबात म्हणचो ना. तुज्या मम्मान म्हजे माँक सॉरी म्हणूंक जाय. तिणें म्हजे माँचो अपमान केला. तुजे मम्माचें व्हडपण तुजेकडेन, आमकां लागना.

– म्हजे मम्माचें व्हडपण तुमकां लागना. आमचें मॉडर्न लायफ तुमकां आवडना. पप्पाचो बिजनेस जॉयन कर म्हळें तें तुका आवडना. आमचें कितेंच तुमकां आवडना.

– हय आवडना आमकां. तुमचे मिंधे जावन रावंक आवडना.

– म्हाकाय आवडनात तुमचे विचार. म्हजो घुस्मटमार जाता तुमच्या घरांत म्हणून हांव घटस्फोट घेवंक सोदता. आनी आनी फोन करनाका म्हाका.

– जालें मगो समाधान. चलयेक घरा बसयली. कितलें समजायलें तुका.

मोडप सोंपें घडपाक कुस्तार. धुवेक समजावन घरा धाडचे बदला ताका फूस दिली घोवाकडेन झगडपाक. हांव वोगी रावन सोंसता म्हूण तीं कित्याक सोंसतलीं तुजी दादागिरी.

– पुरो आं. हांव वोगी रावलां म्हणून तोंडाक येता तें उलय नाका. बेबीन म्हज्या खूब सोंसलें त्या अनाड्यांच्या घरांत. तांचे विचार आयकून म्हाका लेगीत उबगण आयली. सुटलें आतां बेबी.

– आगो पूण बेबीचो विचार केला तुवें? ताचो फुडार कितें? एका लग्नाचो डाग लागला ताका. आतां कोण...

– आवयस् म्हजे! खंयच्या शेंकड्यांत वावुरता तूं, आं. लग्नाचो डाग म्हणपाक फकत स म्हयने रावलां तें घोवाबरोबर. कितें लायफ् एन्जॉय केलां ताणें. आतां परतें लग्न करतलें हांव ताचें.

– हय, दुसरे खेपे चले मेळप इतलें सोंपें काय कितें. हांगा लोकांल्यो धुवो पयले खेपेच वाडून आसात.

– असले नानाकारी विचार उलोवन म्हजी तकली उसळाय नाका. चलयो वाडून उरतात तांच्यो आसतल्यो हुंड्या बिंड्याच्यो अडचणी. हांव बरें घालून करून दितलें म्हजे मोगाचे धुवेक.

– पुरो, पुरो, पयशां आशेक कोणय पत्करत तुजे धुवेक. पूण ताका थंय सूख मेळनाका.

– मातसो वोगी रावता. कित्याय कितें उलोवन म्हजी तकली उसळाय नाका.

– जालें, रावतां हांव वोगी, कांयच उलयना. ह्या इतल्याय बोवाळांत तुमी आवय धुवेन म्हाका खंय कितें विचारलां. फकत चेक बुकार सय करपा पुरती म्हजी गरज.

– तूं तुजे बिजनेस, मिटींग्स्, क्लब हातूंतल्यान तकली वयर काडल्यार कितेंय सांगू तुका आमी.

– ट्रींग.. ट्रींग.... ट्रींग.. ट्रींग...

– आतां मातसो वोगी राव, फोन कोणाचो तो पळयतां. हॅलो ऽऽ आं ऽ सुश्या, How are you? कशी जाली ट्रीप? केन्ना आयलें तूं?

– ट्रीप सक्सेसफूल जाली. कालच पावलें हांव. तुमी कशीं आसात?

– आसात बरीं.

– आगो बेबीची खबर कळ्ळी. सुटलें गो बेबी. आतां कितें विचार?

– आतां रोखडेंच लग्न करतलीं आमी. कोणय बरोसो भुरगो दोळ्यामुखार आसल्यार सांग.

– तेच खातीर फोन केल्लो हांवें. चलो कसो जाय?

– कसो म्हळ्यार? आमचे बेबीक सोबसारको. फ्रेश जाय.

– फ्रेश? बेबीचें दुसरें लग्न हें आनी चलो....

– बेबीचें दुसरें लग्न नांवाचें. स म्हयनेच उरलां तें तागेर. पूण चड संबंध येवूं ना तांचो. झगडटालीं चड तीं. एकठांय आनी केन्ना येतलीं?

– तरी पूण बेबी घटस्फोटीतच न्हय?

– आसूं, आसूं, तें कितेंय जांव. आमकां चलो फ्रेश जाय. आमकां बेबीक दुसरेपणांत दिवपाचें ना. बिजनेस कितें करता ताचें म्हत्व ना. ताका आमचो येदो व्हड बिजनेस जॉयन करचोच पडटलो फाटींफुडें.

– बरें आसा, पळयतां. एक दोग जाण आसात दोळ्यांमुखार. सारकी चवकशी करतां आनी फोन करतां तुका.

– बरें, बाय.

– जालें उलोवन इश्टिणीकडेन? पूण तूं कितें उलयलां खबर आसा तुका?

– अजून तकली घुवूं ना म्हजी.

– घुंवल्याच. आमच्या बेबीचें हें दुसरें लग्न आनी तुका न्हवरो दुसरेपणाचो नाका.

– हयच, भरपूर घालून करून दितलें हांव म्हजे मोगाचे धुवेक. चलोय तसोच तोलामोलाचो जाय.

– पूण चलेकारांक...

– तूं मातसो वोगी राव, हे खेपे बेबीच्या लग्नाचें हांव पळयतां, लग्न थारतकच यजमानपणावेळार यो तूं म्हज्या म्हऱ्यांत बसूंक.

– धन्य.. धन्य.. एक संवसार मोडला बेबीचो आतां दुसरो संवसार मांडून दिवपाची तयारी. वा.... वा...

– आवयस्! कितलो वेळ जालो पळे, अजून आमची अध्यक्षीणबाय आयली ना.

– आगो, आगो मॅडम म्हण. सट्ट करून आयली आनी आयकलें जाल्यार वोगी रावपार ना ती.

– ओह, सॉरी. पूण आसा खंय ती?

– ती? एक तर बेबीच्या सोयरिके पासत फिरता आसतली ना जाल्यार ज्योतीशा फटल्यान.

– कितें? मॅडम आतां थंयी वचूं लागली? खबरी व्हडल्यो व्हडल्यो सांगताली मूं ती.

– आगो, हें आतांचें न्हय. फाटलीं स – सात वर्सां हें अशेंच चल्लां. बेबीक आतां तीस सोंपलीं. मोठ्या नेटान चलयेक घटस्फोट घेवपाक लायलो आनी फ्रेश चल्याकडेन लग्न करतली म्हणून बशिल्ली.

– हय, आतां दुसरेपणांतलो चलो लेगीत मेळूंक कुस्तार जाला.

– आगो, आनी एक आयकलां तुमी?

– कितें गो? कितें?

– हालीं बेबी मातशें पिशांतुरावरी करता खंय. आमचो ड्रायव्हर म्हणी.

– हय, हय. तशें नोकरांक, चेडवांक तें सदांच शेडायतालें, कचकचायतालें. पूण आतां तांचेर थापटां फुलयता, हातां आसा तें शेंवटिता. मातशें मनाआड कितेंय जालें जाल्यार कपडे पिंजता, व्हडा व्हडा किंळचता.

– मॅडमीकडेन लेगीत झगडटा खंय तें. आपलो संवसार व्हगडायलो म्हणून.

– आतां जागे जालें खंय? तेन्ना आवयच्या फोर्सार बरें उडटालें मूं.

– हाचेवेल्यान कळ्ळें मगो? हांचें बेबीच धड न्ही. आनी मॅडमय सामकीच हॉट टेंपरेचर.

– आवयवरींच जालां तें.

– हय, मॅडमीनच ताका मातोवन दवरलां. आतां पश्चाताप करून कितें उपयोग.

– आगो, आगो, वोगी रावात, मॅडमीचे गाडयेचो आवाज आयला. आयली.. आयली मॅडम!

♦♦♦

10.

# मन वळटा... वळना !

– **दिपू**...बाब रे.. दिपू.. यो रे पापया.

– आयलों माँ, चल उमा, धांव.

– धांव तूं येतां हांव.

– उमान थंडपणान म्हळें, ताणें येतां म्हणिल्लें खरें, पूण तें हातरूणावेलें उठलेंच ना. ताका उबगण आयली. ताणें मनांतल्या मनांत म्हळें... दिपू, माँचे अशे उले येवप म्हळ्यार तुवेंच धांवपाचें.. तिका तुजी गरज आसा म्हजी न्हय... एक मिनीट ती तुका म्हाका एकठांय रावंक दिवंची ना... तिचीं नाटकां तुका कळनांत... हांव जाणां... तुजेकडल्यान सांससून घेतले बगर तिका न्हिदच लागचीना. शी.. हें येवजप म्हळ्यार लेगीत म्हाका पातकशें दिसता. पूण कितें करूं.. माँची वागणूक पळेल्यार.. शी... शी.. पुतान सांसपितकच ती न्हिदता. मागीर हांगा येतकच पूत, आवयचे चिंतेन तकली धरून सुस्कारत बसतलो. मागीर आमची रात पेड्ड्यार.. आवय–पुताचीं नाटकां पळोवंक वचचें ना म्हूण करतां हांव, पूण.. दिपूची काकळूट दिसता.. ताका आवयचीं फालां कळनात.. तो बाबडो खऱ्यांनीच मातृभक्त.. खऱ्यांनीच तळमळटा आवय खातीर.. लग्नाक स म्हयने जाल्यात आमच्या.. अजून आमी दोगांय एकठांय बसलीं,काय हिका कितें तरी जाता.. खरें म्हणत कोणय? ... नेमकी रातचीं तिचीं नाटकां... हनीमुनाक वतना लेगीत नाटकां. खऱ्यांनीच पांय निसरून पडली, काय कितें म्हणून देवाक खबर! मागीर मातृभक्त पूत हनीमुनाक कसो वतलो? याद लेगीत काडल्यार संताप येता. वतांच हांव.. ते मालकिर्याद बायलेक हांव येतकच नसाय जाता.. वतां

आनी दिपूक तेंकून उबें रावतां... बरी फडफडुनी भितरले भितर..

उमा मनांतल्यान फडफडत मांयचे कुडींत गेलें. थंय सदचेवरीं दिपक आवयक सांसपीत बशिल्लो. ती ताचो हात घट्ट धरून पोशेताली आनी सुस्कारे सोडत हेवटेन तेवटेन तकली हालयताली. मदींच म्हणटाली.. मरता रे हांव.. सोसूंक जायना म्हज्यान हे त्रास...

– कांय जायना तुका माँ, हांव बाम लायतां.

उमाचें उलोवणें आयकून खिणापयलीं पिरंगुपी ती बायल सट्ट करून म्हणूंक लागली, "नाका नाका तुजो हात लागना. दिपू बरो जोरान चेपता, बामा परस ताणेंच चड बरें दिसता."

उमा दिपूक तेंकून उबें राविल्लें. तें पळोवन तिची तकली खऱ्यांनीच उसळपाक लागली.

– आसूं बाब, पुरो आतां न्हिदूंक चलात तुमी, तकली मात्सी बरी दिसता आतां.

पुताचो हात सांसपीत शारदेन म्हळें. तीच संद घेवन उमान दिपूक हाताक धरून उठयलो आनी ओडतच म्हणटात तशें घेवन गेलें. मनांतल्यान ताणें म्हळें, "मातृभक्ता, तुका असो व्हेलो ना जाल्यार तूं रातभर आवय म्हऱ्यांत बसून तिका सांसपीत रावतलो, हात पांय चेपत रावतलो. दादल्याच्या सहवासाक आशेल्ली ती बायल, तुज्या स्पर्श सुखांत गूंग जावन तुका न्हिदूंक वच लेगीत म्हणचिना."

– उमा, रात खूब जाली, फाल्यां बेगीन उठूं जाय. आतां न्हिदूया न्हय.

उमान हय म्हणचे पयलींच दिपक हातरूणार आडवो जालो. लायट पालोवन उमाय आड पडलें. पूण ताचे दोळे तटास उगडे आसले.. हें अशेंच सदां जाल्यार आमचो फुडार कसो? .... ह्या प्रस्नाच्या भोंवऱ्यांत तें गिरगिरत रावलें.

उमा लग्न जावन येत साकून आवय-पुताचीं हीं नाटकां पळयतालें. हय, ताका तीं आतां नाटकांच दिसतालीं. आपलो घोव कितलो मातृभक्त आनी मांय ताचो कसो फायदो घेत हें ताका कळिल्लें. दिपकाक हातुंतल्यान कसो भायर काडप हें ताका कळनासलें. नवी व्हंकल म्हणून उमेदीन रसरसपाचे ताचे दीस. पूण भितल्ल्यान चिंतेचो किडो ताका पोखरतालो.

दिपकाची माँ म्हळ्यार शारदेचें लग्न जावन दिपक दोन वर्सांचो आसतनाच तिचो घोव पेड्डेर जालो. जिणेंतली उमेद फुलचे पयलींच बावली. सगळें सगळें

भोगपाची इत्सा, वासना पुराय जावंचे पयलींच जिणेचो साथिदार उठून गेलो.

सुरवेक ताच्या आवय–बापायन, भावंडांनी ताका एकटें सोडलें ना. हर तरेन ताचें मन रिजोवपाचे यत्न तांणी केले. भायले घाय वखद – विसर्दान थांबले म्हूण? काळजाचो घाय बेगीन थोडोच पेकता?

पूण शारदेन दोन वर्सांच्या दिपू पळोवन आपल्या मनाक, भावनांक आवर घालो. दिपका पासत आपल्याक जगूं जाय हें ताणें आपल्या मनाक पटोवन दिलें. आनी गळसणिल्ले अवस्थेंतल्यान तें भायर सल्लें. ताचे आवय–बापूय मात वेगळोच विचार करताले.. इल्ल्याशा पुताक घेवन येदी व्हड जीण तें कशें सारतलें.. आमी पिकिल्लीं पानां.. ताका सारोदार पावंक शकनात.. ताच्या भावंडांक तांचो तांचो संवसार आसा.. तीं म्हणून ताका कितलीं सांबाळटलीं.. तातूंत पंचविशी लेगीत हुपूं नाशिल्लें शारदा, दादले मनशाचो आदार नासतना एकटें कशें जगतलें.. आमचें कितेंय बरें वायट जावचे पयलीं ताका एक भक्कम आदार दिवूं जाय.. ताचो पुनरविवाह करप.. हय परत लग्न करप... तांणी हो विचार हेर भुरग्यांक सांगलो. सगळ्यांकच विचार पटलो. पूण खासा शारदेक मात तो मात्तय पटलो ना. ताणें सरळ सांगलें,

– एकदां संवसाराची घडी विस्कटल्या, आतां परत नवी घडी घालप म्हाका जमचें ना. आनी म्हजो दिपू... म्हाका घोव मेळत, ताका बापूय मेळटलो? ताची आवय जिती आसतना ताका बेवारशी जावंक दिवंचें ना हांव.. हांव एकटें ताका समर्थपणान वाडोवंक शकतां. तुमचें पाठबळ मेळ्ळ्यार पुरो. पयशांचो प्रस्न हांणी सोडयलाच. आतां वेळ वचपा पासत हांव घरांत बसून कितेंय करीन.

शारदेच्या ह्या निर्णयाचेर ताचे आवय, बापूय, भावंडां वोगी रावलीं.

शारदा घरांतच ट्युशन दिवंक लागली. दिपूकडेनय लक्ष दिवंक मेळटालें आनी वेळय पासार जातालो. दिपकाक बरे तरेन वाडवप, ताका बापायची उणीव दाखोवन दिवप ना ह्या एकाच विचारान शारदा झपाटिल्लेवरीं जाल्ली. तिणें आपल्यो आवडी निवडी, इत्सा सगळें चिड्डून दवरिल्ल्यो. तरी लेगीत केन्ना केन्नाय तिच्यो भावना उचांबळीत जाताल्यो. घोवाचे यादीन तें आकूळ पिकूळ जातालें. अशा वेळार तें दिपकाक छातयेकडेन घट्ट आंवळून धारतालें, आनी ताका पोशेत रावालें, ताच्यो मटमटीत पापयो घेतालें आनी दोळ्यांतल्यान देंवपी दुकांनी ताका भिजयतालें.

दिपक जसो जसो व्हड जावंक लागलो तश्यो ताका आवयच्यो भावना

मातश्यो मातश्यो कळूंक लागल्यो. आवयन अशे तरेन वेगेंत घेवन रडपाक लागतकच ताणें विचारप, "माँ, पप्पाची याद आयली?"

दिपक व्हड जातालो तसो तो आपल्या इश्ट-सांगात्यां वांगडा रमूंक लागलो. ताचें विश्व आतां बदल्लें. माँचे भोंवतणी फिरपय कमी जालें.

दिपक आपल्या विश्वांत दंग जातालो तितलें शारदेक आपलें एकटेंपण चड खावंक येवंक लागलें. हालींसराक तिच्यो मनांत चिड्डून दवरिल्ल्यो भावना परत परत उंचाबळून येताल्यो. अशा वेळार दिपकाक घट्ट वेंगेंत धरचो अशें ताका दिसतालें. पूण दिसभर दिपक तसो घरांत सारको उर नासलो. रातचो तो बानयन घालून टि.व्ही. मुखार बसलो काय शारदा ताच्या म्हऱ्यांत बसताली. ताका विचित्र तरेन पोशेताली. दिपकान एक दीस तिका हटकिली,

– माँ, अशी कितें सांसपिता, हांव आतां ल्हान ना.

– व्हड जाला जायत तूं. पूण म्हाका ल्हानच. दिसभर खंय मेळटा तूं म्हाका. एकटेंच आसतां हांव घरांत. आतां मातशें तुजे म्हऱ्यांत बसून तुका पोशेलो काय जिवाक सुशेग जाता म्हज्या.

दिपकाक आवयन विचित्रतरेन पोशेवप, तेन्नाची तिची विचीत्र नुरा, मात्तय आवडनासली. पूण आवयची आपल्यावेली माया ताका खबर आसली. तिका दुखोवं नये म्हणून तो वोग्गी रावतालो. रातचो तो शारदेच्या कुडींतच न्हिदतालो. ताका पांगरूण घालच्या निमतान ती दोन मिनटां ताका सांसपिताली. ताका असो पोशेलो काय तिचें उंचाबळीत जाल्लें मन शांत जातालें. शारदेक आतां तो नादच कसो लागिल्लो.

तिच्या एका मनाक आपूण हें कितें करतां असो प्रस्न पडटालो, पूण दुसरें मन ताचेर धाकणें घालतालें.. तो म्हजो पूत, आवयन पुताक पोशेल्यार कितें जाता?

एक दीस शारदेची भयण बिना तांगेर रावंक आयिल्ली. तिका शारदेची वागणूक विचीत्र दिसली. चड करून दिपकाक पोशेतना तिच्या दोळ्यांत येवपी वासनेची झांक पळोवन भयण भियेली. तिणें दुसरेच दीस दिपक भायर सरून वतकर शारदेक तिचे वागणुकेविशीं विचारलें. शारदान गुळमुळींतशी जाप दिली.

– म्हजो एकलोच अपुरबायेचो बाब तो. ताची अपुरबाय केली म्हूण कितें जालें. भुरगो केदोय व्हड जालो म्हणून, आवयक ल्हानच न्हय?

ताचे जापेन भयणीचें समादान जालें ना. तिणें ताका म्हळें.

– हेच खातीर तुका आमी दुसरें लग्न जा म्हणिल्लें. तेन्ना तुजी पिराय चड नाशिल्ली बाय. मनाच्यो भावना तूं चिड्डिशी, कुडीच्यो भावना तूं कितलो वेळ चिड्डून दवरतलें? आतां तुजो पूत व्हड जाता. तुका सांबाळून रावंक जाय. आनी एक दिपू आतां रातचो, फांतोडेर अभ्यासाक बसता. अजुनूय ताका तूं तुजे कुडींत सो न्हिदयता? म्हणून घडये तुजें मन अशें चंचल जाता जावंये. अभ्यासाचें निमित्त करून ताका दुसरे कुडींत न्हिदूंक लाय.

अशें जायतें सांगून भयण गेली. शारदेक भयणीची सांगणी मातशी पटली. आपली चुकय कळ्ळी. पूण मन वळूंक तयार नासलें. पूत तो म्हजो, ताका मातसो पोशेलो म्हूण कितें जालें.. पूण ना... हांव ताका मायेन पोशेतां.. काय.. काय... हें अशें कशें जायत... ताका पोशेतकीर हांव काळजांतल्यान सुखावतां.. ताका पोशेता तितलो आनी पोशेन दिसता.. घट्ट छातयेकडेन आंवळन दिसता.. हरशींच मूं? काय बिना सांगता तशें.. कुडीची भूक... शी शी कसले विचार येतात हे.. कितें उलोवन गेलें बिना? पूण म्हाका हें जाता तें.. बिनाचें म्हणणें तशें सामकेंच.. ना.. ना.. तशें न्हय.. न्हयच.. तो म्हजो अपुरबायेचो पूत.. पूण.. ना.. ना...

अशा आरत्या-परत्या विचारांनी शारदा बेजारून गेली. आपल्या एका मनाची अवतिकाय तिका कळिल्ली पूण दुसरें मन ती मानून घेवंक तयार नासली.

तिणें ताच्या अभ्यासाचें निमित्त करून दिपकाक दुसरे कुडींत न्हिदपाक लायलो. पूण तिका मनापासून दिसतालें... दिपकान दुसरे कुडींत न्हिदूंक तयार जावं नये, तूं एकटी जातली अशें म्हणून आपल्याच म्हऱ्यांत न्हिदचो.. पूण दिपक रोखडोच तयार जालो. ताका तिच्या करण्यांचो वाज येतालो. पूण आवयक दुखोवं नये, तिका आयिल्लो मायेचो उमाळो हय, ताका दिसतालें आवयक आपलेवेले मायेचो उमाळो आयला. तिका दुखोवं नये म्हणून तो सगळें सोंसतालो. पूण आवयन दुसरे कुडींत न्हीद म्हळ्ळ्या बरोबर उमेदीन तयार जालो. रोखडेंच ताणें आपलें सगळें सामान ते कुडींत व्हेलें.

शारदा आतां बरीच अस्वस्थ जाल्ली तिका रात रात भर न्हीद येनासली. भयणीची सांगणी लक्षांत दवरून तिणें दिपकाक पोशेवपाचें बंद केलें. पूण तिचें मन तडफडटालें. अशा वेळार धांवट वचून दिपकाक घट्ट वेंगेंत घेवंचो अशें तिका खरपणान दिसतालें. ते भरशीं ती ताच्या म्हऱ्यांत वताली. पूण तिचे दुसरें मन तिका आडायतालें. परत तिचे कुडींत व्हरतालें. मनाच्या आनी कुडीच्या ह्या

संघर्शांत शारदा थकून गेली. तिची अवतिकाय बरे नाशिल्ल्या मनशावरी जाली. तिका भितल्ल्यान गळसाणिल्लेवरी दिसतालें.

हेच अवस्थेंत तिका जोर येवंक लागलो. दिपक तिची मायेन सेवा करूंक लागलो. पयले चार दीस कॉलेज चुकोवन तो घरा रावलो. मागीर कॉलेजींतल्यान आयलो काय आवयचे भोंवतणी रावतालो. तिका कितें जाय नाका पळेतालो. तिचे पांय चेपप, कपल चेपप, जाय जाल्यार बाम लावप, अशीं सगळीं कामां तो मायेन करतालो. तिका न्हीद येतासर तिचे म्हऱ्यांत बसतालो.

शारदा हातरूणार म्हयनोभर उरली. तिचो जोर आठ दिसांनीच गेल्लो. पूण शारदा हातरूण सोड नासली. दिपका कडल्यान सेवा करून घेवपांतच ती सुखावताली. भयण येवन गेले उपरांत आपणें केल्लो निश्चेव तिणें जोराच्या निमतान बळयांच पयस दवरलो.

आपल्याक बरें ना जाल्यार दिपक कितलो कळवळटा आनी आपली कशी सेवा करता हें तिका आतां कळिल्लें. आतां ती दोन दोन दिसांनी बरी ना जाताली. केन्ना केन्ना ती हात-पांय वळून येतात म्हणटाली. केन्ना केन्ना फाट भरून येता म्हणटाली, हेंच निमित्त करून ती रातचें न्हिदपा वेळार दिपकाकडल्यान हाता-पांयांक, फाटीक बाम लावन घेताली, चेपूंक लायताली. आतां ह्यातूंतच ती सुखावंक लागली. तिच्या काळजाचे तगमगे थंड जावंक लागले. एक दीस जरी तो खंयी गेलो कितेंय अडचण येवन तो आयलोना जाल्यार तिका रातभर न्हीद लाग लागनासली. चड करून ताच्या परिक्षेच्या दिसांनी ताका आपले सेवेक आपोवपाक तिका बरें दिसनासलें. पूण तिची कूड, मन हें मानूक तयार जायनासलें. ताका दिपकाचो स्पर्श  जाय जायसो दिसतालो. अशा वेळार शारदा सामकी अस्वस्थ जाताली, पिशांतूर कशी जाताली.

दिपकाक आवयचो खरो हेत खबर नासलो. तो भक्तीन, मायेन आवयक सांबाळटालो. आवय म्हळ्यार ताका सामकी जीव कशी आसली. तिका कसलोच त्रास जावं नये म्हणून तो जपतालो.

दिपकाक सोयरिको येवंक लागल्यो. तशी तिच्या एका मनाक खोस जाली, दुसरें मन मात आक्रोश करून उठलें.. लग्न जातकच तो म्हज्या म्हऱ्यांत येवंचोना.. म्हाका पोशेवंचो ना.... बाम लावपाच्या निमतान.. ना.. ना.. हांवें अशें चिंतप न्हय.. ताचें लग्न जावूं जाय.. ताचो संवसार फुलूं जाय.. पूण.. पूण.. तो बायलेक..

हय, सगळें सगळें दितलो... आनी हांव.. म्हाका स्पर्शाचें सुखय मेळचें ना.. शी.. शी.. कसले विचार येतात म्हज्या मनांत... हांव आवय ताची... पूण ताच्या हाताच्या स्पर्शान म्हज्या देहाक पेटिल्लो उजो थंडावता.. म्हाका सूख.... शी.. शी हे नाका आशिल्ले विचार... कोण मुक्ती दीत म्हाका हातुंतल्यान...

दिपकाचें लग्न जालें. पयलेच रातीकडेन शारदा बरी ना जाली. तिची छाती धडधडटाली. कानांतल्यान उजो सुटिल्ले भशेन दिसतालो. सगळें आंग थरथरतालें. तिणें व्हडा व्हडान किळच्यो माल्ल्यो. घरांत सगळीं जाणां आशिल्लीं. तरी तिच्या किळच्यांनी दिपक धांवून आयलो. ताणें बाम घेवन तिच्या आंगाक लायलो, तिचे पांय चेपले. हळू हळू शारदा थंड जाली. पुताचो हात सांसपीत ती न्हिदली.

आतां आत्रे पयऱ्यान तिका अशे झटके येवंक लागले. दिपकान तिका दोतोराक व्हरून दाखयली. तिणें मनांतल्यान म्हळें, म्हाका दोतोर कितें वखद दितलो.. म्हजें वखद म्हाकाच खबर आसा...

उमा लग्न जावन आयलें तेन्ना पयलीं पयलीं ताका मांय खऱ्यांनीच बरी नाशी दिसताली. तेंय घोवाबरोबर धांवून येतालें. आपूणय तिचे पांय चेंपतालें. पूण उमा आयलें काय शारदा वाजेताली. 'तुजे हात लागच ना. दिपूनच चेपुनी पांय.'' अशें म्हणून ताका उठयताली.

मागीर मागीर उमाक मांयचीं नाटकां कळ्ळीं. आपल्या घोवाच्या मातृभक्तपणाचो मांय कसो फायदो घेता तें पळोवन ताका तिडक येताली. तें फकत मनांतल्या मनांत फडफडटालें. कोणाक सांगू हांव ही गजाल.. कोण खरें म्हणटलो.. म्हाकाच पिशार काडटलीं.. मांय म्हाका दोळ्यांमुखार नाका म्हणून हांव असो आळ घेतां म्हणटलीं... लज नाशिल्ली बायल ही.. तरी बरें हाचे मुखार गेली ना.. शी.. शी.. अशें येवजप म्हळ्यार लेगीत पातक शें.. पूण.. पूण.. हातुंतल्यान भायर सरपाचो मार्ग कितें.. कोणाक तरी विचारूं..

नवे व्हंकलेन फुलपाचे, रसरसपाचें सोडून उमा अशा आरत्या परत्या विचारान भितरल्या भितर खचतालें, ताचें तोंड बाविल्लेवरीं जाल्लें.

एक दीस तांगेर शारदेची भयण बिना आयिल्ली. तिणें उमाक पळोवन उमेदीन म्हळें,

– उमा, ओडून काडिल्ले भशेन दिसता मगो तूं. गूड न्यूज काय कितें?

हीं फकाणां आयकून मुमुरखें जावन लजचे बदला उमाचो चेरो तिडकीन

विचीत्रसो जालो. ओठांतल्या ओठांत पुटपुटत तें भितर गेलें. बिनाच्या मनांत दुबावाची पाल चुकचुकली. भय़णीचो सभाव तें जाणां आसलें.

दोन दिसांनीच ताका भयणीचीं नाटकां कळ्ळीं. हातूंतल्यान आपणेच मार्ग काडूं जाय अशें ताका खरपणान दिसलें. रातभर ताणें विचार केलो. दुसरे दीस सकाळीं सगळीं चा पियेवंक बशिल्ले वेळार ताणें म्हळें,

– शारदा, आतां सून आयली म्हणटकच तूं मेकळें जालें. आमगेर चार दीस रावंक यो. आमी टुराक वचपाचो विचार करतात. तूंय यो आमचे बरोबर.

– आसूं गो तो टूर बीर. म्हज्यान आतां खंय जाता?

– माँ, अशें म्हणूं नाकात. चलात तुमी. मन फ्रेश जातलें तुमचें. दिपक सांग न्ही तूं माँक.

उमान उमेदीन म्हळें. दिपकानय आवयक आग्रो केलो. दोगांयल्याय तोंडावेली उमेद पळोवन बिनाक आपल्या निर्णयाची पावती मेळ्ळी. शारदेन खूब खळखळ केली. पूण सगळ्यांचो आग्रो पळोवन गळसाणिल्ले अवस्थेंत ती सामान बांदूक लागली.

♦♦♦

## 11.

# दुदावेली साय

– मम्मी, मामी, मम्मी.. बेगीन यो. खंय आसा गे?

– आगो येतां, येतां कित्याक आड्डता?

– धांवून धांवून यो पळोवंया.

– आगो तुजी मामी कंबरार हात दवरून उठ्ठा, येता म्हळ्यार जायतो वेळ आसा. म्हाका सांग पयलीं.

– ना हां मामा, तुका पयलीं सांगचें ना हांव. मामीक पयलीं.

– म्हणजे हांव कोण न्ही मगो? पयलीं मामीक सांगप. सांग सांग.

– मामा, अशें कितें रे, बेठोच रागार जायनाका हां. तुमी दोगांयनीय म्हाका घडयलां.

मामाच्या गळ्यांत हात घालून पुर्वीन म्हळें.

– मामा भाचयेचो मोग सोंपलो जाल्यार हांगा पळयात. हांव आयलां हांगा.

पुर्वी धांवत मामी म्हऱ्यांत आयलें. तिच्या दंडाक धरून गरगरीत घुंवडावंक लागलें. कसलीय खोश्येची गजाल घडली काय मामीक तें अशेंच घुंवडायतालें.

– आगो.. आगो.... राव मातशें, आतां जाण्टें जालां हांव अशें घुंवडावनाका. सगळो वेळ गिरगिरता मागीर म्हाका.

– आतां गिरगिरलें शिरशिरलें म्हणून कांयच भिवनाका. ही दोतोरीण तुजे सेवेक हाजीर आसा.

– आसूं, आसूं म्हणून म्हाका बरें ना जा म्हणटा. आतां सांग इतली आड्डी मारून म्हाका कित्याक आपयल्लें?

– दोगांय दोळे बंद करात. तोंड उगडात.

– आं, म्हणजे तूं.. पास..

पेडो खायत मामीन ताका वेंगेंत घेतलें. तिच्या दोळ्यांतल्यान खोश्येचीं दुकां गळटालीं.

– बाय म्हजें दोतोर जालें. कळ्ळें मूं.

– बाय म्हजें बाय दुदावेली साय, वोगी म्हणना ताका हांव. सपन खरें केलें बायेन.

– मामा, मामी, पायां पडटां. पयलें आयलां हांव गोल्ड मेडल मेळ्ळां म्हाका.

– वा, वा, वा! तुका गोल्ड मेडल मेळ्ळां मगो! शाब्बास आमचे तर्फे गाडी. कसली जाय ती सांग.

– मामा, पयलींच तुवें मेडिकलाचो सगळो खर्च...

– पुरो आं, पुरो. दोतोर जाला जायत तूं अजून शाणें जावूं ना. पयशांच्यो गजाली तुका लागनात. आमची इत्सा, आमी तुका बक्षीस दितलीं. आगो, आमकां कितें उतर दिल्लें याद आसा मगो.

– हय, मामी विसरूं ना हांव आनी केन्नाच विसरचें ना. म्हज्या इश्टिणींक लेगीत सांगलां हांवें.

– बाय, आतां मातसो मम्मीक फोन कर पळोवंया.

– च्ये मामा, नाका त्या वेळार नाका तें सांगू नाका. आज म्हाका हे खोश्येंत रावूं जाय.

– आगो, ती तुजी जल्मदात्री. ताकाय हुस्को आसा तुज्या रिझल्टाचो.

– आसूं मामी, सांजे पळोवंया. म्हज्यो इश्टिणी वाट पळयतलीं म्हजी.

– आगो पेडे तरी व्हर तांकां.

– तांकां असले पेडे नाकात मामा, तांकां पिझ्झा जाय म्हळां तांणी. येता मामा, येतां मामी.

तांकां हात दाखयत स्कुटर घेवन तें भायर सरलें.

– गेलें पळे, हरशी इतलें शाणे, समजिकायेचें, पूण आवयचें नांव काडलें काय ताचे गिरे गदळटात.

– कितलें समजायलें, फुसलायलें, खरी परिस्थिती सांगली तरी आवयवेलो राग कमी जायना.

– हय, पूण आमचेर ताचो भारी जीव. हेंच तरी समाधान.

मामा, मामीक आज धन्य धन्य दिसतालें. तांच्या कश्टांचें पुर्वीन चीज केल्लें. पुर्वीची हुशारकाय पळोवन तांणी ल्हान आसतनाच ताका दोतोर करपाचें थारायल्लें, तेंय बी गायनेक. मेडिकल कॉलेजींत वचचे पयलींच मामा मामीन ताचेकडल्यान गर्भजल परिक्षा करून केन्नाच चलयांचे गर्भ आसल्यार ॲबोर्शन करून काडून उडोवंचें ना' अशें उतर घेतलें.

आपली भाची.. न्हय धूव, धुवच बायलांचें दोतोर जाल्लें पळोवन दोगांकय मळब जिंकिल्ल्याची खोस जाली. तार्चीं जायत साकूनचीं सगळीं रूपां तांच्या दोळ्यांमुखार घुवंक लागलीं.

गिताक ह्या दिसांनी बरें दिसनासलें. तकली घुंविल्ल्यावरी जाताली. आळसायशी आयिल्ली. शिर्वीसेक वचन दिसनासलें. न्हिदन न्हिदन दिसतालें. घोवान ताका फोर्स करून कॉलनींतल्या दोतोरागेर पावयलें आनी तो ऑफिसांत गेलो.

दोतोरान मुताचो रिपोर्ट सांगले बरोबर गिताचे खोश्येक शीम मेर उरली ना. गीता गुरवार आसलें. घरा आयले बरोबर ताणें भावजेक पयलीं फोन केलो. सविताक आपलोच रिपोर्ट पोझीटिव्ह आयिल्लेवरी खोस जाली. फोनारच ताणें ताका कितल्योश्योच सुचना दिल्यो आनी याद जाता तसो फोन करता म्हणूनय सांगलें.

नितीन घरा आयलो आनी बायलेची नविदाद आयकून खोशी जालो. पूण ताणें रोखडेंच म्हळें.

– फाल्यांच वचून हांव दोतोराक मेळटा तर.

– फाल्यांच? नाका रे, दोतोर हांसतली. तिणें सांगिल्ल्यो सगळ्यो सुचना हांवें लक्षांत दवरल्यात. शिवाय भाभीन पळे सांगलां न्ही, आतां ती सदां फोन करत रावतली.

– हें गो, हांव त्यो सुचना बी विचारूंक वचना. गर्भजल परिक्षा केन्ना करूंक मेळटा तें विचारूं जाय म्हाका.

– शी, कितें उतावीळ रे तूं. णव म्हयंने वाट पळोवपाचोय थार ना तुका? बायू जावं, बाबू जावं, म्हाका कितेंय जाता. ताका कसलेंच व्यंग मात आसूं जायना.

– गीता, हांव कितें म्हणटा तें आयक, तुका कितेंय कोता येता आसत पूण

म्हाका बाबूच जाय.

– म्हळ्यार रे बायू आसल्यार?

– नाका आमकां, ॲबोर्शन करून उडोवप.

– नितीन ऽऽ कितें उलयता रे आं, शुध्दीर आसा मरे तूं?

– हय, सामको शुध्दीर आसा हांव. म्हाका अजिबात चली नाका.

गीताचें एक आयकनासतना नितीनान ताची गर्भजल परिक्षा करून पळयली. चली म्हणून कळ्ळे बरोबर वेळ व्हगडायनासतना ताणें ॲबोर्शन करून घेतलें. गीताच्या मनाची ताणें मात्तय पर्वा केली ना. कितलेच दीस भाभीचो फोन आयलो काय गीता कट करून उडयतालें. निमणें खरें कारण लिपोवन ताणें आपलें ॲबोर्शन जालें म्हणून कळयलें.

नंडेची खबर आयकून सविताक खूब वायट दिसलें. ताच्या लग्नाक पंदरा वर्सां जाल्लीं, तागेर अजून भुरगीं जावूं नासलीं. नंडेक रोखडोच गुरवाचार आयला म्हणून तें खोशी आसलें. ताच्या भुरग्यांचीं तें सपनां पळेतालें. तेंय सपन तुटिल्ल्यान ताका खूब वायट दिसलें.

दुसरे खेप गीतान भाभीक कांयच कळयलें ना. हेय खेपे चली म्हणून कळ्ळे बरोबर नितीनान ताचें ॲबोर्शन करून घेतलें.

नितीन पांच भयणींचो भाव. पांचय भयणींचीं लग्नां, बाळंतपणा हातूंत बापायचे कशे हाल जाल्ले ते ताणें ल्हानपणांतल्यान पळयल्लें. ताका लागून आपल्याक मनासारकें शिक्षण घेवंक मेळूं ना, जाय तशी शिर्वीस मेळूंना हाचीय ताका खंत आसली. आपल्यागेर कशीच चली जावंक दिवंचो ना हो निर्णय ताणें पयलींच घेतिल्लो. पूण भुरगें आपलें एकल्याचेंच न्हय, ताचेर बायलेचोय तितलोच अधिकार आसा हाचेर ताणें विचारच करूं नासलो.

तीन खेपे निर्दयपणान ताणें गीताचें ॲबोर्शन केलें. गीता रडलें, झगडलें, उपाशी रावलें पूण नितीनान ताचें कांयच आयकलें ना.

चवथे खेपे ताका दीस गेले तेन्ना ताणें जागच केलीना, तशी ताका आतां कसलीच उमेद नासली. तरीय खंय तरी आशेची कीट काळजांत लुकलुकताली. घोवाक कळोवप म्हळ्यार ताचो परिणाम कितें जातलो तें खबर आशिल्ल्यान ताणें हे खेपे जाग केली ना. दोतोरागेरय गेलें ना.

तेन्नाच सविता आनी घोव मुंबय गितागेर आठ दीस रावंक म्हणून आयिल्लीं.

गीताचें ओडिल्लें तोंड आनी गळगळिल्ली स्थिती पळोवन ताणें उमेदीन विचारलें, गीता नविदाद काय कितें गो? बरें जालें, हे खेप आमी आसात. तुका कांयच हालचाल करपाक दिवंचीं नांत. हांगा एका परस एक बरे दोतोर आसात. तुजें अशें ॲबोर्शन कित्याक जाता तें पळोवंया.

सविता खोश्येन उलयत आसलें, गीताच्या रडपाच्या आवाजान तें जाग्यार आयलें. नंडेक वेंगेंत घेवन पोशेत ताणें म्हळें,

– आसूं, आसूं, बाय रडूं नाका. फाटले तीन खेप कितें जालां तें जालां. हे खेप आमी आसात न्ही. रावतात आमी तुजे म्हऱ्यांत थोडे दीस. दोतोर कितें म्हणटा पळोवंया.

तशें गीता चडच रडपाक लागलें. ताणें रडत रडत सविताक खरी गजाल सांगली.

ताची गजाल आयकून सविता तटास जालें.

– म्हणून भाभी हे खेपे तीन म्हयने जाले तरी हांवें नितीनाक कांयच कळोवं ना. प्रत्येक खेप ताचेकडेन झगडीं केल्यांत हांवें. पूण आतां म्हाका झगडपाची तांक ना आनी हें काडून उडोवपाचीय तांक ना.

– ना, ना, आतां हांव तुका ॲबोर्शन करपाक दिवंचें ना. आमकां भुरगीं जाय म्हणून हांवें हांगा कितें कितें त्रास सोंसले. ऑपरेशन, लॅप्रोस्कोपी एक आनी दोन न्ही. सामके अत्याचार करून घेतले म्हजे कुडीचेर हांवें. तरीय म्हगेर भुरगीं जालीं ना. तुका आयतोच आयिल्लो गुरवाचार तुजो घोव व्हगडायता. चली जाल्यार कितें जालें. आयच्या काळांत चली जांव चलो जांव दोगांय सारकींच. ना, ना गीता हे खेपे हांव सांगतलें तुज्या घोवाक.

भाभीन म्हणिल्लें खरें केलें. पयलीं हळूच गीताक व्हरून दोतोराक दाखोवन हाडलें. हे खेपे तीन म्हयने जावन गेल्ल्यान ॲबोर्शन करूंक मेळना म्हूण दोतोरान सांगलें. सविताक तितलोच आदार दिसलो.

सवितान नितीनाक सगळें सांगलें आनी निमणें दोतोराचेंय मत सांगलें.

– जाणां नितीन, दोतोरान सांगलां आतां ॲबोर्शन करपाक मेळचें ना म्हणून. ते भायर गरजेभायर गर्भजल परिक्षा करपय योग्य न्ही खंय. घडये भुरग्याक दोश येवंक शकता खंय. कितेंय जांव आमी खोश्येन येवकार दिवया.

पूण नितीनान भाभीचें एकय उलोवणें कानामनार घेतलें ना. आपल्याक पयलीं

कळयलें ना म्हणूण गीताचेर खूब तापय काडली. सविताकय तो उणें – दुणें उलयलो. भाभीन आनी गीतान परत जाप काडली ना. भाभीचो सांगात मेळिल्ल्यान गीताक बरोच धीर आयिल्लो. हे खेपे आपल्याक भुरग्याचें तोंड पळोवंक मेळटलें हे खोश्येन घोवाचे त्रास ताणें सोंसपाचे थारायले.

म्हयनोभर नंडेगेर रावन नंडेक तरेकवार सुचना दिवन सविता आनी रमेश गोंयांत आयलीं.

सविता वतकच नितीन गीताक खूब सतोवंक लागलो. गुरवारपणाक लागून पयलींच ताका त्रास जाताले. तातूंत नितीन ताचो मानसीक छळ करतालो. सांगतलें कोणाक? फोनार भाभीकडेन कितलें मन मेकळें करतलें? ताचो घुस्मटमार जावंक लागलो. ताचें प्रेशर चडलें. दोतोरान ताका पुराय विसव घेवंक सांगलें.

सविताक ताच्या परिस्थितीची कल्पना आसली. देखून दोतोरान सुशेग घे म्हळां तेंच निमित्त करून ताणें ताका गोंयांत हाडचें थारायलें. वतना नितीनान ताका सांगलें, "चली जाल्यार हांगा येवपाची गरज ना. भावागेरच राव."

रमेश आनी सविता ताचें मन रमोवपाचे जायते यत्न करतालीं. ताचे इश्टिणींक आपयतालीं. गॅटटुगेदर करतालीं. पूण गीताक सगळ्याचोच वाज येतालो. ताच्या मनाक थाकाय मेळनासली. ताका प्रत्येक वेळार दिसतालें, "आज म्हजेबरोबर नितीन जाय आसलो.. तो आनी हांव ह्या भुरग्याकडेन उलयतलीं आसलीं.. ताच्यो हालचाली तोखेतलीं आसलीं.. ताच्या फुडाराच्यो गजाली करतलीं आसलीं.. पूण नितीन तूं चलो–चली ह्या घोळांत कित्याक घुस्पलो रे... म्हजें भुरगें ही भावना फातराक लेगीत विरघळायता म्हणटात. नितीन, तूं फातरापरसय घट रे? भुरगें जातकच ताका पळोवन तरी तुजें मन बदलतलें? येत काय तो म्हाका मेळूंक? आमच्या भुरग्याक पळोवंक.... काय खऱ्यांनीच चली जाल्यार...

अशे तरेच्या विचारांत तें घुस्पून वतालें. ताका लागून ताचें प्रेशर जाग्यार येय नासलें.

ताची अवतिकाय पळोवन आठव्या म्हयन्यारच दोतोरान ताका हॉस्पीटलांत एडमीट करूंक लायलें. दोतोरान सविताक आनी रमेशाक पयलींच सांगिल्लें.

– गीताक हांव कशेंय भशेन साल्वार करपाचो यत्न करतलो पूण.. भुरग्याची हांव खात्री दिवंक शकना. आवयचें प्रेशर वाडप म्हळ्यार भितर भुरग्याक मार बसता. गीताक मात हातुंतलें कांयच कळयनाकात.

दोतोराचे सांगणेन सविता आनी रमेश निर्शेलीं.

– रमेश म्हज्या हाताक यशच ना काय कितें? आमगेर एक जालें ना भुरगें, नंडेच्या भुरग्याक तरी...

– सविता पयलींच धीर सोडनाका, पूस ते दोळे. आमी पयलीं घट रावूं जाय, गीताक सांबाळपाचें आसा आमकां. ताचेर दोट्टी प्रसंग येतलो. तेंच बरें उरल्यार पुरो म्हणून मागया.

अडेचो हांसो तोंडार घेवन सविता आनी रमेश वावुरतालीं. पयलीं पयलीं रमेशान नितीनाक फोन केलो, पूण रमेशालो आवाज आयकले बरोबर तो फोन कट करतालो. तरीय रमेशान दोतोराली खबर ताच्या कानार घालीच.

आठवो म्हयनो लागून आठ दीस वतात थंय आसा एक दीस गर्भाची हालचाल मंदावली. दोतोरान रोखडेंच ऑपरेसांव केलें. चली जाली. दोगांय बरीं आशिल्लीं. तें पळोवन सविता आनी रमेशाक खोस जाली. नितीनाची प्रतिक्रिया खबर आसूनय रमेशान ताका फोन केलो. नितीनान खबर आयकून फोन शांतपणान कट केलो.

साबुध्दीर आयिल्ल्या गीताक सवितान इन्क्युबॅटरांत आशिल्लें तांबशें गोरशें बायू दाखयलें. गीतान हांसून बायूक पळयलें. खिणांत ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळूंक लागलीं. ताणें तोंड परतिलें.

गीता बाळंटेरांतल्यान बेगीन उठलें ना. पुर्वीचें सगळें सविता उमेदीन करतालें.

इतल्या बोवाळांत गीताची लीव सोंपली. ताणें दोतोराचें सर्टीफिकेट लावन एक वर्सभर पगाराशिवाय सुटी घेतली. दुदाचो वेळ सोडून हरशीं सगळो वेळ पुर्वी मामा-मामीकडेनच आसतालें. गीतापरस ताका तांचीच चड वळख जाल्ली. गीताकय तेंच बरें दिसतालें. पुर्वीक म्हऱ्यांत घेतल्यार ताका नितीनाची याद येताली. ताच्या कर्तुपांची याद येताली. ताणें दोन-चार वेळा फोन केल्लो. पूण नितीन एक उतरय ताचेकडेन उलयलो ना. फोन काडून दवरलो.

गीता ताचेर पुराय विटलें. लीव सोंपचे पयलींच घटस्फोटाची नोटीस ताणें धाडली. इश्टिणीक विनंती करून आपल्याक पेइंग गेस्ट म्हणून रावपाची वेवस्थाय ताणें करून घेतली. आतां तें मनान बरेंच घट जाल्लें.

ताचो बेत पळोवन सविताचो जीव वयर सकयल जातालो. पूर्वी दुसऱ्याचें भुरगें. एक दीस वतलें हें ताणें आपल्या मनाक समजायल्लें. पूण पूर्वी जायत साकून ताच्याच आंगा-खांदार वाडिल्लें. नंडेची वचपाची तयारी पळोवन ताचो जीव

वयर सकयल जावंक लागलो.

पूर्वीचो पयलो वाडदीस मामा मामीन थाटांत साजरो केलो. गीतानय उमेदीन वांटो घेतलो. गीताची उमेद पळोन सविता आनी रमेश खोशी जालीं.

आतां गीता उमेदीन आनी मायेन सगळ्यांकडेन वागतालें. पूर्वीक तर तें मात्तय पातयेनासलें. ताची सुटी सोंपपाक आयिल्ली.

एक दीस गीतान भाव भावजेक बसयलीं आनी पूर्वीक तांचे होटींत घालून म्हळें,

– भाभी तुजे जिद्दीक लागून पूर्वीन हो संवसार पळयलो. आतां हें तुमचेंच.

त्या दिसा तांचे होटींत पूर्वीक घालून गीता मुंबय गेलें. शिर्वीसेक. सवितान आनी रमेशान ताका आपले धुवेवरींच वाडयलें. पूण ताची आवय गीता हाचो ताका विसर पडूंक दिलो ना. तें केन्ना केन्नाय लाडान मामीक मम्मी म्हणटालें, पूण सवितान ताका रोखडेंच म्हणप, ''तुजी मम्मी मुंबय आसा.''

वय वाडटा तशें पूर्वीक मात आवयचो राग येतालो. 'आपल्याक मुंबय कित्याक व्हेलें ना आवयन, हो प्रस्न तें जायते फावट मामीक विचारतालें. सविता हांसून उडयतालें. पूण पूर्वीच्या मनांत मात आवयविशीं गांठ पडिल्ली. तें मामा-मामीक आपलो बापूय आनी आवय समजतालें. सविताक आनी रमेशाक हाचीच खंत जाताली.

– मामी, मामा हें कितें अजून अशींच बसून आसात. चला उठात. मामा, तुका पिझ्झा आवडटा न्हय. चल गरम गरम खावया.

♦♦♦

12.

# उशणी आवय

करिश्मा आनी कल्पिता, सुमनाच्यो दोन धुवो. दोगांयमदीं तीन वर्सांचें अंतर आसूनय दोगांय जुंवळीं कशीं दिसतालीं. करिश्मा दिसपाक सोबीत तशेंच बुध्दीनय तल्लख आसलें. सगळ्या कामाक तें हुशार आसलें. खेळ, अभिनय कित्यांत म्हणून ना. तें इनामां जिखून आयलें काय सुमती आनी अनंताच्या दोळ्यांत एकाच बरोबर खोश्येचीं आनी दुख्खाचीं दुकां गळटालीं.

कल्पिता कुडीन घसघशीत वाडिल्लें. पूण ताच्या बुध्दीची वाड जावूं नासली. पंचवीस वर्सां पिरायेचें चली तें, पूण ताची वागणूक मात ल्हान भुरग्यावरीं आसली. तशें तें आपलीं कामां संवयेन आपल्या आपूण करतालें. पूण अडेक ताका कितेंय सांगलें जाल्यार कळनासलें. आवयक रांदचेकुडींत कितेंय बारीक बारीक आदार करप, सान्न मारप, हॉल सजोवप अशीं संवकळ जाल्लीं कामां तें करतालें. पूण मनांतलें कितेंय उलयलें जाल्यार सरळ वाक्यां करून ताका उलोवंक कळनासलें. तुटक तुटक शें उलयतालें.

सुमनाक आनी अनंताक कल्पिताचो हुस्को जातालो. ताचो फुडार कितें? आमचें तर जाण्टेंपण.. ताची वाडटी पिराय.. करिश्माचो ताचेर जीव खरो.. पूण लग्न जातकच आपल्या संवसारांत रमतकच तें बायूक पळयतलें.. ताचो घोव आयकतलो? कितें जातलें बायूचें.. देवा हातुंतल्यान कितेंय तरी मार्ग दाखय देवा, दाखय.. आमचे दोळे धापचे पयलीं बायूची वेवस्था कर.

सुमन आनी अनंत देवाक सदांच होरायतालीं. तशें करिश्मा ल्हानपणांतल्यान ताचेर मोग करतालें. ताणें केन्नाच ताचो दुस्वास केलो ना. आवय बापायक तें

सदांच सांगतालें. हांव ताका केन्नाच अंतर दिवंचें ना. ताका सांबाळटलें, तुमी चिंता  करनाका.

विश्वेशान ताका मागणी घालतकच ताणें पयलीं ताका कल्पिताची सगळी खबर सांगली आनी म्हळें,

– आई  – बाबा फाटल्यान हांवेंच ताका सांबाळूं जाय, तुका मान्य आसा जाल्यार सांग.

– कांय हरकत ना करिश्मा, म्हाका तूं आवडलां म्हणटकच तुजीं मनशांय म्हाका आवडून घेवंकूच जाय. कल्पिताक हांव म्हजीच भयण म्हणून मानून घेतां.

करिश्मा लग्न जावन मुंबय गेलें. वतना विश्वेशान करिश्माच्या आई–बाबाक सांगलें,

– आई – बाबा आतां हांव तुमचो जावंय न्हय, पूत. कसलीय अडचण आसल्यार आमकां फोन करात.

ताच्या उतरांनी सुमतीक आनी अनंताक थाकाय आयली.

करिश्माच्या लग्नाक दोन वर्सां सोंपलीं तरी तांगेर पाळणें हाल्लें ना. सुमनाक आनी अनंताक नातरांचें तोंड पळोवपाची उमळशीक लागिल्ली. मुंबय फोन केल्ले वेळार तीं करिश्माक दोतोराक दाखोवपाविशीं, देवदेवस्पण करपाविशीं सुचयतालीं. प्रत्येक वेळार करिश्मा म्हणी, 'हां गे, ताकतीक कित्याक तुजी. आमी मातशीं लायफ् एन्जोय करतात.'

करिश्मा आवयक वयल्यान हांसून सांगतालें खरें पूण भितल्ल्यान ताकाय हुस्को जाल्लो, भंयाचो शिरशिरो मनांतल्यान येतालो आनी तें आकूळ–पिकूळ जातालें. लग्नाक एक वर्स जावनय भुरगीं जावूं ना म्हणटकीर तीं दोगांय दोतोरागेर गेल्लीं. दोगांकय सारकीं तपासून दोतोरान सांगलें, 'करिश्माच्या गर्भाशयाक दोश आशिल्ल्यान भुरगें रचूंक शकना.' इतलेंच न्हय दोतोरान तांकां भुरगें पोसूंक घेवपाचोय सल्लो दिल्लो. विश्वेशान रोखडीच तयारी दाखयली, पूण करिश्मा हो उपाय करूंक तयार नासलें. अशे तरेन भुरगें घेवप म्हळ्यार हांवेंच लोकांक दाखोवन दिवप, म्हगेर भुरगीं जावंचीं ना म्हणून... ना ना म्हाका हो उपाय नाका.'

अशे तरेन तें घोवाकडेन वाद घालतालें. विश्वेशान तो विशय आपले पुरतो सोंपयलो.

पूण करिश्मान तो विशय सोडूं नासलो. भुरगीं जावपाविशीं कितेंय बरोवन

आयलें काय तें पयलीं वाचतालें. त्या दिसा ताणें 'सरोगेट मदर' म्हळ्यार 'उश्णी आवय' ह्या विशयाचेर आयिल्लो लेख वाचलो. आपलो गर्भाशय भाड्यान दिवपी, दुसऱ्याचें भुरगें आपल्या गर्भाशयांत वाडोवन दिवपी बायलांविशीं खोलायेन म्हायिती तातूंत दिल्ली. दोन तीन खेपे करिश्मान तो लेख वाचलो. जे बायलेक आपल्यागेर भुरगें जावंक शकना हें कळटा ती घोवाचे मान्यतायेन गर्भाशय भाड्यान दिवपी बायलेकडेन आपल्या घोवाक संबंध दवरूंक लायता आनी भुरगें जायसर ते बायलेक सांबाळटा. भुरगें जातकर तिका थारायिल्ले पयशे दिवन धाडटा. हो उपाय जायते जाण आपणायतात अशेंय त्या लेखांत बरयिल्लें.

हो लेख वाचत पसून करिश्माच्या मनांत हो एकच विशय घोळटालो. ह्या विशयाचेर ताणें आनीकय म्हायती मेळयली. आपल्या मनाचो निश्चेव जातकच ताणें विश्वेशाक हेविशीं खबर सांगली. पयलीं पयलीं विश्वेशान वयले वयर ताची खबर आयकून घेतली. पूण 'आमीय हो उपाय केल्यार कसो' अशें करिश्मान म्हळ्या बरोबर तो उसळ्ळो. बरोच वेळ ताणें करिश्माचेर तापय काडली आनी निमणें म्हळें,

– करिश्मा, हो उपाय आमचे सारकिल्ल्यांक परवडपाचो न्हय, एक म्हळ्यार ते दुसरे बायलेबरोबर म्हज्यान कशें रावपा जायत?

– आरे, पूण...

– राव मदीं उलयनाका. प्रॅक्टीकली विचार कर. आमी मध्यमवर्गीय लोक, आमचेर धा जाणांच्यो नदरो, मागीर ते बायलेक णव म्हयने घेवन तूं खंय रावतलें. ती आपल्या घराच रावली तरीय आमकां तिच्या फाटल्यान नाचचें पडटलें. आमचें भुरगें आमकां मेळसर सांबाळचीच पडटली तिका.

– ताचोय विचार केला रे हांवें.

– आयक गो. कसलो विचार करतलें तूं? पयशे कितले लागतले जाणां तूं? तिचो बाळंत जायसर येता तो खर्च, हॉस्पिटलाचो खर्च शिवाय तिचें भाडें. आनी ह्यो गजाली कितें लिपून उरतल्यो? आनी ते बायलेन मागीर आमकां ब्लॅकमेल केलीं जाल्यार? छे...छे.. म्हज्यान चिंतूकूच नज, ते परस आमी एक भुरगें पोसूंक घेतिल्लें...

– पुरो विश्वेश, मुखार आनी उलयनाका. कसलेय गजालीक फाटे फोडपाची संवय तुका.

करिश्मान आपलेभितर फडफडून तो विशय तेन्ना सोंपयलो.

चवथ, दिवाळी आसली काय तीं गोंयांत येतालीं. हे खेपे दिवाळेक येतना चड दीस रावपाच्या बेतान तें आयिल्लें. तें आवयगेर येतकच एक दीस आवयन ताका म्हळें,

– जाणां मगो बाय, दिशीं दिशीं कल्पिताक सांबाळप आमकां कुस्तार वेतलेंशें दिसता. हालींसराक दादले मनशाक पळयतकच ताचे दोळे विचित्र जातात. रस्त्यावेल्यान येतल्या वतल्या दादल्यांचेरय ताचें चड लक्ष आसता. तांचेविशींच खबरो उलयता. टि.व्ही.चेरय मोगाचीं दृश्यां पळयलीं काय विचित्र हांसता, भंय दिसता गो बाय, हाचें हें वाडटें रूप आनी रिती तकली. आमी अशीं जाण्टीं, कितेंय नांवरूप करीना जाल्यार पुरो.

आवयची खबर आयकतां आयकतां करिश्माची तकली दुसरेच कडेन धांवताली. आवयलें उलोवप सोंपलें तरी तें कांयच उलयलें ना. ताचे दोळे मात भरिल्ले. तें पळोवन आवयन म्हळें,

– बाय, वायट दिसलें तुका? म्हणून फोनार कांयच सांगलें ना तुका, हांगा येतकच उलोवया म्हणून रावलें.

– आई हांव ताचोच विचार करतालें. आज हांव ताका दोतोरागेर व्हरून हाडटां. तसो प्रस्न कठीणच हो पूण एक तरी ल्हानसो उपाय जाता जाल्यार पळोवया.

– पूण दोतोरागेर शें?

– येतकर सगळें सांगतां आई.

सांजवेळचें तें कल्पिताक घेवन वळखीचे एके बायल दोतोरागेर गेलें. कल्पिताची सगळी गजाल ताणें दोतोराक सांगली आनी निमणे तागेर भुरगीं जावंक शकतात काय कितें तेंय पळोवंक सांगलें. दोतोरान ताच्यो सगळ्यो तपासण्यो केल्यो आनी ताच्या गर्भाशयाक भुरगें रचपाची तांक आसा म्हणून सांगलें. दोतोराचीं उतरां आयकून करिश्माक मनांतल्यान खोस जाली आनी दोळे भल्ले. तेन्नाच दोतोरान ताचेकडेन पळयलें आनी सांगलें,

– करिश्मा भिवनाका तूं. हाचेर उपाय आसा. आमी ताचें भुरगें ना जावपाचें एक ल्हानशें ऑपरेसांव करया. मागीर तुजे आईचो मातसो तरी हुस्को कमी जातलो.

मोठे उमेदीन करिश्मा कल्पिताक घेवन घरा आयलें. दोतोराचें मत ताणें

आवयक सांगलें आनी म्हळें,

– आई फुडले खेपे आमी गोंयांत येतलीं तेन्ना आमी हाचेर विचार करूंया हां. आतां तूं कांयच चिंता करूं नाका. हांव आनी विश्वेश पळेतात तें.

मुंबय येतकच रोखडेंच ताणें विश्वेशाक आपलो बेत सांगलो.

– जाणां विश्वेश, उश्णी आवय सोदून भुरगें मेळोवप हें खूब खर्चीक तशेंच कटकटीचें काम हें म्हाका पटलें. पूण...

– पटलें मगो, जांव, इतलो तेंप हो विशय तुज्या मनांत घोळटालो तर, आतां पूण–बीण सोदूंक वचूं नाका.

– तशें न्ही विश्वेश, आयकून घे पयलीं, हांव कितें म्हणटा जाणां, कांयच त्रास घेनासतना ह्या कानाची खबर त्या कानाक कळय नासतना जर आमकां उश्णी आवय मेळटा जाल्यार...

– कितें कोडयांत शें उलयता करिश्मा? एकेवटेन ह्या मार्गांतल्यो अडचणी पटल्यो म्हणटा आनी दुसरेवटेन कोणक कळयनासतना हो उपाय करूं येता म्हणटा.. कितें उलयता तूं ताचो अर्थ तुका तरी कळटा मगो?

– हय घुस्पतां खरें हांव, आमच्या कल्पिताची खबर तुका हांवें पयर सांगिल्ली. तागेर भुरगें जावंक शकता खंय, ताकाच आमी उश्णी आवय केली जाल्यार?

– करिश्मा ऽ करिश्मा तकली जाग्यार आसा मगो तुजी?

– राव विश्वेश ताप नाका, आयक पयलीं, कल्पिताक भुरगें थांबपाचें ऑपरेसांव करपाक म्हणून हांगा हाडूंया. ताका हरशीं कांयच समजना पूण दादल्या मनशाचें आकर्शण जालां. तें तुजेबरोबर सहज रमतलें. थोडो तेंप, तें गुरवार जायसर.

– शी ऽ शी ऽ करिश्मा, तूं तुज्या घोवाक भयणी बरोबर न्हिदतना पळयतलें? दुसरे बायलेकडेन चड वेळ आपलो घोव उलयल्लो लेगीत बायलांक आवडना. आनी तूं हांगा आपले भयणी बरोबर...

– हय विश्वेश, म्हाका तुजें भुरगें जाय. लोक परके बायलेक उश्णी आवय करून भुरगें मेळयतात खंय, थंय हांव म्हजेच भयणीकडल्यान आमच्याच रगता – मासाचें भुरगें मेळोवंक सोदतां. ते पासत कितेंय सोंसपाची म्हजी तयारी आसा.

– आगो पूण, त्या अर्भकाचो विचार केला तुवें, आज कल्पिताक कांयच समजना खरें, पूण फाल्यां कितेंय वायट घडलें जाल्यार आमचें मन आमकां खातलें.

– सगळ्योच फुडल्यो गजाली येवजून आज मेळटा ती संद व्हगडावनये आमी.

– फुडल्यो गजाली येवजिनाका म्हणटा तूं पूण, आई–बाबाचें कितें? तीं तयार जातलीं?

– हें...हें. आई–बाबाक कांयच कळोवपाचें ना.

– पूण ही गजाल कितें लिपून उरपाची.

– तें सगळें हांव पळयतां. तूं फकत हां म्हण.

जायते तरेन समजावन निमणे करिश्मान विश्वेशाक तयार केलो.

ताचो हयकार मेळटकच करिश्मा वेळ व्हगडायनासतना तयारेक लागलें. ताचे आवयचे पांय सुजताले. तिच्यान चड चलूंक जायनासलें. बडी घेवन ती घरांतल्या घरांत चलूंक शकताली. तिच्या ह्या दुयेंसाचो फायदो घेवन ताणें कल्पिताक व्हरून भुरगें ना जावपाचें ऑपरेसांव करून घेतां म्हणून आवयक सांगलें.

करिश्मा कल्पिताक घेवन मुंबय आयलें.

कल्पिताची पाळी चुकली आनी करिश्माचो हुस्को वाडलो. म्हयन्याचेर आठ दीस वतनाच ताणें ताका पयसुल्ल्या दोतोरागेर व्हेलें. ताचो अदमास खरो आसलो. कल्पिता गुरवार म्हूण कळ्ळ्या बरोबर करिश्माचे खोश्येक शीर–मेर उल्ली ना. ताणें दोतोरागेर नांव दितना करिश्मा विश्वेश कामत म्हणून घालें आनी एक प्रस्न सोडोयलो. दोतोरय वळखिचो नाशिल्ल्यान कसलीच अडचण आयलिना. कल्पिताची मानसीक स्थिती कशी आसा ताची जाणीव ताणें दोतोराक दिली आनी ताका कशें सांबाळपाचें तें विचारूनय घेतलें.

कल्पिताक दोन म्हयने जातनाच ताणें आवयक आपूण गुरवार म्हणून कळयलें. कल्पिताक आतां आपल्या आदाराक दवरतां म्हणूनय कळयलें.

इतले तेपान धूव गुरवार म्हणून कळटकीर ताचे आवयक खोस जाली. पूण धुवेची अर्थअपुरबाय करूंक आपल्याच्यान मुंबय वचूंक जायना हाचें तिका खूब वायट दिसलें. तातूंत आपली मंदबुध्दी धूव कल्पिता ताचे म्हऱ्यांत आसा हातूंतच तिणें समाधान मानून घेतलें.

कल्पिताक कितें जालां हाची ताणें मात्तय सुलूस लागूंक दिवूं नासली. 'तुका ओंकारे येतात न्ही म्हणून हें वखद दिलां. तुजे तकलेंत कितें जाता न्ही मातशें न्हिदून राव.' अशें सांगून तें ताका सांबाळटालें.

दिशी माशी वाडपी आपल्या पोटाचें कल्पिताक अजाप जाले. ताणें एक दीस भयणीक विचारलें.

– आगो, म्हज्या पोटाक कितें जालां? रोग बी न्ही मगो? तूं दोतोरागेर व्हरून व्हरून हाडटा म्हाका.

– ना, ना, वायेन फुलता पोट, आई सांगताली ती याद ना? म्हणून तुका दोतोरागेर व्हरतां, वखद दितां, हळू हळू बरें जातलें तूं हां.

अशे तरेन तें कल्पिताक समजायतालें. कल्पिताचें पोट वाडटा तशें तशें तें आपल्या पोटाक कपडो बांदतालें. ताणें कल्पिताचें नांव जशें पयसुल्ल्या हॉस्पिटलांत घातिल्लें तशेंच थंयच एक स म्हयन्यापासत फ्लॅट भाड्यान घेतिल्लो. ताका सात म्हयने जातनाच बाळंतपणाक गोंयांत वतां अशें शेजाऱ्या पाजाऱ्यांक सांगून तीं त्या फ्लॅटांत रावंक गेलीं.

णव म्हयने पुराय जाले आनी कल्पिताक सोबीत बायू जालें. कल्पिता गुंगेंतल्यान भायर येवंचे पयलीं करिश्मान बायूक दुसरे कडेन व्हरून दवरलें. ती वेवस्था ताणें पयलींच करून दवरिल्ली. कल्पिताक कितें जालें ताची ताणें मात्तय सुलूस लागूंक दिवूं नासली.

रिमा तीन म्हयन्याचें जातकच तीं आपल्या फ्लॅटांत आयलीं. इतलो तेंप करिश्माचें सगळें लक्ष कल्पिताचेर आसलें. रिमा जातकच तें ताचे अर्थ अपुरबायेंत रमून गेलें. आतां कल्पिताकडेन लक्ष दिवंक लेगीत ताचेकडेन वेळ नासलो. ताका लागून कल्पितांत जाल्लो बदल ताका मात्तय कळ्ळो ना.

कल्पिताची वासना जागी जाल्ली. तें विश्वेशाकडेन लगट करतालें. तो घरांत आयलो काय, कितें ना कितें निमित्त करून ताच्या फाटल्या फुडल्यान रावतालें. मुद्दाम ताचेर पडटालें. विश्वेशाची कुचंबणा जाताली. एक खेप रातचीं सगळीं न्हिदिल्लीं. इतल्यांत कल्पिता आपले सगळे कपडे काडून भयणीचे कुडींत आयलें आनी ताणें विश्वेशाचेर घालून घेतलें. ताका सावरतासर करिश्माक आनी विश्वेशाक नाका पुरो जालें. निमणे ताका फिटस् आयली. तेच रातीं विश्वेशान फाटल्या दिसांची ताची वागणूक करिश्माक सांगली.

दुसरे दिसा तांणी ताका दोतोराक दाखयलें. ताका हिस्टेरीयाचो झटको आयिल्लो. मागीर आत्रे-पयऱ्यान ताका अशें जावंक लागलें.

निमणे तांणी ताका गोंयांत पावोवपाचें थारायलें. रिमाक दाखोवंक हाड

म्हणून आई–बाबा केन्नाच्यान तांकां सांगतालीं. तेंच नीब करून तीं ताका गोंयांत घेवन आयलीं.

– भुरगें ना जावपाचें ऑपरेसांव करत साकून ताका अशे झटके येतात आई. दोतोराक दाखयल्लें आमी. हळू हळू निवळटलें म्हळां तें.

अशें सांगून करिश्मान आवयक फट माल्ली. विश्वेशाक चड दीस सुटी ना अशें नीब करून तीं रोखडीच मुंबय गेलीं.

हेवटेन कल्पिता रस्त्यावेल्यान येतल्या वतल्या दादल्यांक पळयलें काय पिशांतूर कशें जातालें. दिसांतल्यान एक दोन वेळा ताका झटकेय येताले. हळू हळू ताका झटके येवपाचें प्रमाण वाडलें. मागीर मागीर तें आंगावेले कपडे पिंजून उडोवंक लागलें. घरा भायरय धावंक लागलें. एक–दोन खेपे शेजाऱ्यांनी ताका धरून हाडलें आनी कुडींत बंद करून दवरलें. जाण्ट्या आवय–बापायच्यान ताची मस्ती सोसूंक जायनासली. तांणी करिश्माक फोनार सगळें कळयल्लें आनी गोंयांत येवपाचो आग्रो केल्लो.

करिश्माकय मनापासून दिसतालें, 'गोंयांत वचचें, आई–बाबाक धीर दिवंचो. कल्पिताक दोतोरागेर व्हरचें.' पूण ताचें दुसरें मन ताका आडायतालें.. 'विश्वेशाक पळोवन ताचें चड जालें जाल्यार.. आमकांच लागून ताची वाट लागल्या... आमकां भुरगें मेळ्ळें पूण... कल्पिताची वाट लागली.. आमी कितेंय पूण करूं जाय.. पूण कल्पिताक सट्ट करून त्या दिसांची याद आयली जाल्यार.. ताणें विश्वेशाक.. आसूं... आई.. बाबाक खरी खबर कळ्ळी जाल्यार... भोगूंच तें.. थंय वचप नाकाच... आईक कितेंय नीब सांगया.. पूण आई.. बाबाक हांवें फटयलीं. म्हज्या मनाक हांव फटोवंक शकना.... ना.... ना.. कितें केलें हांवें हें.. म्हज्या भोळ्या अर्दवट भयणीची हांवें वाट लायली.... अशे आरते–परते विचार ताच्या मनांत येताले आनी गोंयां वचपच नाका दिसतालें.

दिशीं दिशीं कल्पिताचीं पिशेपणां वाडूंक लागलीं. ताचो शेजाऱ्यांकय त्रास जावंक लागलो. तेन्ना तांणी ताका पिशां हॉस्पीटलांत घालपाक सांगलें. पूण आवय बापायक तें पट नासलें. तीं सांगतालीं,

– करिश्मा येतलें, विश्वेश येतलो. मागीर तांकां करूनी जायतें. विश्वेशान उतर दिलां आमकां, कल्पिताक सांबाळटलो म्हूण. तांकां कल्पिताचो खूब कळवळो. येतां म्हळां ताणें येतलींच तीं.

शेजारी तांकां फाटल्यान हांसतालीं.

– हांकांय म्हातारचळ लागलां... करिश्मा भोव येता हे पिशे भयणीक सांबाळपाक.

निमणे एक दीस शेजाऱ्यांनीच पिशा हॉस्पीटलांत फोन केलो.

♦♦♦

13.

# ममता

दारार बेल वाजत आसली. ‘कोण फाटल्यान वाग लागला काय?’ अशें म्हणत हात नॅपकिनाक पुसत रंजन भायर आयलें आनी नेटान दार उगडलें.

– भाभी... थोडा.... पानी दी.

खर्शेत धांपेत ममतान म्हळें. रंजनान सडसडीत भितर वचून उदकाचो ग्लास हाडून तिचेमुखार धरलो आनी म्हळें,

– कितें जालें ममता? वाग फाटल्यान लागला काय भूत पळयलें वाटेर?

– भूतच देखा भाभी, भूत. आनी धांवत धांवत हिंगा आयलीं...

ममता आपल्या सामानाचे पोटलेर बसून ओडणेन वारो घेत उलयताली. तिच्या दोळ्यांतलो भंय अजूनय कमी जावूं नासलो. तें घामान सामकें चिपचिपीत भिजिल्लें. तिची अवतिकाय पळोवन रंजनान तिका भितर हॉलांत फॅनाच्या वाऱ्याक बसयली आनी शेजान्नीच्या दाराची बेल माल्ली. दारांत कोणय सामान विकपी आयले जाल्यार तीं सगळीं शेजारी एक जावन घेतालीं. एकटीं आसल्यार केन्नाच दार उगडनासलीं.

ममता हरशीं तांचे संवकळीची इश्टीणच कशी जाल्ली. तरीपूण तिची अवतिकाय पळोवन रंजनान प्रियाच्या दाराची बेल वाजयली. प्रियान रोखडेंच दार उगडलें. ममता रंजनागेर बसल्या ती पळयली आनी चावी घेवन दार आड करून तें रंजनागेर आयलें.

– ममता आज कितें खास हाडलां. भितर बसून दाखोवपासारकें?

– आगो, कितें हाडलां म्हणून आपोवना ताका हांवें तें कितलें भियेलां पळे.

हुमेन भिजलां म्हणून फॅना वाऱ्याक बसोवंक हाडलां भितर.

ममता ओढणी तोंडार घेवन भितरले भितर रडटालें. प्रिया आनी रंजन काचाबूल कशीं जालीं. 'सदांच हांसत्या मुखान येवन फकाणां मस्कऱ्यो करून उलोवपी ममता आज भियेवन येता, म्हणसर रडटा कितें? तांकां कांयच कळना जालें. प्रिया ताच्या म्हऱ्यांत कदेल घेवन बसलें आनी मायेन ताका विचारलें.

– ममता कितें जालें तुजें? कोणें कितें म्हळें? काय धुवांची याद आयली. धाकटुल्या धुवांक इतले पयस कोलकोत्याक दवरून येवप म्हळ्यार दिव्यच कशें. म्हज्यान जाल्यार रावंक जावंचें नासलें बाये.

– प्रिया तिका उलोवंक दिनासतना तूंच उलयता. आगो ती धांवून आयिल्लेवरी खर्शेत धांपेत आयिल्ली. कोणागेर गेल्ली तूं ममता?

दोगांय प्रस्नार प्रस्न विचारतालीं. पूण ममता अजून सावरूं नासली.

ममता कोलकोत्यांतली. बंगाली विणीन विणिल्लें चादर, तुवाले, सोफासॅट, दिवाणसॅट अशा तरेच्या सामानान भरिल्ल्यो दोन व्हड पोतयो घेवन दारादारांनी फिरून ती माल विकताली. ममता मडगांवांत माल खपयताली. जायत्या जाणांगेर तिच्यो वळखी जाल्ल्यो. माल खपयसर तिका प्रत्येकाच्या दारांत अघळ-पघळ उलयत बसचें पडटालें. पूण ती मानान मर्यादेन सगळ्यांकडेन वागताली.

ममताचें विसाव्या वर्सार लग्न जाल्लें. तिचो घोव कदेलां विणून दिवपाक फिशाल आसलो. ह्या धंद्यात ताका पयशेय बरेच मेळटाले. वर्साभितर ममतागेर जुंवळ्यो चलयो जाल्यो. दुर्गा आनी काली. दोगांयचीय अर्थ अपुरबाय करपांतच तांचो वेळ सरतालो. तातूंतल्यानय वेळ काडून ममता उमेदीन चादर, तुवाले विणून, ते विकून संवसारक हातभार लायतालें.

आनी एक दीस ममताच्या संवसाराचेर जशी वीजच पडली. कदेलां विणपाक लागपी कॅन-वायर हाडपाक ताचो घोव बाजारांत गेल्लो. बाजार तसो तांकां व्हडलो पयस न्हय. विशेक मिनटांच्या वाटेर. ममताचो घोव चलतच बाजारांत वतालो. त्या दिसा वायरिचीं बंडलां खांदार दवरून चलत घरा येतालो. इतल्यांत... दोन गाडयांची टक्कर जाली, तांतली एक गाडी अशी घुंवली, नेमकी ममताच्या घोवाक मोखून मुखार गेली. ममताचो घोव शेंवटून पडलो. ताचें कानसूल लायटी खांब्याक आपटलें.

दोन म्हयने तो हॉस्पीटलांत उल्लो. ताचे दोनय कान फुटिल्ले आनी एक हात

लुळो जाल्लो. दुसऱ्या हाताचीय शक्त कमी जाल्ली. ताच्यान आतां कसलेंच काम करूंक जायनासलें. एक धडधाकट दादलो लुळो कसो जावन पडिल्लो. ताच्यान कदेलां विणपाक जाय नासल्यान तांचो धंदो बसलो.

आतां पयशांचो मोठो प्रस्न तांचेमुखार उबो रावलो. कितेंय जमोवन दवरिल्ले थोडे पयशे ताच्या वखदांचेर खर्च जाल्ले. ममताचो मांव एका दुकानाचें सामान हाडपा व्हरपाचें काम करतालो. ताच्या पगारांत स जाणांचीं पोटां भरनासलीं. ममता विणकाम करताली पूण तातूंत तिका व्हडलेशें कांयच मेळ नासलें.

ममताक लग्न जावन त्या घरांत आयिल्ल्याक ताणें केन्नाच मांवाक, घोवाक तापतना पळोवंक नासलें. एक प्रेमळ वातावरण तांच्या घरांत आसतालें. पूण अपंग जायत पसून ताचो घोव वोगीच तापतालो. मेळत त्या कामाक फडफडटलो. ताका लोक उलयतात तें आयकूंक येय नासलें. ताका लागून प्रत्येक जाण उलयता त्यो आपल्योच खबरो असो ताका दुबाव येतालो आनी तो वोगीच तिडकतालो. दुर्गा आनी काली केदी भुरगीं तीं पळयनासतना तांचेरय तिडकतालो. प्रपंचाचे चिंतेन ममताचो मांव बेजार जाल्लो. तोय फडफडटालो.

त्याच दिसांनी ममताच्या भावान एक खबर हाडली. बिमल बसू हो एक बिजनेसमॅन. गांवां गांवांतल्या बायलांनी विणिल्लो माल विकतो घेतालो आनी हेर राज्यांनी धाडटालो. ह्या धंद्यापासत तो चडशा बायलांक कामाक दवरतालो. ममताच्या भावाचो इश्ट विमल बसूगेर काम करतालो. ताणेंच ममताक ही शिर्वीस हाडिल्ली. त्या दिसांनी म्हाल घेवन एक पंगड गोंयांत वचपा आसलो.

तरण्याताट्या ममताक इतले पयस शिर्वीसेक धाडप घरांत कोणाकच मानवलें ना. तातूंत ल्हान चलयांक आनी अपंग घोवाक सोडून वचप ममताकय पुटवनासलें. पूण ताच्या भावान आनी खुद्द ताचे आवयन ताका तयार केलें. नातींची जबाबदारीय आपूण घेतां म्हणून सांगलें.

बिमल बसू जरी बायलांक कामाक घेतालो, तरी तितलेच जबाबदारेनय तांची राखण करतालो. तांच्या पंगडा वांगडा वचपी दादल्यांक मुखेल काम आसतालें तें वांगडच्या बायलांक सांबाळपाचें. ही सगळी खबर कळटकच ममताक तांणी शिर्वीसेक धाडली. बिमल बसूगेर पगार बरो मेळटालो शिवाय जितलो माल विकता ताचेर तांकां कमिशनय मेळटालें. आपल्या मोडक्या संवसाराक धिगी लावपाक जाय जाल्यार काळीज घट करूंक जाय हाची जाणीव ममताक आसली.

देखून धुवांचो मोग, संवसाराची ओड सगळें पेल्यान दवरून ती गोंयांत शिर्वीसेक आयली.

तांचो तीस जाणांचो पंगड गोंयांत आयिल्लो. मडगांव आनी पणजे अशे दोनकडेन विमल बसून फ्लॅट घेतिल्ले. पणजे मुखेल ऑफिस आसतालें. आठवडोभर म्हाल खपोवन आयतार दीस सगळीं पणजे जमतालीं आनी हिशेब करतालीं.

मडगांवच्या पंगडांत ममता काम करताली. वर्सांतल्यान दोन म्हयने तांकां दुर्गापुजेच्या निमतान सुटी मेळटाली. धाय म्हयने तीं त्या दोन म्हयन्याची वाट पळयत सारतालीं. दीस तांचो धंद्याच्या चिंतेत सरतालो. पूण रात घरच्यांच्या, भुरग्यांचे यादीन सरताली.

रडपाचो ओग मातसो कमी जातकच ममता बरेंच शांत जालें. ताणें रंजनाक विचारून बेसीना म्हऱ्यांत वोचून तोंडार पचपचीत उदक माल्लें आनी हॉलांत येवन जमनीर बसलें.

– ममता आतां सांग तूं वोदोळ अशी भियेवनशी धांवून कित्याक आयली? कितें जालें?

– कितें सांगू भाभी, आतां चार – पांच बरस जालीं पळय आमी हिंगा काम करतात. पण असो आदमी केन्नाच मेळ्ळो ना. तूं जाणां भाभी आमकां हांगा धाडटनाच शिकप मेळटा तें संभालून रावपाचें.

– हय गे बाये, घर–दार सोडून तुमी हांगा एकटीं रावतात. सामकें सांबाळून रावपाक जाय.

– खरेंच, आजकाल कोणाचेर विश्वास म्हणून दवरपाचो ना. पूण तुका कोण सापडलो?

– कितें सांगू भाभी...

ममता सदचेवरीं ते दीस माल विकूंक फिरताली. मारूती देवळाकडच्या ते बिल्डींगेंत तिका एकट्यागेर चादर घेवपाक आपयल्ली. वेगवेगळ्या विणीचे चादर आनी हेर सामान घेवन ती मोटे उमळशिकेन दोन मजले चडून वयर गेली. जिणे आपयल्ली ती बायल घरांत नासली. दुसरे शेजान्नीच्याय दाराचे गेटीक कुलप आसलें. निरास जावन ती सकयल देंवली. ह्या पयल्या मजल्यार सगळीं शिर्वीसेक वचपी, तेन्ना तांच्या दारार मारून उपयोग ना अशें येवजून ममता सकयल वचूंक दोन सपणां देंवल्या मात तेन्नाच पयल्या मजल्या वेल्या एका फ्लॅटाचें दार उगडलें.

एका दादल्यान तकली भायर काडून विचारलें,

– कितें हाडलां गे विकपाक.

ममतान पिशव्यो सकयल दवरीनासतनाच म्हळें,

– साब चादर आसा, सोफा कव्हर सॅट आसा, टेबलक्लॉथ आसा आनी टी.व्ही...

– आसूं आसूं चादर दाखय पळोवया.

दोन सपणां चडून ममतान दोनय पोटल्यो सकल दवरल्यो आनी खोश्येन आपल्या म्हालाची स्तुती करता करता चादर आशिल्ली पिशवी उगडली आनी दोन–चार चादर उगडून ताका दाखयले. तांतलो एक चादर हातांत घेवन खाटेर घालून पळयतां म्हणून सांगून तो बॅडरूमांत घेवन गेलो. सगळींच जाणां तिचो माल आपल्या वस्तूक घालून पळोवन पारखून घेतालीं. ताका पसंत पडल्यार पुरो अशें मनांतल्या मनांत देवाक होरायत ममता बशिल्ली. इतल्यांत भितरल्यान ताणें उलो माल्लो,

– आगे मात्सी हांगा यो, हो चादर म्हाका घालूंक येना.

ममता उमेदीन भितर गेली आनी चादर गादयेर घालू लागली. तेन्ना त्या दादल्यान हळूच बॅडरूमाचें दार बंद केलें आनी ओणोव घालून चादर सारकी करपी ममताक फाटल्यान घट्ट धल्लें. ममता सुटपाचो यत्न करताली तितलो तो तिका चडच घट धरतालो. तो तिका खाटीर आडवो करपाचो यत्न करतालो. तेन्नाच ममतान ताच्या सकयल्या भागार खोंट माल्ली. तो वळवळटा तीच संद धरून ममतान बॅडरूमाचें दार उगडून भायर आयली आनी परत दार धांपून खिळी घालून धांवली.

– आगे बाये, बरे कापास्तादीची तूं.

– म्हाका जाल्यार मारपाचें सुचचेंच नासलें.

– बाय वेळ येतकीच सगळें समजता. थंयच्यान तशीच म्हजो म्हाल घेवन धांवत हांगा आयली. तुमी ह्या खायमार घरा आसतात न्हू म्हणून.

– आनी तुजो तो चादर?

– गेलो बाय. चारशें रूपयांचो माजो चादर गेलो. पूण हांवेंन इज्जत बचयली. आतां म्हज्या कमिशनांतल्यन काडून घेतले पयशे.

– खरेंच ममता तुजी कालीमाताच पावली तुका. खूब सांबाळून रावूं जाय गो

तुमकां.

– हां भाभी, सगळ्यांकच सतर्क रावूं जाय आजच्या जमन्यांत. पोटाखातीर नौकरीची जरूरत आसता सगळ्यांक. जंगलांत वयतकच वाग-शींव मेळटलेच न्हू म्हणून सतर्क रावूं जाय आमी औरतांनी. बरें भाभी.

– मातसी बस ममता. इल्ली च्या घेवन वच. काळीज उखल्लां तुजें.

– आतां ठीक आसा हांव भाभी. पण बसतां हांव चावेक ना म्हणना.

आतां ममता सदच्या मुडार आयिल्ली. ती प्रियाकडेन गजाली मारूंक लागली.

♦♦♦

14.

# सवतीचीं भुरगीं

खंय पावली ही सुरय्या. हिका वेळ जावप म्हळ्यार म्हजें वेळापत्रक चुकता. जाणां हांव आज ती पयलीं सरदेसायागेर गेल्या. ती पाडपडिल्ली घराच आसता. तरी सुरय्याक ओडून पयलीं आपल्यागेर व्हरता. आज म्हाका ही लेटमार्क घेवपाक लायताच.

किरण एकेवटेन बडबडटालें आनी एकेवटेन सडसडीत जेवण करतालें. इतल्यांत दाराची बेल वाजली.

– आयली दिसता महाराणी, विजय मातशें दार काड बेगीन ना जाल्यार आनी पांच मिनटां वेळ करतली.

किरणान उलयतां उलयतां सुरय्याच्या ग्लासांत चा ओतली. सुरय्याक आयले बरोबर पयलीं चा जायच आसताली. 'भाभी, तुम्हारी चाय पडी नहीं तो मेरा इंजन इस्टार्ट नहीं होता।' अशें म्हणून ती पयलीं चा पियेवंक येताली.

आज सुरय्या चा पिवंक येवूं नासली. मान्यांत आयदनांचो आवाज येतालो. अजापान किरण मान्यांत गेलें, "कितें गे सुरय्या आज मौनव्रत काय हांव चाळवल्लें आसतलें म्हणून पयल्यान पयलीं तोंडांत उदका घोंट घेवन रावल्या."

भरिल्ल्या दोळ्यांनी सुरय्यान किरणाकडेन पळयलें आनी सुजून तांबडीच जाल्ली आपली जीब किरणाक दाखयली.

– ज...बा..न दुकती है, बा.. द... म में बो..लती।

कशीं बशीं दोन उतरां उलयतासर रडपाचे कड सुरय्याक आवरले ना. तें घुस्मटून रडपाक लागलें. किरणान ताच्या हातार उदक घालें आनी बळयांच ताका

घेवन रांदचेकुडींत आयलें. च्या चो ग्लास तिचेमुखार दवरलो. पूण सुरय्याक हून च्या पिवंक ये नासलो. ताचें तोंड सुजिल्लें. जिबेचो कुडको गेल्लो आनी जिबय सुजिल्ली. किरणान तिका बशी दिली.

– रातीय मार घालो मगे तुका त्या पाडपडिल्ल्यान. सुरय्यान दुकां पुशीत फाटीचे वळ दाखयले आनी तुटक्या उतरांनी म्हळें, “बद...न.. द...रद होता... हय।”

– मनीस न्ही तो, राकेस तो राकेस, असोच मारून मारून खातलो तुका. तरी ताचे म्हऱ्यांत तूं कशी रावता तुकाच खबर. ताका सोडून वच म्हळ्यार तेंय आयकना, तुका कांय पोसना तो. वेल्यान तुजेच पयशे मेळना म्हणून तुका मार घालता.

उलयतां उलयतां किरणान एक पेनकिलर गुळी तिच्या हातार दवरली.

– ही घे, सांजवेळां एक दितां. दोन दोन दिसांनी मार पडटा तुका. आंग दुखता म्हणून आत्रेपयऱ्यान घरा रावल्यार कशें जातलें तुजें? असल्यांनी कोण दवरतलो तुका कामाक. तुवें काम केलें ना जाल्यार तुमी पांच जाणां उपाशी पडटलीं.

सुरय्या किरणागेर फाटलीं चार वर्सां साकून काम करता. सांगिल्लीं कामां मुकाट्यांनी करपी आनी विश्वासू बायल. हात उखलून दिल्या शिवाय एक वस्त केन्ना काडून व्हेली ना. पगाराचे पयशे लेगीत निखटे ओट्यार दवरल्यार केन्ना व्हरनासली. ओढणेक बांदून दवर म्हणून याद करची पडटाली. कांय जाणां विश्वासान ताचेकडेन घराची चावी लेगीत दवरतालीं.

सुरय्या बेळगांव पेल्यान आशिल्ल्या नंदनगड गांवातली. गांव सामकें खेडें. शेतांत–मळ्यांत काम करून थोडे कितें पयशे मेळटाले तातूंत एक वेळ तरी पोट भरपाचो यत्न करतालें. कांय जाण बेळगांवां नातर लागशिल्ल्या शारांनी कामाक वताले. जायतेजाण कॉन्ट्रेक्टरावांगडा बिल्डींगेच्या कामाक गोंयांत येताले. उपरांत गोंयांतच स्थायीक जाताले. गोंय म्हळ्यार तांकां आखाती राज्यांत गेल्लेवरी. थंयच्या मानान भरपूर जोड.

गोंयांत भुरगो काम करता हें सर्टीफिकेट लग्नाच्या बाजारांत चलयेकाराच्या बापायक पुरो जातालें. चलयांचे आवय–बापूय फाटलो फुडलो विचार करनासतना, भुरग्याची नीट चवकशी करनासतना चलयेचें लग्न करून दिताले.

मलीक गोंयांत येवन दोन तीन वर्सां जाल्लीं. वर्सांतल्यान एक फावट तो

अम्मी-अब्बाक मेळूंक नंदनगड वतालो. वतना कपडे, पयशे, खाणां व्हरतालो. तो गांवांत पावलो काय चलयांच्या बापायच्यो तांगेर फावटी सुरू जाताल्यो. मागीर ताची आवय ताका शादी कर म्हणून फाटल्यान लागताली. त्या वर्सा अम्मीन हटच धरलो, "मरनेके पहले बहुका मूँह दिखा देरे मुझे। तूं अगली बार आयेगा तो मैं रहनारी की नयी अल्लाच जाने।"

आवयन निखटोच हट धरूं नासलो. तिणें एक चलीय पळोवन दवरिल्ली. मलीक हे खेपे रोखडेच तयार जालो. मलीकाचो हयकार घेतकीर अम्मीन रोखडीच शादीची तयारी केली. आठ दिसां भितर तिणें मलीक आनी सुरय्याचें लग्न केलें.

गोंयांत रावपी मरद मेळ्ळा म्हणून सुरय्या खोश्येन फुलिल्लें. ताच्यो कांय इश्टिणी लग्न जावन गोंयांत गेल्ल्यो. गोंयच्यो खबरी तांचेकडल्यान ताणें आयकल्ल्यो. ते भायर मांय-मांव नणंद हांची कटकट नासतना घोवाबरोबर एकटेंच रावप ह्या विचारान तें फुलिल्लें.

आठ दिसांनी मलीक ताका घेवन मडगांवां आयलो. एके खोपी मुखावेल्या इल्ल्याश्या आंगणांत दोन तीन भुरगीं खेळटालीं. तेच खोपी मुखार तीं वचून उबीं रावलीं. इतल्यान भितरल्यान आवाज आयलो,

– रूको जी वहींच। अंदर मत आना।

सुरय्यान अजापान घोवाक पळयलें. मागीर खोपींत पळयलें. एक बायल एका हातांत तांबयो आनी दुसऱ्या हातांत आलिमनाच्या ताटलेंत नाल्ल आनी तार्ती दवरून घेवन हांसत येताली. तिणें तांबयांतल्या उदकान तांचे पांय धुले आनी दोळ्यांक उदक लायलें. तार्ती तांचें भोंवतणी उंवाळून उडयलें. उपरांत नाल्लान तांकां ओवाळ्ळीं आनी नाल्ल फोडलो. मागीर सुरय्याच्या हाताक धरून तिका भितर घेतली आनी हांसून सलिमाक म्हळें,

– आखीर लेके आये ना मेरे सौतनको ?

– हां तो? तुम्हारे बच्चे जो पालने हैं। जा, जा फटाफट चाय बना।

पयलेच खेपे इतलो प्रवास केल्ल्यान पयलींच सुरय्याची तकली घुंवताली तातूंत सौतन हें उतर आयकून ताका धक्कोच बसलो. रडपाचो उमाळो ताका सारना जालो. ओढणी तोंडार घेवन तें हळूच भितरले भितर रडपाक लागलें.

इतल्यान व्हडली चली धांवत भितर गेली. तिणें फातिमाक विचारलें.

– ये कौन है अम्मी?

– ये तुम्हारी नयी अम्मी है।

धाकटी चली भायर सुरय्या म्हऱ्यांतच आशिल्ली. तिणें आवयचें उलोवणें आयकलें आनी पोल्यार हात दवरून विचारलें, ''सच्ची गे, तुमी हमाली नयी अम्मी हयी?''

रडकुऱ्या दोळ्यांनी सुरय्यान हांसत उबें आशिल्ल्या सकिनाक पळयलें आनी खिणांत सुरय्या आपलें दुख्ख विसरलें. ताणें हांसून मानेनच हय म्हळें आनी हात मुखार केले. सकिना ताच्या वेंगेंत रिगलें. त्या खिणाक सुरय्याक चिकटल्लें नयी अम्मीचें पद ताणें बरे तरेन सांबाळ्ळें. सवतीच्या भुरग्यांखातीरच ताणें आपली जीण झरयली.

सलिकान गोंयांत आयले बरोबर आपले परस व्हड विधवा फातिमाकडेन लग्न केल्लें. तिका पयल्या घोवाच्यो दोन चलयो आनी एक चलो आसलो. पूण ही गजाल ताणें गांवघरा कोणाकच कळोवं नासली. ताचे आवय-बापूय ही शादी कशीच मानून घेवचे नासले हें ताका खबर आसलें. तीं ताका सोमतोच तलाक घेवंक लायतले आसले. पूण सलिम फातिमाक कसोच सोडूंक तयार नासलो. ताच्या पयल्या घोवाचो दुडू फातिमाकडेन आसलो. तिच्या खुस्तार ताचें सोऱ्याचें आनी खेळपाचें वेंसन बरे भशेन चलतालें.

फाटले स म्हयने फातिमा बरी नासली. तिका व्हाळणी लागिल्ली. सरकारी ऑस्पितलांत वचून ती वखदां घेताली. वखद घेतासर रगत आडावतालें. वखद बंद करतकच परत आंगार जातालें.

फातिमाक आपलो रोग सादो न्ही म्हणपाचो दुबाव आयिल्लो. आपल्या फाटल्यान आपल्या भुरग्यांचें कशें ही चिंता ताका खाताली. तेच खातीर तें सलिमा फाटल्यान लागिल्लें, ''तुम्ही दुसरी शादी बनाव।''

सलीम सुरय्याक घेवन येतकच फातिमाची अर्द चिंता सोंपिल्ली. आपल्या भुरग्यांक तें जीव करता तें पळोवन ताका खोस जाली. सुरय्याक हाडले उपरांत वर्सभर फातिमा उल्लें. आपली व्हडली भयण जाल्ले वरी सुरय्यान ताची सेवा केली.

फातिमा गेलें. वर्साभितर ताचे पयशे सलीमान आपल्या व्यसनापासत व्हगडायले. आतां घरांत खावपा जेवपाचे हाल सुरू जाले. आपलो पगार जालो काय घरांत थोडें सामान हाडून उडोवप, मागीर उरिल्ले पयशे आपल्या वेंसनांत

घालपाक सलीम मेकळो जातालो.

भुरग्यांचे हाल सुरय्याच्यान पळोवंक जाय नासले. ताणें चार घरांनी वावर धरलो. पयशेय मेळटाले आनी उरिल्लें सुरिल्लें अन्न, पोन्ने कपडेय मेळटाले. तितल्यार तें कशें तरी भागोवचो यत्न करतालें. पूण सुरय्या वावर करता तें पळोवन सलीमान घरांत कितेंय हाडपाचेंय बंद केलें. भुरग्यांखातीर तरी कितेंय हाड म्हणून सुरय्या ताचे फाटीक लागतालें.

पूण फातिमाच्या भुरग्यांक ताणें केन्नाच आपलीं मानूं नासलीं. फातिमा जितें आसलें तेन्ना ताच्या पयशांक पळोवन वयलेचांराक तो तांची माया करतालो. आतां फातिमाय नासलें आनी ताचो पयसोय. घरा आसल्यार तो तांचेर किळचतालो.

– ये हरामीके बच्चे मेरे सरपे छोडकर गयी। और ये रांड सौतनके बच्चोंको पालती। मेरेकू एक पैसा मांगा तो नहीं बोलती। रूक तुझे सिखाता हूं, ये बच्चे बेच डाले नहीं तो देख।

ताचीं उतरां आयकून सुरय्या भुरग्यांक वेंगेंत घेवन वोगी बसतालें. तो खऱ्यांनीच तांकां व्हरून खंयी विकपाक फटीं ना हाचोय ताका भंय दिसतालो. तशें पळयल्यार सुरय्याचीं तीं कोणच लागनासलीं. सवतीच्या पयल्या घोवाचीं भुरगीं. पूण ताका तांची माया लागिल्ली. तांचे पासत तें घोवालीं उलोवणी खातालें पूण तांकां हात लावंक दियनासलें. आपल्याच्यान जाता तशें तांकां आपूण वाडयतलें असो ताणें निश्चेवच केल्लो.

अमिना आनी सकिनाक ताणें सरकारी शाळेंत घाल्लीं. धाकटो रशीद बालवाडींत वतालो. बारीक सारीक म्हळ्यार खर्चाचें प्रमाण खूब वाडिल्लें. सुरय्या सांज सकाळ वावराक वतालें. वावराचो सगळो पयसो ते घरांत हाडनासलें. आपल्याक कितें मेळटा ताची सुलूस ताणें सलीमाक लावूं नासली. पगार मेळ्ळो काय तें थोडे पयशे किरणाकडेन दितालें. गरजेक जाय तेन्ना इल्ले इल्ले घेतालें.

बिल्डींगेच्या वावराक वचून मेळिल्ले पयशे सलीम आपल्या वेंसनाक वगडायतालो. आतां सोऱ्यान ताचो घात घेवंक सुरवात केल्ली. तो मदीं मदीं बरो ना जातालो. ताका अशक्तपणां आयिल्लीं. आतां ताच्यान पयलींवरीं बिल्डीगेचीं कामां जायनासलीं. तो आठ आठ दीस घरांतच रावतालो. आपली जोड ताणें केन्ना भुरग्याक दिली ना. पूण आपलें वेंसन भागोवंक सुरय्याकडेन पयशे मागतालो.

सुरय्या केन्ना केन्नाय दितालें. पूण ताका ताचो राग येतालो. मागीर तें बडबडत पयशे दितालें.

हांगाच्यान सुरय्याचे दैनेक आनी भरती आयली. ताणें पयशे दिवंक कां कूं केलें काय तो सोरो पियेवन येवन ताका मारतालो. भुरगीं ताका सोडोवंक गेल्यार तांकांय मार पडटालो.

– हरामी, ये रांड तुम्हारे वास्ते पयसा खर्च करती, मुझे नहीं बोलती, चल अब तुम्हेंच मारके उडाता, फिर देखता हूं ये रांड क्या करती पयसा।

अशें म्हणत तो तांकां मारत रावतालो. भुरग्यांक मार पडूं नये म्हणून तें भुरग्यांचेर घालून घेतालें. सगळो मार आपूण खातालें.

हालीं आत्रेपयऱ्यान सुरय्याक मार पडटालो. सुरय्या केन्नाच ताका प्रतिकार करनासलें. सुजिल्ल्या दुखऱ्या आंगान तें कामाक वतालें. कोण ताका बाम लायतालो, कोण ताका दूक काडपाच्यो गुळयो दितालो. सगळ्यांकूच ताचे चुरचुरे दिसताले. थोडीं ताका घोवाक सोडून वचपाचो सल्लो दितालीं, कोण ताका सांगतालीं, 'घोवाक पयशे दिवं नाका, मारूं आयल्यार आडाय.' किरण तर सांगतालें, "तुवें ताका आडावं जाय, परत मारूं जाय, जाल्यार तो तुका मारचो ना."

– क्या भाभी, मरद है वो मेरा. मैं कैसी मारती उन्हाकू? खुदाको क्या जवाब दुंगी?

– वा रे वा तुवें हात उबारल्यार खुदाक जाप दिवंची पडटा आनी तो तुका मारता तो? ताका अल्ला कांय करपार ना? सगळी न्याय नीत तुकाच लागता?

सुरय्या सकल मान घालून सगळें आयकतालें.

बँकेंतल्यान येतना किरण सुरय्याविशींच येवजितालें. आज ताणें आनी ताच्या शेजान्नीन उमान थारायल्लें, 'तांच्या वळखीच्या एका पोलिसाक हाडून सुरय्याच्या घोवाक धपकावप, मातसो भेश्टावप, म्हणटकीर तो ताका परत हात लावंचो ना.'

सुरय्या सांजवेळां उरिल्लो वावर करपाक सदचेभशेन परत किरणागेर आयली. सुरय्या येवचे पयलींच किरणान उमाक आनी दुसरे एके शेजान्नीक आपोवन हाडिल्ली. ताणीं केल्लो बेत पयलीं सुरय्याक समजांव जाय आसलो.

सुरय्या भितर आयली. तिच्या तोंडावेली सूज मातशी कमी जाल्ली. शेजान्नी किरणा म्हऱ्यांत बसून उलयतात तें पळोवन तिणें म्हळें,

– आज क्या है भाभी?

– आज मगे एक खास बात आसा. तुज्या घोवाक जाग्यार हाडपा थारायलां आमी. उमान हांसत म्हळें.

– अब उसकी जरूरत नहीं पडनारी।

– कित्याक गो बाये? तुवें तलाक घेतलो घोवाकडेन काय मिलाग्र बी जाल्या तुमगेर?

– तशी कितेंय मिलाग्र जाल्यारच तो मारनासतना रावत, निर्लज्य खंयचो.

– नहीं रे भाभी, कल मैने तुम्ही बोलती थी नहीं वैसाच किया। दांडा लेके पिछे पडी।

– आं! खरेंच। हें अजाप घडलें कशें?

– क्या करूं भाभी? और कोई उपायच नहीं था। अशें म्हणून तें घसघशीत रडपाक लागलें.

सुरय्याची व्हडली धूव अमिना बारा वर्सांचें. पूण दिसतालें घसघशीत. सलीमाचो एक इश्ट आसलो. तो त्या वाड्यावयल्या चलयांक शिर्वीस दिता म्हणून व्हरून शिंदळकेचो वेवसाय करपी दलालाक व्हरून विकतालो. ताका बरेंच कमिशन मेळटालें. ताणें सलीमाकडेन अमिनाक व्हरपाक सौदो केल्लो. सलीमाक पयशांची भूल पडिल्ली. आज तो सुरय्याक फुसलावपाक आयिल्लो. पूण हाचे पयलीं त्या वाड्यावेल्या चलयांक व्हेल्लीं तीं परत येवूं नासलीं. तांचेविशीं लोक कितें वायट उलयताले तें सुरय्याक खबर आसली. सुरय्या रोखडेंच सादूर जालें. ताणें अमिनाक धाडपाक स्पश्ट न्हयकार दिलो. ते पासत सलीमान ताका भरपूर मार घालो.

पयलीं पयलीं ताणें मार खालो. पूण जेन्ना सलीमान 'कसोय तरी चलयेक व्हरतलोच' म्हणपाची धमकी दिली तेन्ना मात सुरय्या मदली आवय खुबली. "मेरे बेटीको हात लगाके देख, तेरा हातच मोडणारी मैं।" अशें म्हणून ताणें सोमतोच कोनशाचो दाणो घेतलो आनी सलीमाक मारूं लागलें.

सुरय्याचो अवतार पळोवन सलीम वोग्गी रावलो.

– अब समझी मैं भाभी, हात में दंडा नहीं लिया तो ये हरामी मेरी बच्चीयाँ बेचनारा, उपरसे मुझे भी धंदेको लगायेगा। अब मैं चूप नहीं रहनारी।

– शाब्बास सुरय्या ! बरेंच केलें तुवें.

– आगे पूण आतां चलयांक खंय दवरल्यांत? ना जाल्यार तो...

– हां भाभी जानती हूँ  ये हरामी मेरे पिछे कुछ भी करनारा। इसी वास्ते बच्चीयोंको सिखाकर खालाके यहाँ छोड आयी हूँ।

इतलें सांगून सुरय्या ओढणेक गांठ मारून रांदचेकुडींत गेली.

♦♦♦

15.

# दायज

**आई**, आई, पळे म्हाका पयलें इनाम मेळ्ळां. 'पर्यावरणाचो सांबाळ' ह्या म्हज्या निबंधाक राज्य पातळेर इनाम मेळ्ळां. आतां म्हजो निबंध दिल्लीक धाडटले. अखिल भारतीय निबंध सर्तीक.

– आरे, आरे, ताळ्याक जीब लायनासतना उलयता मरे तूं. सारकें सांग पळोवंया तुका कित्यांत इनाम मेळ्ळां?

– आई म्हज्या 'पर्यावरणाचो सांबाळ' ह्या निबंधाक पयलें इनाम मेळ्ळां.

– आं, शेवट तुकाय ह्यो भिकारभासो येवजल्यो. तुज्या बापायन ताच्याच फाटल्यान लागून संवसार व्हगडायलो, भिकेक पावयलीं आमकां.

– आई कितें उलयता गे तूं? म्हज्या निबंधाक इनाम मेळ्ळां म्हणटा हांव, म्हजो निबंध दिल्लीक धाडटात. सदचेवरीं खोश्येन म्हाका वेंगेंत घेवपा सोडून तूं कितें उलयता?

– तुका सांगिल्लें मरे हांवें, कसल्याय सर्तीनी वांटो घे. तुका फावो तो आदार हांव करतां. पूण... पूण हे बरोवपाचे धंदे आमकां नाकात. तातूंत तूं केन्नाच वांटो घेवंचो ना म्हणिल्लें तुका.

– पूण आई, शाळेंत आसतना साकून म्हज्या निबंधांक काणयांक इनामां मेळटात. तुका आवडना म्हणून हांव सांग नासलों. हांगां कॉलेजांतय इतल्या भुरग्यांमदल्यान म्हजो निबंध वेंचून काडलो, तालुका पातळेर इनाम मेळ्ळें म्हूण तो राज्य पातळेर धाडलो. थंय लेगीत हांव पयलों आयलो. देखून तांणीच तो दिल्ली धाडला. हांवें कांयच करूं ना.

– तशें न्हय रे शाण्या, तूं हे बरोवपाचे धंदेच करूं नाका म्हण्टा हांव.

– कित्याक आई? म्हाका बरोवपाक खूब आवडटा. म्हज्या बरोवपाची टिचरी तोखणाय करतात.

– हेंच तें, ह्याच खातीर तुजें बरोवप म्हाका नाका. आज टिचरी तोखणाय करतात, फाल्यां लोक करतले, मागीर तुका बरोवपाचें वेंसन लागतलें. मागीर तूं आनी कांयच करचोना आनी आनी परत नाका म्हाका तें वेंसन. ह्याच वेंसनान तुज्या बापायन म्हज्या संवसाराची वाट लायली.

– म्हणजे आई, बाबाय बरयतालो?

– छे, छे, रागान कितेंय उलयलें हांव, सोड खबर, चल पळोवंया मातसो, दुकानार वचूंक वेळ जाता म्हाका.

आनी आनी आपल्या तोंडांतल्यान कांयच भायर सरूं नये म्हूण मंगल बेगीबेगीन भितर गेलें.

मंगलाचें मन विचारांच्या भोंवऱ्यांत गरगरूंक लागलें... हांवें भुरग्यांक केन्नाच तांच्या बापायविशीं सांगलें ना. ते बरयताले तें बरप म्हाका दोळ्यांमुखार नाका म्हणून सगळें एका ट्रंकांत घालून तो हांवें माळ्यार उडयला. तरी हो संजय शाळेंतल्यान बरयतालो खंय... इनामाय मेळटात ताका. ताच्या शिक्षकांनीच ताची वाट लायल्या. मातशें कितेंय बरयल्यार माथ्यार घेतात ताका. असल्यांनी बापायच्याच मार्गान वतलो तो. मागीर संवसाराचें पाड. दिसपट्टो गिरास मेळयतलीं जाल्यार कश्ट करूं जाय. हांव घट म्हणून म्हजो संवसार जालो. हो पोर.. भोगूं तें..

विचाराचीं जळमटां फाफडून मंगल दुकानार गेलें.

मंगलाचें लग्न सुरेशाकडेन जाल्लें तेन्ना तांचो एक पसरो आसलो. सुरेशाचें लक्ष पसऱ्या परस बरोवप वाचप हाचेर चड. ताचो बापूय आसासर पसऱ्याचो भार बापायन घेतलो. सुरेश वयलीं वयलीं कामां करतालो. पूण धंदो समजून घेतलो ना. बापूय मरतकीर पसऱ्याचो भार ताचेर आयलो, पसरो टामटीम चलतालो. आशीकुशीक आनी पसरे जाल्ले. काल पयर घाल्ले ल्हान ल्हान पसरे लेगीत व्हडलीं दुकानां जाल्लीं. गिरायक वोडून घेवपाक दर एकलो सर्तींत देंविल्लो. पूण रीण घेवन पसरो वाडोवंचो, आपणेय सर्तींत देंवचें हाचो धीर सुरेशाक जायनासलो.

तो आपल्या वेगळ्याच जगांत जगतालो. ताचें लक्ष भोंवतणच्या संवसारापरस साहित्याचेर आशिल्लें. कथा, कविता बरोवप, त्यो दिसाळ्यांनी धाडप हातूंत तो

चड घुस्पतालो. मंगलाक नेमकें हेंच आवडनसलें. तें ताका कड्डीतालें.

पयलीं दुकान सांबाळ, भरपूर जोड, भुरग्यांचो फुडार सुगूर कर मागीर साहित्य – बिहित्य पळय. तुज्या साहित्यान पोट भरचें ना. वेल्यान पेपराक आनी स्टेंपांक पयशे खर्चतात. ते परस धंदो वाडय.

पूण बायलेचीं उलोवणी तो काना मनार घेय नासलो. इतले मजगतीं देड दोन वर्साच्या अंतरान तांगेर तीन भुरगीं जालीं. मंगल तांचें खाण, जेवण, दुयेंस हातूंत घुस्पून उल्लें. हेवट्यान पसऱ्याचे तीन तेरा जाले. सुरेशाक व्यापार केन्ना जमलो ना. घरांतलीं खातलीं तोंडां वाडलीं. आयिल्ले पयशे घरांत मोडचे पडटाले. पयलींचीं बिलां उरिल्ल्यान नवो माल ताका व्यापारी दिना जाले. सुरवेक मंगलान आपलें भांगर दिलें.. कशेंय करून दुकान सांबाळ. तें गेल्यार आमचें जगपाचें साद वतलें... मंगलान उबगून ताका सांगलें. पूण हाडिल्लो माल विकून पयसो उबो करप, धंदो वाडोवप ताका जमलें ना.

त्याच वेळार ताच्या साहित्याक चंवर आयिल्लो. कथा सर्तींनी ताका इनामां मेळटालीं. सगळेकडेन ताच्या साहित्याची तोखणाय जाताली. वेपाराच्या मळार रिणांत बुडत वचपी सुरेश साहित्याच्या मळार चकचकतालो. दुकानाची वाट लावन तो साहित्यांत वयर सरतां तें पळोवन मंगलाक ताच्या साहित्याचो दुस्वास दिसूं लागलो. तें मेळटा तेन्ना ताका घालून पाडून उलोवंक लागलें. जाता तितलो ताचो अपमान करूं लागलें. ते निमतान तरी ताणें साहित्य सोडून धंद्यांत लक्ष घालचें अशें ताका मनापासून दीस.

भांगराचेर काडिल्लें रीण पावोवपा बदला भांगरच विकपाचो वेळ तांचेर आयलो. तरीय दुकानाचो घोडो धावंक तयार नासलो. निमणे रिणाच्या चेपणान हातांत आशिल्लें जोडीचें एकसुरें साधन दुकान विकपाचो वेळ आयलो आनी कांयच उपाय ना हें पळयतकच मंगलान घराचेर रीण काडलें आनी दुकान आपल्या हातांत घेतलें. आतां ताचेर दोट्टी जबाबदारी आयिल्ली. दुकानय सांबाळूंक जाय आसलें आनी घराचेंय रीण पावोवंक जाय आसलें. ही उडी सादली ना जाल्यार सगळे वटेच्यान रस्त्यार येवंचें पडटलें हाची ताका जाणीव आसली. देखून मंगल पदर खोवून उबें रावलें.

आतां दुकानाची पुराय जबाबदारी मंगलान घेतली. भुरग्यांचो प्रस्न आसलो. सुरवेक तांची खूब धांदळ जाली. पूण मोठ्या यत्नान मंगलान दुकानाची घडी

बसयली. एकदां दुकान जाग्यार येतकर ताणें भुरग्यांक क्रशांत दवरलीं.

घोवाची मात तें वासपूस लेगीत करी नासलें. ताका लागून आपल्या संवसाराची अशी दैना जाली हाचो राग ताच्या मनांत खतखततालो. सुरेवक सुरेश दुकानार वतालो. व्यवहारांत लक्ष घालपाचो यत्न करतालो. पूण मंगलाचो ताचेर विश्वास नासलो. ताची मात्तय पर्वा करिनासतना तें दुकानाचे व्यवहार सांबाळटालें. सुरेशाक दुकानावेल्या नोकरा इतलो लेगीत मान दियनासलें. पयलीं पयलीं सुरेश ताचे कडेन उलयतालो. पूण व्यवहारा भायर एक अक्षर तें काड नासलें. नोकर, गिराय हांचे मुखार जावपी आपलो अपमान सोंसप सुरेशाक जड वचूं लागलो. हळू हळू ताणें दुकानार येवपाचें बंद केलें. मंगलान ताका एका अक्षरान कितेंच विचारलें ना.

सुरेशान घरांत रावन आपल्याक साहित्य सेवेंत ओंपून घेतलें. एक दीस ताचे एके कथेक पयलें इनाम मेळ्ळें. मंगलाक ही खबर दुकानार कळ्ळी. ताणें तो पेपर घरा हाडलो आनी ताच्या मुखार लासून उडयलो आनी म्हळें,

– अशे तरेन चारशें पांचशे रूपये मेळोवन संवसार जायना. ताका कश्ट करचे पडटात. पयसो जोडचो पडटा. बरोवप हें बेकारपणांतलें काम, ताची आनी कसली तोखणाय.

अशें बरोच वेळ तें बडबडलें. ताच्या उलोवण्यापरसय ताणें आपली कथा लासली हो घाय ताच्या काळजार चड खरायेन बशिल्लो. देखून आपलें साहित्य छापचें, तें लोकांमेरेन पावोवंची ताची उमेद शेणून गेल्ली. तो बरय बरय बरयतालो आनी फायलींत घालून दवरतालो. बायलेन आपली आनी आपल्या साहित्याची केल्ली उपेक्षा ताका आतां सोंस नासली. पूण सांगतलो कोणाक? ताका दिसतालें,

– म्हाका व्यवहार सादलो ना, हांव तातूंत अपेशी थारलों. म्हणून मंगलान म्हजी अशी उपेक्षा करप? साहित्याच्या मळार म्हाका जैत मेळत आसा. प्रतिभाशक्तीचें देणें कितें सगळ्यांकच मेळना. साहित्य कितें सगळ्यांकच साधना. तुका तोखणाय दिसना तूं करनाका पूण अशी उपेक्षा, असो अपमान कित्याक करता? पयशे जोडूंक येना म्हणटकीर म्हजी जीणच अपेशी? हांव कोणच न्हय?

अशे तरेचे विचार मनांत येतकर तो सामको खंती जातालो. हालींसराक मनावांगडा तो कुडीनय थकत गेल्लो. पूण ताचेकडेन मंगलाचें मात्तय लक्ष नासलें. दोळ्यांक झापड बांदिल्ल्या बैलावरीं तें संवसार, भुरगीं आनी दुकान ह्या त्रिकोनांत

फिरतालें. त्या त्रिकोनाचो चौकोन करचो, एक कोनसो घोवाक दिवंचो अशें ताका दिसनासलें.

कुडीन आनी मनान थकिल्ल्या सुरेशाक बारीक जोर येवंक लागलो. ताणें तो आंगार काडलो. वखद घेतलें ना आनी कोणाक जागय लावंक दिली ना. एक दीस मंगल घरांत आसतनाच तो रगत ओंकलो आनी साबुध्द वचून पडलो. तें पळोवन मंगल भियेलें. ताणें खूब धावा धाव केली. ताका बऱ्याशा हॉस्पिटलांत घालो. आठ दीस तो हॉस्पिटलांत उल्लो. निमण्या खिणाक मंगलान ताची खूब सेवा केली. पूण ती पळोवंक सुरेशान दोळे उगडले ना. घरांतल्यान व्हरतनाच तो कॉमांत गेल्लो. तातूंत ताचो प्राण गेलो.

सुरेशाचे दीस जातकच मंगल परत आपल्या त्रिकोनांत घुंवपाक लागलें. सगळ्यांत पयलीं ताणें सुरेशाचें सगळें बरप मात्तय उगडून पळयनासतना ट्रकांत घालें आनी तो ट्रंक ताणें माळ्यार उडयलो. व्हड जातकर भुरगीं बापायविशीं कितें कितें विचारतालीं. पूण एक दीस मंगलान 'तुमचो बापूय लेखक आसलो' म्हणपाचें सांगलें ना. ताच्या बरपाचो विशयच घरांत केन्नाच काडलो ना.

पूण संजयाक शाळेंत आसतना साकून बरोवपाचो नाद आसलो. ल्हान ल्हान कवनुलां तो घडयतालो. शाळेंत शिक्षक ताची खूब तोखणाय करताले. ताच्या निबंधाक तर इनामां मेळटालींच. पूण आवय ताच्या साहित्याविशीं तोखणाय करपाचें पयसच उल्लें, वेल्यान ती तापयताली. देखून संजय आपल्या बरपाविशीं तिका कांयच सांग नासलो. पूण आज ताचो निबंध दिल्लीक धाडटलीं हे खोश्येन ताणें आवयक सांगिल्लें.

तो उदास जावन आपले कुडींत गेलो. पूण आवयचें एक उतर ताच्या मनांत घट्ट बसलें.

– आईन म्हणिल्लें, बरोवपाच्या वेंसनान तुज्या बापायन म्हज्या संवसाराची वाट लायल्या. म्हणजे बाबाय बरयतालो तर. कितें बरयतालो काय? म्हजेवरीं निबंध काय कथा बी?

त्या दिसाच्यान संजयाच्या मनांत होच विशय घोळूं लागलो. बापायन बरयल्लें घरांत कितेंय मेळटा जाल्यार पळोवंक म्हणून ताणें घरांत सगळेकडेन सोदलें. पूण ताका कांयच मेळ्ळें ना.

आवयचे असवडीं तो राजन काकाक वचून मेळ्ळो. राजन देसाय ताच्या

बाबाचो इश्ट हें ताका खबर आसलें. तो केन्नाय तांगेर येतालो. ताणें सुरेशाची आनी ताच्या बरपाविशीं खुबश्यो गजाली ताका सांगल्यो. सुरेशाच्यो कथा प्रसिध्द जाल्ले दोन अंक ताचेकडेन आसले ते ताणें संजयाक वाचूंक दिले.

बापायल्यो कथा वाचून संजयाचे दोळे भरून आयले. ताणें म्हळें,

– राजनकाका बाबा इतलें सुंदर बरयताले?

– हय संजय, आज आशिल्लो जाल्यार व्हड लेखक जावपाचो.

– आईन अशें कित्याक केलें? आतांय ती म्हज्या बरपाचो दुस्वास करता.

– तुज्या आईचो तातूंत व्हडलोसो अन्याय म्हणूं नज. ती सामकी बरोबरय म्हणना हांव. पूण ती तुमची आवय आसली. तुमची जबाबदारी आशिल्ली तिचेर. सुरेशाक ती जबाबदारी घेवप जमलें ना. तुमकां बरे तरेन वाडोवप, तुमचें पोट भरप हें तुजे आवयन आपलें पयलें कर्तव्य मानलें. ते पासत जाय आशिल्लो पयसो तुमचो बाबा जोडून हाडनासलो. म्हणून तिणें तुज्या बाबाचो ताच्या बरपाचो दुस्वास केलो. आनी आतां तूंय ताच्याच वाटेन वचत म्हणून तुवें बरयल्लें तिका आवडना.

– पूण काका, बाबान आनी कितें बरयल्लें? काय आईच्या रागान सगळें सोडून दिल्लें?

– ना, ना. शेवट मेरेन तो बरयतालो. पूण छापूंक मात दियनासलो तुज्या आईच्या रागान.

– तशें जाल्यार खंय आसतलें तें साहित्य?

– तुजे आवयन तें लासून उडयलें काय खंय दवरलां तिकाच खबर.

– विचारल्यार सांवार करतली ती.

संजय विचार करीत घरा आयलो. रातची बरोच वेळ ताका न्हीद लागली ना. दुसरे दीस आवय दुकानार वतकर ताणें आख्खें घर परत सोदलें. इतल्यान ताका माळ्याची याद जाली. निसण हाडून तो माळ्यार चडलो. माळ्यावेलो कचकच हेवटेन-तेवटेन परतितकर ताका एक पोन्नोसो कळमेल्लो ट्रंक मेळ्ळो. ताका आशिल्लें कुलूप ताणें थंयचोच एक दाणो घेवन मोडलें. भितर फायली, अंक, पुस्तकां भरिल्लीं. वायटी अजून भितर रिगूं नासली. कांय पुस्तकांक कळम मात लागिल्ली. ताणें हळू हळू तें साहित्य सकल हाडलें आनी सोमतें आपले कुडींत व्हरून लिपोवन दवरलें. निसण जाग्यार दवरली आनी तो कुडींत आयलो.

दोगय भाव शाळेंत गेल्ले. घरांत कोणच नासलो, तरी लेगीत दार धांपून तो

फायली उस्तूंक बसलो.  एक एक कथा वाचतना ताचे दोळे एकेवटेच्यान रडटाले आनी एकेवटेच्यान हांसताले. परत परत एकच उतर ताच्या तोंडांतल्यान येतालें.

– वा, वा! बाबा काय बरें बरयतालो तूं!

संजयान कोणाक सुलूस लायनासतना तें साहित्य राजनकाकागेर व्हरून पावयलें. त्यो कथा ताका छापूं जाय आसल्यो. पूण बापायच्या नांवान छापल्यार आई कितें म्हणटली हाचो ताका हुस्को आसलो.

निमणे राजनकाकान ताका एक युक्त सांगली. तो संजयाक आनी तें साहित्य घेवन एका दिसाळ्याच्या संपादकाक मेळ्ळो. सगळी खरी गजाल ताका सांगली आनी कथा मानवल्यार टोपण नांवान छापूंक सांगल्यो. संपादकाक कथा आवडल्यो. आयताराचे पुरवणेंत टोपण नांवान तो त्यो कथा छापूंक लागलो.

चार-पांच कथा छापून येतकर संपादकाक वाचकाचीं पत्रां येवंक लागलीं. तींय तो दिसाळ्यांत 'लोकविचारांत' छापतालो. सगळ्यांक त्या लेखकाचें खरें नांव जाय आसलें. थोड्यांक ताका मेळूं जाय आसलें. संपादकान खरें नांव आपल्या स्टाफाक लेगीत सांगूं नासलें.

संजयाच्या बाबान 'दायज' नांवाची एक कादंबरी बरयल्ली. संजयान तीय व्हरून संपादकाक दिली. साहित्यीक सौंदर्यान भरिल्ली पेजाद अशी ती कादंबरी संपादकाक खूब आवडली. ताणें आपल्या खर्चान ती छापून घेतली. संजयाचो विरोध हुस्को राजनकाका आनी संपादकान मोडून कादंबरीचेर सुरेशाचें नांव आनी फोटो छापलो.

'दायज' कादंबरी लोकांनी माथ्यार घेतली. ते कादंबरीची गजाल आवयक कळूं नये हाची संजय जतनाय घेतालो. हरशींय जाल्यार मंगलाक पुस्तकां दोळ्यांमुखार नाका आसलीं. दिसाळें लेगीत ती केन्नाय हातांत धरी. दिसाळें वाचचे परस तें पुडयो बांदूंक ती चड वापरताली. संजयाक पयले खेपे आवय दिसाळें वाचना हाची खोस जाली.

ती कादंबरी वाचकांनी तशीच समिक्षकांनीय माथ्यार घेतली. तिचेर जायत्या जाणांनी लेख बरयले, भासाभास दवरली. ते कादंबरीक थळाव्या संस्थाचे पुरस्कारय मेळ्ळे. प्रत्येक सुवाळ्याक संजय वतालो, पूण पुरस्कार घेवंक मात राजनकाकाक धाडटालो. घरच्यांची अडचण, भायर गेल्यांत अशी निबां सांगून तो पुरस्कार स्विकारतालो.

अनी एक दीस सुरेशाचे कादंबरीक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फाव जाल्ल्याची बातमी आयली. संजयाक मळब हातांत आयिल्ल्याची खोस जाली. ताणें राजनकाकाक घट वेंग माल्ली आनी तो घसघसून रडूंक लागलो. राजनकाकाच्याय दोळ्यांतल्यान दुकां गळूंक लागलीं. 'आतां मात मंगलाक ही गजाल सांगुकच जाय.' राजनकाकान निक्षून सांगलें. पूण संजयाक धीर नासलो. तो उठून घरा आयलो.

संपादक आनी राजनकाका दुकानार मंगला म्हऱ्यांत गेले. राजनकाकान मंगलाक फाटल्या दोन वर्सांत ताणें आनी संजयान कितें कितें केलें तें सगळें सांगलें. निमणे सुरेशाचे कादंबरीक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार मेळ्ळा हीय गजाल सांगली. मंगल कांयच उलयलें ना. ताच्या दोळ्यांतल्यान फकत दुकां गळटालीं. तांकां पिवपाक कितेंय दिवपाची लेगीत ताका साबुध्द नाशिल्ली. दुकानावेल्या एका नोकरानं तांकां पिवपाक हाडून दिलें. पुरस्काराची खोशी उक्तावंक दुसरेच दिसा भोवमान सुवाळो दवरिल्लो. ताचें आमंत्रण मंगलाक दिवन दुसरे दिसा येवपाचो फोर्स करून दोगय जाण गेले.

संजयान घरांत येवन दोनय भावांक सगळी गजाल सांगली. तांकां खूब खोस जाली आनी भंयूय दिसलो. 'आई येवन कितें म्हणटली' हें येवजून ते भंयान खोस भितर लिपोवन दवरून वोग्गी बसले. कितेंय खोशयेची गजाल घडल्यार मंगल तांकां आयस्क्रीम घेवन येतालें. त्या दिसा तें भुरग्यांच्या आवडिचें आयस्क्रीम घेवन आयलें. पूण कोणाकडेन एक उतर उलयलें ना. भुरग्यांक सदचेवरीं वाडलीं, आनी आपूण कांयच खाय नासतना आपले कुडींत गेलें आनी दार धांपलें.

संजयाक आवयक वेंग मारून खूब रडूंक जाय आसलें. ताणें मनांतल्यान आड्डून म्हळें, 'आई, हांवें तुका न सांगतां बाबाचें साहित्य प्रसिध्द केलें म्हण तूं म्हजेर रागार जाल्या मगे.. जाणां हांव, तापय म्हाका, मार म्हाका... पूण... अशी वोग्गी रावनाका गे..'

पूण हेंच मोठ्यान म्हणपाचो धीर ताका नासलो.

दुसरे दिसाय मंगल वोग्गी आशिल्लें. भुरग्यांचो घुस्मटमार जाल्लो. चड करून संजयाचो. तो आवय कडेन उलोवंक गेलो काय तें 'मातसो राव... मागीर सांग' अशें म्हणत पेल्यान वेतालें. सांजवेळ जायत आयली तशे भुरगे आकूळ पिकूळ जाले. आवय सत्काराक येतली काय ना हाचोच तांकां हुस्को जाल्लो.

सांजच्या कार्यावळीक मंगल शांतपणान आयलें. तिगय चले पयलींच आयिल्ले. मंगलाक व्हरून माचयेर बसयलें आनी कार्यावळीक सुरवात जाली. उलोवपी ताची तुस्त करताले. 'मेल्या उपरांत घोवाच्या साहित्याक ताणें न्याय दिलो, घोवाचो मान राखपी खरी आदर्श बायल' अशें कितें कितें म्हणटाले. पूण लोकांच्या उलोवण्याकडेन मंगलाचें मात्तय लक्ष नासलें. ताचो सत्कार करपाचो वेळ येतकच ताणें म्हळें,

– रावात, ह्या सत्काराक हांव पात्र न्हय. हांवें म्हज्या घरकाराक ताच्या साहित्यांत केन्नाच आदार केलो ना. तांच्या साहित्याची कदरय केली ना. तेन्नाय ना आनी आतां तांच्या मरणा उपरांतय केली ना. वेल्यान तांची उपेक्षा केली. ताच्या बरपाचो अपमान केलो.

मंगलान त्या वेळार आपणे घोवाचो ताच्या साहित्याचो अपमान कित्याक केलो तें सगळ्यांक सांगलें. त्या वेळावेली आपली अडचणय सांगली आनी म्हळें,

– हांव म्हज्या वागण्याचें समर्थन करतां अशें समजूं नाकात. म्हाका बरी बायल समजतले काय वायट तो तुमचो प्रस्न. म्हज्या भुरग्यांच्याय मनांत जायते प्रस्न आसात. तांकांय हांवें म्हज्या उलोवपांत जाप दिल्या.

बापायच्या बरपाविशीं भुरग्यांक हांवें कांयच सांगलें ना, पयस दवरलीं पूण रगतांतल्यान आयिल्लो गूण हांव आडावंक शकलें ना. संजय म्हजो व्हडलो पूत बरोवपी जाला. ताचीय हांवं केन्नाच तोखणाय केली ना. बापायचें साहित्य ताणें सोदून काडून ताका प्रसिध्दी दिली. देखून आज तांचे कादंबरीक हो येदो व्हडलो पुरस्कार फाव जालो. तुमी समजल्यांत हें सगळें हांवें केलां. म्हणून तुमी आज म्हजो सत्कार करूंक म्हाका आपयलां. पूण ह्या सत्काराचो खरो मानकरी म्हजो पूत संजय. पूत बापायचें श्राध्द करता आनी शिताचो पींड ताका दिता. पूण आज संजयान बापायच्या साहित्याक न्याय दिला. बापाचयें दायज मुखार व्हेलां. खरें श्राध्द ताणें केलां. तांकां पींडदान दिलां. देखून तुमचे लागीं मागतां आज सत्कार म्हज्या पुताचो करचो म्हजो न्हय.

दोळ्यांतल्यान घळघळीत देंवपी दुकां पुसनासतना मंगला माचयेचीं सपणां देवंक लागलें.

♦♦♦

16.

# घोरपुरीस

इलें, इलें कोन सोगळें सामान व्होरों चार दीस लागोले. आतां हें थोडें उल्लां तें जाय जाल्यार मागी व्होरपाचें... आतां मात बोसतां. कासादन जालो जीव. म्हुणटासोर भुरगीं येतोलीं.

फॅन लावन तिमाना तामरेत घेवन फॅना मुळांत बसलें. ताची नदर मेजार काडून दवरिल्ल्या भाऊच्या आनी काकीबायच्या फोटवार गेली.

... जाणांय काकीबाय, मुज बाबान व्होडलें घोर बांदिलां, तुका घोस्त आसलो न्हू व्होडल्या घोराचो.. पूण तुजें नोशिबां ना जालें.. मुजी बोयणच मोणी तूं माका, तुजें नोशीब हांव भोगतां.. पूण... नेणा, काकीबाय, बाब माका नेया घोरांत व्होत्तो काय.. आजून तेणें माका नेयें घोर दाकोवं ना.. नेयें घोर बांदल्यार पुजा कोरूंकू जायी म्हुण्टा न्हू तूं? ... तुजो जुरामेत घाल्न हांयें बाबा तोयार केलो. .. केस्सो तोयार नासलो.. पूण हांव आयकोतां.. बाब आनी सुनबाय फाल्यां पुजा कोत्तोलीं.. बाब मुजेर खूब मोग कोत्ता... तेशें मुजें उतोर मोडना गे तो.. पूण.. तेणें नोये घोर माका दाखोवंक कित्या व्होयलें ना काय मुंटां हांव. .. सुनबायन बा.. छे, ती केदना आडावपा ना बाबाक. बुन्याद मारपा वोगतार तोर वोयल्लें... नेया घोरां माका वोत्तो मुगे तो? .... शे, पाड पोडूं मुजें... वायट चिंतपांच पोयलीं येतात.. मुजो बाब तेसो न्हू...

– तिमाना, तिमाना आमी आयलीं, वाड, वाड गो बेगीन भूक लागल्या.

विदिता आनी विश्वम उडयो मारीत तिमाना म्हऱ्यांत आयलीं. विचारांचीं जळमटां फाफडून तिमाना उठलें.

– आरे, आरे सांबाव, तिगां विज्रा सामान आहा. चोलाय पोयलीं बॅगां दोवरून हात पांय धुवन येयाय. हांव वाडितां तुमकां.

– तिमाना, सगळें सामान व्हेलें मगो आनी हें कितें विज्रा सामान अजून व्हेलेंच ना? आज सांजचें मांडपा जाय सगळें.

– सुनबाय, तेणीं विज्रासामान जाय म्हणून दोवोल्लां, सायेसां वोयलें म्होणटोरीच सोमतेंच जाग्यार दोवरूं मेळटो न्हूं.

– आं, बरें तर.

– सुनबाय, तूं भुरग्यां वांगडा जेवंक यो. मागी इदीं कामा ना तुका.

– पूण तिमाना, विजू अजून येऊं ना. म्हाका कशें जेव म्हणटा तूं?

– बाब केदना वोगतार येयला? तुका देये घोरां वोसूं जाय नू. हांव रावतां बाबाक.

– बरें तर, पयलीं मात्सें हांगा यो.

– तिमाना, जेवण, तिमाना, जेवण.

भुरग्यांनी ताटां वाजोवंक सुरवात केली.

– येतां बाबांनो, येतां. सुनबाय तूं कित्या आपोयी?

– तिमाना हे पंचवीस हजार रूपये दवर. सांजवेळां मेस्त येतलो ताका दी. आनी हें म्हजें भांगर, फाल्यां सगळें भांगर घालूं जाय म्हूण तुजो हट न्ही.

– होट म्हुणजे? होटच, इतू भांगार कित्या केलां बँकाँ दोवरूंक? ह्या टायमार घालना जाल्यार केन्ना घालोप तें?

– म्हणून हाडलां, घे, सांबाळ आतां. आनी हे पयशे दवर. ह्या दिसांनी मोडूंक जाय न्ही. परत परत बँकेंत वचूंक वेळ ना. चल, तकलेवेलो एक पेज देंवलो.

– सायबा भोगोश, सुनबाय तुयें तोकलेवेलो पेज काडलो आनी मुजे तकलेर घायलो.

तिमानान हांसून म्हळें.

– जावं तिमाना, तूं घरांत आसता न्हय.

– होय सुनबाय, मुज्यान आनी कांय जायना हें तोरी काम कोरतां.

– आवय, तिमाना, अशें म्हणूं नाका हां. ह्या जाण्ट्या पिरायेर लेगीत तूं थोडीं कामां कना. म्हज्यान आतांच नज जालां. बरें, हांव भुरग्यांक वाडूंक वतां.

तूं हें जाग्यार दवरून यो.

बाब आनी मानाय वांगडाच आयले. तिमानान सगळ्यांक जेवण वाडलें आनी निमणे आपलें पान वाडून घेतलें.

जेवन जातकच सुनबाय आनी बाब दोनय मानायांक घेवन नव्या घरांत गेलीं. वतना तांणी भुरग्यांक व्हरून ट्युशनाक पावयलीं.

आतां तिमाना घरांत एकटेंच आसलें. जेवन जाले उपरांत तिमाना आपल्या खाटेर आड पडलें. ताची नदर तामरेतीर गेली.

– आब्बा! इतू कामां बोवाळांत लेगीत सुनबाय ... मुजी वोखतां आनी उदाक दोवरूं विसोल्ली ना... मुजी सुनबाय म्हळ्यार भांगरा चेडूं.. खोरेल्या सासमाय भाशेन ती माका रेस्पेत दिता. येसो सून मेळूं नोशीब लागता.. जायत्या जाणांनी सास मांयक रातयां घोराभायर काडलोलीं चोयल्यां हावें.. सायबीणमांय खुंयच्यान खूंय हाडून दोवोल्लीं तुयें माका.. आज कोट्टी घेवन भीक मागीत फिरता आसलें हांव....

फिलोमेना, एका गरीब घराब्यांत जल्माक आयिल्लें. एक वेळ जेवल्यार एक वेळ उपाशी रावपाचो तांचेर वेळ येतालो. आंतोन भाटकाराच्या भाटांत तीं रावतालीं. आंतोन भाटकाराच्या दोन धुवांचें लग्न थारिल्लें. दोगय धुवो वतकच घर रिकामें जातलें हें येवजून आंतोन भाटकारान फिलूक पोसूंक घेतलें. ताच्या दोनय धुवांक हें व्हडलेंशें आवडलें ना. तरय नव्या संवसाराच्या बोवाळांत तांणी विरोध दाखयलो ना.

फिलोमेनाचे दीस बदल्ले. तें आतां इवेत भाटकान्नीवांगडा नवे नवे विस्तीद घालून मिरयतालें. तिणें ताका इश्कोलांत लेगीत घाल्लें. इवेत आनी आंतोन ताचेर खूब मोग करतालीं. खरेली धुवच कशीं ताका वागतयालीं.

अभ्यासांत फिलूची तकली व्हडलीशी चलना जाली. ताणें इश्कोल सोडलें आनी आंतोन भाटकारा वांगडा भाटा बेसांच्या व्यवहारांत लक्ष घालें.

फिलू विशेक वर्सांचें आसतना टायफोड जोराचें निमित्त जावन आंतोन भाटकार पेड्डेर जालो. इवेत भाटकान्न आनी फिलू दोगांच घरांत उरलीं. फिलू भायले वेव्हार सांबाळूनय आवयक आदार करतालें.

पूण इवेताच्या दोगय धुवांक फिलूची नसाय जाली. तांकां पयलींच बापायन फिलूक पोसूंक घेतलां तें आवडूं नासलें. पूण बापाय मुखार तीं कांयच उलोवंक

शकनासलीं. आतां फिलू सगळो भाटा–बेसाचो वेवहार, घरदार सांबाळटा तें पळोवन तांची चडच नसाय जावंक लागली.

तीं दोगांय आपल्या कुटुंबांसयत आवयगेर येवन रावलीं.

हांगाच्यानच फिलूच्या हालांक सुरवात जाली. आंतोन आनी इवेतान फिलूक केन्नाच पोसूक मानूं नासलें. ताणी ताचें व्हडा दबाज्यान काजार करून दिवपाचें थारायल्लें. फिलुच्या घोवाक घर जांवय करपाचोय तांचो विचार आसलो. घोवाची इत्सा पुराय करतली ह्या हेतान इवेत भाटकान्न फिलू पासत भुरगो सोदताली. तांणी फिलूक सगळें भांगर देण्याक दिवपाच्यो सगळ्यो वस्तू घेवन दवरिल्ल्यो.

पूण दोगय भयणी उरफाट्या पायांनीच घरांत सरिल्ल्यो. तांणी फिलू पासत दवरिल्लें सामान आपले भितर वांटून घेतलें आनी फिलूक चेडूं करून दवरलें. फिलू तोंड दुर्बळ. एका अक्षरान ताणें भयणीक कांय म्हळें ना.

पूण जाणटे पिरायेर धुवांची करणी इवेत भाटकान्नीक सोसूंक जाली ना. तिणें हातरूण धल्लें. फिलून तिची मना पासून सेवा केली. पोटांत जल्म घेतिल्ल्या धुवांनी फाट फिरयल्ली पूण पोसकी धूव आपले पासत झरता तें पळोवन इवेत भाटकान्नीक चडच दूख्ख जातालें.

फिलूक एकटें दवरून इवेत भाटकान्न गेली. आवयच्या मरणाची पर्वा करनासतना दोगांय धुवांनी भेंस भाट वांटून घेवपाचें थारायलें. सगळ्या पयलीं तांणी फिलूक घरांतल्यान भायर काडलें.

– हांव आनी खुंय वोसूं, तुमगे वावराडी जावन रावतां, माका धांवडाव नाकाय.

अशें म्हुणून फिलून तांचे हात पांय धरपाचो यत्न केलो. पूण ताचें कांयच आयकनासतना तांणी ताका दारा भायर घालें आनी दार धांपलें.

तांचे शेजराच भाऊ आनी काकीबाय रावतालीं. वयाचें अंतर आसूनय फिलू काकीबाय मदीं दाट इश्टागत आसली. फिलूक घराभायर काडटकच तें रडरडत काकीबाय म्हऱ्यांत आयलें.

हालींसराक दोगय भयणींचे त्रास तें काकीबायक येवन सांगतालें. मांयक कितेंय जालें जाल्यार आपल्याक आनी जागो ना हाची ताका जाणीव जाल्ली. जीव दिवपाचो विचार तें काकीबायक उलोवन दाखयतालें. काकीबाय ताका समजायताली. आज ताका खऱ्यांनीच घराभायर काडिल्लें पळोवन काकीबाय

भियेली. फिलू आपल्या जिवाचें बरें वायट करत हाचो तिका हुस्को जालो. समाजाची पर्वा करिनासतना भाऊक कांय विचारिनासतना काकीबायन फिलुकडल्यान उतर घेतलें.

काकीबायचें घर सोडून खंयच वचचेंना म्हणपाचें उतर फिलून दिलें आनी काकीबायक सू ऽ जालें.

आंतोन भाटकार भाऊचो बरो इश्ट आसलो. ताका फिलुची सगळी गजाल खबर आसली. ताणेंय व्हडा खोश्येन फिलूक आपल्या घरांत येवकार दिलो.

पयलीं पासून भाऊक फुडारिल्ल्या विचारांचो म्हूण वळखताले. सगळ्या जाती धर्मांतले लोक तांगेर येवन खावन जेवन वतात म्हूण तांचे सोयरे मातशेशें पयसच रावताले. आतां फिलूक घरांत घेतकीर तर सगळ्या सोयऱ्यांनी तांकां सामकीं पेल्यान दवरलीं. काकीबायन ताका लागीं केलां म्हणून तिकाय जायतें आयकून घेवंचें पडलें. पूण भाऊन आनी काकीबायन कोणाचीच पर्वा केली ना.

फिलून घरांत आयिल्लें तेन्ना काकीबायच्या पोटांत नियती आशिल्लें. पयलोच बाळंटेर आसून लेगीत तिचे आवयन फिलूक लागून काकीबायक कुळारा व्हेली ना. बाळंटेरा वेळार काकीबायक बरेच त्रास जाले. सय म्हयने तरी ती हातरूणार आशिल्ली. पूण फिलून काकीबायची भयण जाल्लेवरी सेवा केली.

भाऊन आनी काकीबायन जायते फावटें फिलूक काजराविशीं विचारिल्लें. पूण फिलून काजार ना जावपाचो निश्चेव केल्लो.

नियतीक उलोवंक येत सावन फिलुचें तिमाना जालें. काकीबायपरस तिमानाकच नियती आवय समजतालें. विजय जालो तेन्ना काकीबायच्या पांयांक बरोच देफेत आयलो. ती आपल्या पांयार धड उबी रावंक शकनासली, धड कोणाच्या आदाराशिवाय एक पावल चलूंक शकनासली.

काकीबाय, भुरगीं आनी संवसार सगळ्याची जबाबदारी तिमानाचेर येवन पडली. तिमानान हांसत्या तोंडान ती पत्करली. कश्टांची ताका पर्वा नासली. जाय आसलो तो मोग. तो ताका भुरग्यांकडल्यान आनी काकीबाय कडल्यान मेळटालो. भाऊय ताका रेस्पेतान वागयतालो. देव-देवस्पण भाऊ तशें मानपी न्हय. तरी लेगीत भाऊन तिमानाक एक सायबीण मांयची मूर्त हाडून दिली आनी एक कांत मारून ताचेर दवरूंक लायली. आपलो जीव आसासर भाऊन त्या कांतार मेणवाती पुडो फाल्त केलो ना.

समज येत साकून दोगांय भुरग्यांनी काकीबायक हातरूणाचेरच पळयल्ली. सगळें घर तिमाना सांबाळटालें. भुरगींय तिमानाक आपली आवयच समजतालीं. आवयच्या मोगानच तिमानान तांकां वाडयलीं.

नियतीच्या लग्नाकडेन काकीबाय चड बरी नाशिल्ली. हुस्को काडत काडत नियतीचें लग्न जालें. नियतीच्या लग्नाक दोन म्हयने जावंचे पयलींच काळजाचो आताक येवन भाऊ पेड्डेर जालो. भाऊचो धको काकीबायचे दुबळे कुडीक सोंसलो ना. भाऊचे दीस जावंचे पयलींच काकीबायन दोळे धांपले.

अचकींतच दोगांय फाटोफाट गेल्ल्यान तिमानाक आपूण मुळांतल्यान हुमटून पडिल्लेवरीं दिसलें. बाबाचें एल्. एल्. बी. चें पयलेंच वर्स, आतां कशें जातलें हें येवजुनच ताचेर आकांत आयलो. तिमानाक जोर येवंक लागलो.

तिमानाच्या खांदार तकली दावरून आवय-बापूय गेल्ल्याचें दूख्ख बाबान सोंशिल्लें. पूण तिमाना बरें ना तें पळोवन ताचेर आकांत आयलो. कॉलेज चुकोवन तो तिमानाचे सेवेक लागलो. बाबाचें तोंड पळोवन तिमानान आपल्याक सावरून घेतलें. बाबाक लागून उबें रावूंक जाय ही जिद्द मनांत घेवनूच तिमाना बरें जालें.

– आज मुजो बाब वोडलो आदोगाद जाला. केदें घोर बांदलां तेणें.. काकीबाय आनी भाऊ आसूं जाय आसले.. केदी खोस जातासली तेंकां.. चोल, उठल्या बोरें.. चाये उडोयतां, भुरगीं येवपा जालीं... आळसाय फाफडून हळूहळू तिमाना उठून उबें रावलें.

नव्या घराच्या हॉलांतच सत्यनारायणाची पुजा करूं जाय अशें तिमानान सुनबायक सांगिल्लें. पुजा म्हळ्यार कडक सोवळें हें तिमानाक खबर आसलें. आपल्याक लागून भटमामाक कांयच आडखळ जावं नये म्हूण तिमानान फाटल्या दारांतल्यान येवन एके कुडींत बसपाचें थारायल्लें. बाब वतना मुद्दाम रांदचे कुडींत रावलें.

– तिमाना, यो बेगीन. वचपाचो वेळ जालो. विचार फाफडून तिमाना भायर आयलें.

– बाब, तुमी वोसाय, हांव मागीर येता. हें जाग्यार घालपा जाय.

– जाग्यार तूं शें घालतलें. तुवें आमचे बरोबर येवूं जाय. यो अशें यो.

गाडयेचें दार उगडून बाबान म्हळें.

– ना बाब, हांव तुमचे बाराबार येना, मामगे गाडयेन येतां, तुमी वोसाय

बेगीन. भटमाम पावला जातलो थुंय.

– तिमाना, आज कितें जालां तुका, वोदोळ रांदचे कुडींत पोशेतालें, आतां आमचे बरोबर येना म्हण्टा.

– ना रे बाब, तूं आनी सुनबाय देवागे तांबडें कापोड न्हेसल्यांय. तुज्या हातां देव आहा, सुनबायको भोरले बिंदुल आहा. हांव केशें बोसूं तुमच्या बाराबोर.

– आं, तिमाना, तूं म्हजी आवय मगो, म्हजी काकीबाय तूं, यो आवय बरोबर बसून गेल्यार कितें जाता पळोवंया.

– असलो विचार लेगीत मनांत हाडनाका हां तिमाना.

– चल बस गाडयेंत. आवय बरोबर आसप म्हळ्यार सगळें सोवळें आसता. सुनबायन ताका हाताक धरूनच गाडयेंत बसयलें.

गाडयेंतल्यान देंवले बरोबर तिमाना उमळशिकेन घर पळोवंक लागलें. तितलेसर एका हातान देव आशिल्लें सूप धरून दुसरे हातान बाबान तिमानाचो एक हात धरलो. कळसुली हाण्डीर आसतनाच सुनबायन तिमानाचो दुसरो हात धल्लो आनी बाबान म्हळें,

– तिमाना, आयच्या बऱ्या मुर्तार तुजें पावल घरांत पयलीं पडचें म्हणून इतले दीस तुका घरांत हाडूं नासलें. चल तुज्या घरांत तूं पयलीं भितर सर.

– बाब, हें कितें, सुनबाय कित कोत्ता....

भरिल्ल्या दोळ्यांनी तिमाना म्हणटा आसतना बाबान आनी सुनबायन ताका सोमतें ताचे कुडींत व्हेलें. नव्या आल्ताराचेर सायबीणमांयची मूर्त हांसताली, कुशीकच खुर्सार जेजू हांसतालो. आल्तारभर मेणवाती लायिल्ल्यो. सुनबायन फस्क मुखार केलें,

– तिमाना, फस्क घे, पेटय मेणवाती.

तिमानाच्या दोळ्यांतल्यान घळघळीत दुकां व्हावंक लागलीं.

♦♦♦

# कथांची पुर्वप्रसिध्दी

| | कथेचें नांव | अंक | वर्स |
|---|---|---|---|
| 1. | मोनी बावली | लामणदिवो (दि.अ.) | 2007 |
| 2. | काळ्या पिड्डुकांचें वजें | बार्देस (दि.अ.) | 2007 |
| 3. | जोगम्मा | जाग (दि.अ.) | 2007 |
| 4. | पिसाय | कोंकणी (दि.अ.) | 2006 |
| 5. | बायेचें लग्न | उर्बा (दि.अ.) | 2006 |
| 6. | कांट्यांतली वाट | जाग (दि.अ.) | 2006 |
| 7. | उध्दाराश्रम | कोंकण टायम्स (दि.अ.) | 2006 |
| 8. | म्हजी मोगाची धूव ती | कोंकण टायम्स (दि.अ.) | 2005 |
| 9. | मन वळटा वळना | बिम्ब (दि.अ.) | 2005 |
| 10. | पन्नाशी | सुनापरान्त (दि.अ.) | 2006 |
| 11. | दुदावेली साय | जाग (दि.अ.) | 2005 |
| 12. | उश्णी आवय | कोंकणी (दि.अ.) | 2005 |
| 13. | ममता | सुनापरान्त (च.अ.) | 2005 |
| 14. | सवतीचीं भुरगीं | जैत (दि.अ.) | 2005 |
| 15. | दायज | कोंकण टायम्स (दि.अ.) | 2004 |
| 16. | घोरपुरीस | कोंकणी (दि.अ.) | 2001 |

## माया अनिल खरंगटे

आशयसुत्रां आनी अस्तुरीप्रधान कथावस्तू केळोवपी पुरोगामी कथाकारांमदीं श्रीमती माया खरंगटेन आपली खाशेली सुवात सुगूर केल्या. स्त्री– सुलभ ममत्व, विचारीक अनुबंध आनी मानववादी दिश्टीकोण हीं तिगेल्या सर्जनात्मक दिश्टाव्याचीं मुखेल तासां.

चालंत सामाजिक प्रस्नांची मांडणी करूनच तिगेली कथा थारना; त्या प्रस्नांची मुळां ती व्यष्टी – समष्टीच्या आंतरक्रियेंत तशेंच मनीसमनाच्या वाठारांतय नुलयत सोदता; आनी समस्यां सामकारा, मूक शरणागती पत्करचे परस वा तांचेर अडेचें जैत हातासचे परस, वेव्हारीक नदरेन (संदर्भाक सोबसारके तरेन आनी वास्तवाक धरून) हारून वा जिखूनय तांचेर मात करपाचेर भर दिता.

संवकळीच्या दिसपट्टया जिणेचें चित्रण करतना माया खरंगटेक आपलो – परको वा भायलो – भितरलो हे हावके भेकडायनात. देखून, थळाव्या चाकोरीबद्द समाजजिणेची उकल करून पळेतनाच, तिगेली संवेदनशील नदर अचळय परीघाभायल्या उपेक्षित घटकामेरेनय पावता ......तशाच सुक्षीम निरिक्षणासयत... तशाच तटस्थ जाणविकायेन ..... आनी तितल्याच आपुलकायेन.....!

तुर्ताक तिच्या कथेसामकारा एकूच अगड आव्हान आसाः तें म्हळयार, अस्तुरी प्रधान तोंडावळो आशिल्ल्या आपल्या भौताशी कथेक एकांगी अस्तुरीवादाच्या सावटासावन अळंग वाटावपाचें. हे खातीर ती आवश्यक चत्राय आनी कल्पकताय फुडाराक दाखयतली ही आस्त बाळगूंक आज तरी हरकत नासची !

—— किरण बुडकुले
05 / 05 / 09

राजाई प्रकाशन